माशाल्लाह हावें तुजो मोग जोडला

-युसूफ अ. शेख

माशाल्लाह हावें तुजो मोग जोडला

माशाल्लाह हावें तुजो मोग जोडला

युसूफ अ. शेख

माशाल्लाह हावें तुजो मोग जोड्ला

-युसूफ अ. शेख

पयली उजवाडावणी:

१९-१२-२०१४

© युसूफ अ. शेख

e-mail:
yusufgoa@gmail.com

उजवाडावपी:

युसूफ अ. शेख
ओ रे सोय
१६७ (१), कोलासो आर्केडी फाटल्यान
देस्तेरो (सकयलो वाडो)
वास्को-द-गामा, गोवा ४०३८०२

Publisher:
Yusuf A. Sheikh
O Re Soi
167 (1), Behind Colaso Arcade,
Desterro Ward Down,
Vasco-da-Gama,
Goa - 403802 India.

छापपी:

लोकमान्य प्रोसेस
खोर्ली तिसवाडी-गोवा.

मुखावयलें चित्र: युसूफ अ. शेख

मोल: ₹ २००/-

अर्पणः

एदुआर्द फालैरो

हांकां आदरमानान

मनोगत

खंयसान तरी स्फूर्त मेळत रावता आनी प्रतिभा जागत आसता. मागीर आपले कडसून दर्जेदार आनी समाजाक उपयोगी अशें साहित्य घडून येवप होच लेखकाचो हावेस आसता. आमकां पाखां नासतात पूण हावेसाच्या पाखानी उंच उंच उडपाचे आमचे यत्न चालूच आसतात.

सरकारी नोकरेंतल्यान सेवा निवृत्त जाल्या उपरान्त हांवें अणभवलें कीं आदीं सावन साहित्य निर्मितेची ओड लागिल्ल्या मनशाक जिविताची फुडली वाट चलपा खातीर बरप सोडून दुसरो मार्ग धरप कठीण. जें स्फूरता तें बरोवप आनी बरोवप्यांच्याच संगतींत दीस सारप गोड लागूंक लागता. साहित्याचे वाटेर चलता आसताना साहित्य निर्माण करप ही एक बाजू आनी तें वेवस्थींत एकठांय करून पुस्तक रूपान उजवाडाक हाडप ही दुसरी बाजू. लेखक संवेदनशील आनी लहरी आसता. स्फुर्तेचो नेट ताचेकडसून साहित्य निर्माण करून घेता पूण भौतेकदां तें उजवाडाक हाडपाक कोणें तरी फाटल्यान धुकलचें पडटा. म्हाका असलेच कांय इश्ट वांगडी मेळ्ळे जे हे बाबतींत परत परत म्हाक "पूश" दीत रावले. तांच्याच तोखणायेच्या आनी उत्तेजनाच्या उत्रांक लागून "म्हाशाल्लाह हांवें तुजो मोग जोडला" हें पुस्तक उजवाडा हाडपाचें काम हावें हातांत घेतलें.

जायते खेपे अशें घडटा कीं जांचे कडसून अपेक्षा आसता थंय सावन प्रोत्साहन मेळना आनी भलतेच वटियां मदतीचो हात फुडें येता; आनी मागीर सप्नां साकार जावंक पावतात. फळाची अपेक्षा करी नासताना वावर चालूच दवल्ल्यार खंयचे तरी शक्ते कडसून मदत मेळटाच मेळटा हाचो अणभव म्हाका मेळला. साहित्याच्या वाटेर चलता आसताना हावें

खूब इश्ट जोडले आनी कित्येकजाण सोडुनूय गेले. पूण नवे इश्ट मेळतच रावले आनी मोगाचे वाटेक गती मेळत रावली. हें पुस्तक उजवाडा हाडपाक म्हजे खास इश्ट अनिल कामत शंखवाळकार, अशोक रघुवीर चोडणकार, विश्वनाथ विष्णू सावंत आनी उल्हास दत्तात्रय जोशी हांची म्हाका मदत लाबल्या. हांव तांकां मना पासून दिनवाजतां.

हे कमप्यूटर युगांत सगलें जग एक ल्हानसो गांव कसो जालां म्हणटात ते साप खरें. अश्या वेळार "वसुधैव कुटुम्बकम" चें म्हत्व जाणवल्या बगर राव ना. आमकां सगल्यांक संकुचीत वृत्त पासून बरेंच पैस वचपाचें आसा. सबंद संवसारांतल्या लोकाचे पिडे आड झुजपाची शक्त आमच्या साहित्यांत येवचेली गरज आसा. प्रत्येक मनशाक लाव मेळुंयेता अशें साहित्य आम चे कडसू घडपाक जाय. सबंद संवसाराक उजवाड दिवपी सुर्याची रसणाय आमच्या लिखणींत देंवतली अशी इत्सा बाळगूंया.

युसूफ अ. शेख

वास्को-द-गामा, गोंय.

• • •

मोगान उलायतां उलयतां विकृतीचेर बडी मारपी युसूफाचे उल्यार उले

युसूफान प्रस्तावनेचीं दोन उत्रां बरोवपाक आपलें लिखाण म्हजे लागीं दिलें तेन्ना एका प्रकारचो सन्मान स्विकारपाची संधी म्हाका प्राप्त जाल्या अशें म्हाका दिसलें. कोंकणी साहित्याच्या मळार युसूफबाबान जी नामना जोडल्या ताचो अपुरबायेन उल्लेख केल्या शिवाय रावंनजो. तांकां साहित्या खातीर गोवा राज्य पुरस्कार फाव जाला आनी तांका तो फावता इतलेंच न्हंय तर देशांत अनेक कडेन तांच्या लिखाणाची आनी तांच्या व्यक्तिमत्वाची तोखणाय जाल्ल्याची म्हाका जाण आसा.

युसूफबाब आनी हांव, आमी दोगूय, प्रचार आनी प्रसार माद्यमांत वावुरताले आनी तांच्या बरोबर विचारांची देवण घेवण करपाक सदांच म्हाका आवडटालें. तांच्यो कविता म्हाका मानवताल्यो आनी हांव रेडियो वेल्यान ताणीं रचिल्लीं गितां आयुकापाक रावतालों. तांच्या लिखाणांतल्यान जि मोगाची भावना व्यक्त जाता ती उल्लेखनीय आसा. प्रस्तावनेचीं दोन उत्रां बरोंवक हांवें जेन्ना तांगेली बरपावळ हातांत घेतली तेन्ना सगल्यांत पयली म्हाका दिसलें तें म्हणजे : मोगान उलय, मोगान बरय, मोगानूच जिवीत चल्य - असो संदेश तो सगल्यांक दिवंक सोदता. ही फकत घोशणाच न्हंय तर हे भावनेक ताणीं स्वता आचरणांत हाडून दाखयल्या. हे गजाली ची गवाय तांगेल्या पुस्तकांतले लेख दिल्या बगर रावनांत. आनी ते साहित्य यात्रेर आसताना हांवें जेन्ना तांचे बरोबर मंगळूर, मुंबय, दिल्ली आनी हेर कांय सुवातींक भेट दिली तेन्ना केद्या व्हड प्रमाणांत ताणीं लोकांचो मोग जोडला हाची कल्पना म्हाका मेळ्ळी. ते जवळ जवळ ३० वर्सां आदीं मंगळूरांत आकाशवाणी केंद्राचेर कार्यक्रम अधिकारी म्हून वावुरताले आनी त्या वेळा कोंकणी भास आनी कोंकणी साहित्याक ताणीं जें योगदान दिलें ताची पावती म्हूण मंगळूरच्या लोकान सुमार तिन दसकां उपरान्त एक खास मानाचो पुरस्कार दिवन तांगेलो सत्कार केलो. त्या वेळार जें वातावरण घडून आयिल्लें ताचो

उगडास केल्यार म्हजें काळीज भरून येता.

याद जाता कीं २००२ वर्सा तांगेल्या "गांठी" ह्या पुस्तकाचें पणजे माहिती खात्या लागसार टी. बी. कुन्हा सभागरांत भौ. पुरुषोत्तम काकोडकरांच्या हातान उक्तावण जालें तेन्ना कोंकणीचे म्हालगडे डॉ. मनोहर सरदेसाय हाणीं युसूफाक एकचाराचें प्रतीक म्हूण उपमा दिल्ली तर खासा श्री काकोडकारान "मोगाळ भुरगो" म्हूण ताची फाट थापटायिल्ली. हे कार्यवळीक डा. र. वि. पंडित, एन शिवदास, शंकर भांडारी, थोमाझीन कादीझ, अभयकुमार वेलिंगकार आनी उदयबाब भेंब्रेय हाजीर आसले. ह्या मानेस्तांची हजेरी युसूफबाबाली लोकप्रियता दाखयता. युसूफबाबाले दुसरें पुस्तक म्हणजे "रंगघाय". ह्या पुस्तकाक प्रस्तावना बरयताना जेस्ट कवी प्रकाश पाडगांवकारान युसुफाक "एक जिते-जिवें रसायण" म्हूण उपमा दिल्या. ते म्हणटात: "हें रसायण केन्ना ल्हवपिक जावन मोगाचीं गीतां गायता आनी केन्ना भोंवतणी घडटल्या आगाळिको, अत्याचार पळोवन तिडकीन उसळटा. ते जितले सुंदरतायेन मोगा-गीतां रचतात, तितलेच पोटतिडकेन सामाजीक कविता बरयतात. “गांठी” ह्या तांच्या पयल्या कविता झेल्यांत हे गूण दिसतात. तसलेच गूण तांचो दुसरो कवितां-झेलो “रंगघाय” हातूंतय असात. वास्को हें गोंयचें आयज आपलो चेरो शेणिल्लें शार जालां. ह्या शारांत युसूफाचें भुरगेपण गेलां. ते हांगा खेळळ्यात , शिकल्यात, वाडल्यात...आमी जेन्ना वास्को चो चेरो पळयतात, तेन्ना आमकां ताची सट करून वळख मेळना. वास्को आयज गोयांत आसून तें गोंयां भायलें जालां कशें दिसता. हाका लागून जो कोण हांगा आपलें निज सोदता, ताका तोच अडेचो कसो दिसपाक लागता. कवी युसूफबाब जेन्ना ह्या शारांत भोंवतात, आपणाल्या भुरगेपणांतल्यो यादी जागयत, आदल्यो कुरवो सोदतात, तेन्ना तांकां थंय ते शेणिल्लेवरी दिसून ते म्हणटात: तें सान बंदर थंयच आसा, थंयच्यो बोटी कोणें व्हेल्यो? आंगा पांगांत तुफान हाडपी ,काळजा वसाडी खंय गेल्यो?"

रेडियोर आनी त्या उप्रान्त टेलेविझन केन्द्राचेर वागुरताना युसूफबाबान अनेक युवजनांक प्रोत्साहन दिवपाचें काम केलां.

गोवा कोंकणी अकादमीचे अध्यक्ष आनी नामनेचे कोंकणी लेखक श्री पुंडलीक नायक तांच्या सांगाता वावुरल्याचो उगडास काडून म्हण्टात:
"पणजी आकाशवाणी केंद्राचेर आसताना ताणे सादर केल्ल्या "पोदेर" माहितीपटाक अखिल भारतीय थरावयलो आकाशवाणी पुरस्कार लाबला. १९८० च्या अदमासाक ताचे बरोबर पणजी आकाशवाणीचेर सहसंपादक म्हण वावुरपाची संद म्हाका लाबल्या. तेदेवेळार तागेलो कोंकणीवयलो आनी साहित्यावयलो मोग हांवें पळयला. एक लेखक म्हण म्हजी दुसऱ्यांकडेन तोखणाय करपाची एक्कुय संद ताणे केन्ना सोडूंना. तागेल्या सांगातान दुस्वसाबगरचे एके इश्टागतीचो अणभव हांवें घेतला. अखिल भारतीय नभोनाट्य सर्तिंत म्हज्या "मर्णकटो" नभोनाट्याक पुरस्कार लाबलो त्या वेळार म्हज्या परस चड खोस ताकाच जाल्ली. पणजी दूरदर्शनाचेर कार्यावळींचें "कोंकणीकरण" करपाक ताचोच शिंवाचो वांटो आसा. ते खातीर ताणे विरोधकांचो तसोच आपल्याय मनशांचो राग आनी विरोध सोसला."

मदीं कांय वर्सां "ओ रे सोय" नावाचें नेमाळें ते उजवाडाक हाडटाले. तातूंत लेख बरोवपाक म्हाकाय ताणीं उत्तेजीत केलें. युसूफबाबाल्या लिखाणांत मोग आसाच पूण त्याच बरोबर अन्याया आड रागूय आसा. कांय स्वार्थी लोकाच्या कर्तुपांक लागून गोंयच्या सौंदर्याची जी नासाडी जाता तें तांच्यान पळोंव नजो. युसूफबाब निर्मळ मनाचे आनी गोड सभावाचे एक बिचारवंत लेखक आनी कवी. वर्तमान पत्रां आनी कांय नेमाळ्यानीं तांच्यो कांय कथाय उजवाडाक आयल्यात. आयुश्यभर आकाशवाणीचेर वेगगळ्या सामाजीक विशयाचेर ताणीं उलोवपां केल्यांत.

"माशाल्लह हावें तुजो मोग जोडला" ह्या पुस्तकांत तांच्या वैचारीक

लेखांचो आसपाव आसा. तांची भास सगल्यांक समजुपा सारखी सरळ आनी सोंपी. तांची बरोवपाची शैली उच्च पांवड्याची म्हणल्यार अतिताय जावची ना. ते आपले विचार मांडता आसतना खंयच आडखळनात. युसूफबाबांसरीं सगल्या गजालींकडेन बारकायेन पळोवपाची नदर आसा. मनशाच्या आचार विचारांत, मनशाच्या सभावांत आनी आचरणांत घडत येवपी बदलाव ते बारीकसाणेन पळयतात आनी सुक्षम तरेन निरिक्षण करतात. विखारी वृत्ती, फुटीरवादी भास आनी लोकाक नाडपी विकृतीचेर ते अचळय बडी मारतात.

कांय कोंकणी पुस्तकांचेर आपलो अभिप्राय दिवन समिक्षा साहित्य निर्माण करपाची तांकूय तांणी आपल्या ह्या पुस्तकाद्वारा दाखोवन दिल्या.

आपूण एका मुसलमान घराण्यांत जल्मल्ल्याचें भ्यान दवरून कांय मुस्लीम सण मनोवपा फटली त्याग आनी समरपणाची जी भावना आसा ते विशींय ते विस्तारून सांगतात. युसूफबाब हे एक संवेदनशिल लेखक. बरोवपाची वोड आशिल्लो संवेदनशील मनीस जे वाठारांत रावता वावुरता, आपली सुखदुख्खां भोगता, थंय ताच्या भोंवतणच्या घडणुकांचें चित्रण, अणभव, ताच्या बरपावळींत येवप सभावीक. असले तरेची बरपावळच समाजाचो, समाजजीणेचो हारसो जाता आनी आपल्या काळाचें दर्शन मुखार येवपी पिळग्यांक घडयता.

युसूफ शेखांलें "माशाल्लह हावें तुजो मोग जोडला" हें पुस्तक भारतीय़ भासांतल्या साहित्याक भोवच मोलादीक थारतलें अशेंच म्हणचें पडटलें.

-विश्वनाथ विष्णू सावंत
आदले माहिती अधिकार, गोंय.

— मांडावळ —

१. आमी खंय गा उरतले? ११
२. मोगाचीं नातीं १४
३. सायबा भोगोस १८
४. दिसपट्टे जिणेंतले चमत्कार २०
५. आमी कित्याक घसरतात?........................२४
६. बरो मनीस, वायट मनीस...........................२८
७. भ्रश्टाचर मुक्त समाज सुसंस्कृत समाज ३१
८. मोहर्रमः त्याग, सदभाव आनी समर्पण ३६
९. ईद-ए-मिलादः शांतीदूतालो संदेश ३९
१०. अप्रूप गीतकाव्य ४२
११. कोंकणी गीत आनी संगीत - एका मेकाच्या सोदांत...४९
१२. गीत कशें घडटा ५४
१३. गोंयां उर्दु भाशेचेर कोंकणीचो प्रभाव ६०
१४. गोंयचे बदलते जिवीत शैलीचेर धांवती नदर ६६
१५. अभिप्राय ७३
१६. म्हका भेटिल्ले पुरुषोत्तमबाब काकोडकार ९५

आमी खंय गा उरतले

2008 आंतोन पेरैरा पुरस्काराचे मानकरी
श्री युसूफ अ. शेख हांचें स्टीफन्स कोंकणी केन्द्राच्या सुवाळ्या वेळा केल्लें उलोवप

गोंयचे मानादीक भिस्मसायब भोवमानेस्त फिलीप नेरी फेर्रांव हांच्या हातान आयज प्रतिश्टीत आन्तोन पेरैरा पुरस्कार स्विकारुन म्हजें काळीज खोशयेच्या उमाळ्यानी भरुन गेलां. कारण ह्या पुरस्काराक एका व्हडा किर्तीवंत मनशाचें नांव जुडिल्लें आसा. साहित्यीक आनी सांस्कृतीक मळाचेर मनशाचो तळमळीचो वावर आनी गूण धर्म पळोवन दिल्ल्या ह्या पुरस्कारान मायेमोगाची भावना आसा. भौच नमळायेन हो मोगाचो भोवमान स्विकारुन भैाच थोड्या उत्रानीं म्हज्या काळजाचे उमाळे व्यक्त करता आसताना इतलेंच सांगीन दिसता की आमच्या साहित्य निर्मितींतल्यान, आमच्या प्रचार आनी प्रसार माद्यमांतल्यान लोकाचीं काळजां खुशालभरीत आनी आनंदीत कशीं उरतलीं हाची जतनाय आमी घेवपाक जाय.

कोकणी भाशेचें मूळ पीठ, म्हणजे आमचें माणकुलें गोंय मांड सांडुन भौतीक विकासाच्या मार्गार भौच वेगान धांवत आशिल्ल्याचें दिश्टी पडटा. सर्वसामान्य मनशाक मात इल्लीशी खोंप लेगीत बांदून रावपा खातीर सुवात ना जाल्ल्यान केन्ना काय गोंय सोडून वच्चें पडटलें ही चिंता सतोंवक लागल्या. आमचे लोकुच उल्ले नात जाल्यार मागीर आमची संस्कृताय कशी तिगून उरतली? लक्क दिसपी मार्गाचेर खंयचे लोक चलतले? पुलांचेर कोणाच्यो गाड्यो धावतल्यो आनी खेळामैदानाचेर खंयचे खेळगडी खेळटले?

आमचे दरेक विकास माण्णेंत उज्वल फुडाराची नदर आसपाक जाय. लोक संतुश्ट नात तर मागीर हो विकास कोणा खातीर? हाचें गांभिर्य, हाचें सिरियसनेस आमकां सगल्यांक आसपाकुच जाय. ना जाल्यार कोंकणी अस्मितायेक निर्माण जाल्लो धोको आनीकुय तठस्त जातलो आनी आमच्या रग्ता मासाच्या हे गोंयचे भूंयेर आमी शुन्य शुन्य जातले.

संवसारांत कोणुच आपली अस्मिताय नशठ जावंक दीनात कारण हातूंत आपापल्या सभ्यतेचो साद आसता. आयज आमचे गोयां आमचें वर्चस्व गाजूंक जाय आसलें. पूण परिस्थिती वेगळी दिसता. फा. स्टिफन्स आनी मोसिन्जोर दाल्गादान आमकां एक दिशा दिल्या. ताणीं आपली भास आमचेर थोपूंक ना. ते कोंकणी समाजासरीं समरस जाले आनी कोंकणी भाशेक गिरेस्तकायेच्या तेंगशेर व्हरपाक बुनियादीचे फातर ताणीं घाले. हेच ते आमचे म्हान म्हालगडे जांकां काळजान थावन आमी दिनवाजतांव.कोंकणी भाशेच्या मळार पोटतिडकीन कशें वावुरचें हाचें उधारण शणैगोंयबाबान आमकां घालून दिलें, तर कोंकणी मनशांक मायेमोगान कशे परीं एकवोटीत करुन आमच्यानीं शक्तिवंत जांवयेता हें देवनागरी आनी रोमी लिपींतल्यान आपलें लिखाण उजवाडावन डॉ. मनोहरराय सरदेसाय हाणीं 'जायात जागे' म्हूण उलो माल्लो. स्टिफन्स कोंकणी केन्द्रालागीं लागींचो संबंद आशिल्ले फा. मोरेन डिसोझा आनी तशेच आमच्या सगल्यांच्या मायेमोगाचे, गिरेस्त काळजाचे आनी मायेस्त मनाचे सर्गेस्त फा. अन्तोन पेरैरा हाणीं कोंकणी खातीर आपलें सर्वस्व दिलें म्हळ्यार अतिताय जावची ना. फा. आन्तोन पेरैरा लागीं म्हजो भौच लागचो संबंद येंवक पावलो म्हुण हांव म्हाका भागिवंत समजतां आनी ह्या म्हान कोंकणी भक्ताच्या उगडासाक

दिमी मोडून आर्गां ओंपतां.

स्टिफन्स कोंकणी केन्द्रान ल्हान मनशांक व्हड करपाच्या वावरांत इतिहास घडयला. हांव केन्द्राचे संचालक फा. प्रताप नायक आनी तांच्या वांगड्यांक अंतस्कर्णातल्यान दिनवाजतां. आनी 'इन्शाअल्लाह' केन्द्राच्या वावरांत ह्या फुडें म्हजोय सहभाग आसतलो अशी आस्त बाळगितां.

"इन्सांको चाहिए कि खयाले कजा रहे
हम क्या रहेंगे जब कि ना रसुले खुदा रहे"

आमी परत परत मतींत दोवरूंक जाय
की आमी एक दिस सोंपतले
देवाचे दूत लेगीत सर्वकाळ जगले नात
आमी खंय गा उरतले?

शेवटाक इतलेंच सांगतां की लेखकानीं लोका खातीर मायेमोगाच्या वातावरणांत सुस्कार घेवपा सारखिलो परिसर निर्माण करपाक योगदान करचें.

समेस्तांक देव बरी सांज दिंव.

28-03-2008

मोगाचीं नातीं

जेन्ना कोणूय फोनाचेर वा चिटी द्वारा म्हाका परबीं भेटयता तेन्ना **"माशाल्लाह! हांवे तुजो मोग जोडला"** हीं उत्रां म्हज्या काळजा-मनांत थावन भायर सरतात. म्हाका अत्यंत खोशी भोगता. हावें जिणेंत संपत्ती जोडचे परस नातीं जोडपाकडेन चड लक्ष दिलें. जशें जशें वय वाडटा तशें तशें हे म्हज्या ओडीचें म्हत्व म्हाका जाणवता. लोकान तूस्त करची म्हूण आमी बरे भशेन केंस उगयतात, आमी बरे न्हेसतात, कार्यावळीनीं आमची भुमीका तोखणायेची आसची म्हूण यत्न करतात आदी. पूण आमच्या कसल्याय कार्यान लोकाची भावना दुखता आसत जाल्यार ताचेर आमी दुर्लक्ष करतात. म्हण्टकूच बरें "इंप्रेशन" मारपाक जें कितें करतात तें सगळें व्यर्थ म्हळयार जाता. आमी दुसऱ्यांक समजून घेवपाचे यत्न करपाच्या वावरांत फाटीं पडटात. सांगपाचें म्हळ्यार आमच्या वागणुकेक लागून जायते खेपे आमचीं नातीं तुट्टात. अशें जांवक जायना.

भारताचे आदले राष्ट्रपती ए.पी.जे. अब्दुल कलाम हाणीं सांगिल्ले गजालीचो उगडास येता:

"हांव जेन्ना ल्हान आशिल्लों म्हजी आवय आमचे खातीर जेवण रांदताली. एक दीस म्हजी आवय जेन्ना काम करून खूब थकून आयिल्ली तेन्ना हांवें पळेलें कीं तिणें जेवच्या वेळार म्हज्या बापाय समोर इल्ली भाजी आनी साप कर्पल्ली चपाती दवल्ली. हांव पळेत रावलों. म्हज्या बापायन ती चपाती खाली आनी त्या दिसा शाळेंत म्हजो दीस कसो कितें गेलो काय म्हूण खबर घेतली. त्या दिसा हावें ताका कितें विचल्लें ताची म्हाका याद ना पूण त्या दिसा म्हजे आवयन कर्पल्ले चपाती खातीर दिलगीर व्यक्त केल्ल्याचो म्हाका उगडास आसा. आनी हांव ताणे कितें सांगलें हें केन्नाच विसरचो ना. ताणे म्हळें "प्रिये, म्हाका कर्पल्लीच रोटी

आवडटा ". त्या उपरान्त रातीं न्हिदचे आदीं हांव जेन्ना उमो दिवन बापायचो निरोप घेवपाक गेलों तेन्ना जळिल्ली रोटी खऱ्यानींच ताका आवडटा काय कितें म्हूण विचाल्लें. ताणें म्हाका घट्ट वेंगेंत धल्लें आनी सांगलें "बाळा, तुजी आवय आयज सबंद दिस काम करून खूब थकिल्ली आसा. आनी कर्पल्ली रोटी कोणाक दूख दीना. रागान तापिल्लीं उत्रां मात दुसऱ्याक दुखयतात. तू जाणा, जिणेंत अनेक अपुऱ्यो गजाली आसात आनी संपुर्ण भ्यान नाशिल्ले मनिसूय आसात हें आमी मतींत दवरचेली गरज आसा."

हांव जें कितें करतां तें सगळयां परस बरें अशें न्हंय. दुसऱ्यां भशेन हांवुय जल्मदीस आनी वर्सदीस विसरतां. आयुश्यांत हांव एक गजाल शिकलों ती म्हळयार दुसयाच्यो चूको माफ करप आनी नातीं घट करप. जे तुमचे सरीं बरे तरेन वागतात तांचेर मोग करात आनी जे ते भशेन नांत तांका हमदर्दी दाखयात."

हीं डॉ कलामाचीं उत्रां सुचयतात कीं जिणेंत मायेमोगच्या गुणाची जतनाय करप भोवच गरजेचें. आमचे मायेमोगान वागपाचे गूण संबंद समाजाक गुणेस्त करता. आकांता वेळार एका-मेकाक पावप, लग्नाच्या सुवाळया वेळार होंकल न्हवऱ्याक आशिर्वाद वा शुभेच्छा दिवपाक वचप, मर्णा वेळार अंतयात्रेंत सामील जावप वा ज्या घरांत मनीस भायर पडला त्या घराक भेट दिवप, शोक संदेश कळोवप, धर्मीक सण वा हेर तरांच्या उत्सवां वेळार एका-मेकाक परबी भेटोवप... हें सगळें भोव म्हत्वाचें जावन आसा. हाका "social obligations" म्हळ्यार सामाजीक कर्तव्य म्हणटात. नातीं घट करपाच्या नदरेन हे सामाजीक कर्तव्य पाळप भोव गरजेचे.

मनीस जेन्ना दुसऱ्याच्या भावनेची कदर करीनासताना फकत आपल्याचेंच

चिंतता तेन्ना ताची ती वृत्ती मनशा मनशा मदलीं नातीं घट करपाच्या वावराक बादक थारता. आनी अशे परीं नातीं बिगडत गेलीं कीं समाजांत खोशयेचें वातावरण घडून येवप कठीण जाता. जें रागान शक्य ना तें मोगान जाताच जाता.

एकदां गंगेच्या पवीत्र उदकांत न्हावपाक गेल्लेकडेन एका सादू मनशान कांय लोकांक एकामेचेर तापून झगडटाना पळेलें. ताणे आपल्या सादकांकडेन पळेलें आनी हांसत हांसत विचाल्लें कीं लोक अशे परीं आवाज चडोवन कित्याक उलयतात काय म्हूण. सादक विचार करपाक लागले. एकल्यान सांगलें कीं जेन्ना आमकां राग येता तेन्ना आमी तापून उलयतात. पूण एक-मेकाच्या इतल्या लागीं आसून लेगीत इतल्या मोट्या-मोठ्यान कित्याक उलोवपाक जाय काय म्हूण सादवान प्रश्न केलो. सादकांनीं आपापल्या भाशेन तरांतरांच्यो जापो दिल्यो पूण त्यो समाधानकारक थाल्ल्यो नांत. सादवान म्हळें: जेन्ना राग येता तेन्ना मनशा-मनशा मदल्या काळजांचे अंतर वाडटा. अशे परीं अंतर वाडिल्ल्यान आमी पैसावतात आनी पैस आशिल्ल्या मनशाक आयकपाक येवचें म्हूण आवाज चडोवन उलोवचें पडटा.

एखाद दोगां जेन्ना एका-मेकाच्या मोगान पडटात तेन्ना ल्हव आवाजान उलयतात. मोठ्यान उलोवपाची गरज लागना कारण दोगांयचीं दोन काळजां साप लागीं आसतात. त्या वेळार काळजा-काळजा मदीं जणुकाय अंतर नासताच म्हळयार जाता. मोग जेन्ना वाडटा तेन्ना कितें जाता? तेन्ना काळजां अधीक लागीं येतात आनी उलोवपाची सुद्धां गरज पडना. फकत एकामेका कडेन पळोवनूच एकल्याक दुसरो कितें सांगूंक सोदता तें कळटा. फुडें उलयत साद्वान सांगलें कीं उलयता आसताना जेना तुमकां तुमची बाजू माणपाक जाय तेन्ना काळजा-काळजा मदीं अंतर वाडटलें अशें करूं नाकात. नाल्यार एक दीस अंतर इतलें वाडटलें कीं मागीर थंयच्यान परतप अशक्य जातलें.

गांधीजीन म्हळां "जंय मोग आसता थंय प्राण आसता. द्वेश सगळें सत्यानाश करता". म्हणजेच मोग मनशाचे कुडीक प्राणबद्द करता. आमच्यांत जीण जगपाचो हावेस निर्माण करता. बऱ्या मनशाचो समेस्त प्राणीमात्राचेर मोग आसता. बेन्जामीन फ्रेन्कलीन सांगतात: "When you are good to others, you are best to yourself" अर्थात: जेन्ना तुमी दुसऱ्याक बरे आसतात तेन्ना तुमी स्वताक सगल्यांत चड बरे थारतात.

मोगाची भास उलोवपी मनीस रगाक माथ्यार बसपाक दिना. ल्हान-सान गजालीचेर रागान पेटून उठप हें आमच्या व्यक्तिमत्वाच्या उणेपणाचीं लक्षणां. राग म्हणजे उजवाडाच्या वाटेवेलें अरिश्ट. राग मनशाक अंधकारा वटेन व्हरता. काळखाक काळोख ना करपाक शकना. फकत उजवाड काळखाक मिटोवंक शकता. तेच परीं रागाचेर उपाय राग न्हंय. रागाचेर एकमेव उपाय म्हणजे मोग. एकल्यान राग दाखयल्यार फकत मोगान ताका थंडावन नातें राखप हें भोव म्हत्वाचें जावन आसा.. मनीस जेन्ना त्रासांत आसता तेन्ना ताका कोण केन्ना काय पावत हाची कल्पना करप कठीण.

"रिशते चाहें कितने भी बुरे हों
लेकिन उन्हें कभी ना तोडना
पानी चाहें कितनाभी गंदा हो
प्यास नहीं तो आग तो बुझा ही देता है."

मतींत दवरपाची गजाल म्हणजे एकामेकाचेर मोग करपी लोक काळजाची भास समजतात. काळजाच्या भाशे द्वारा नातीं जोडपाचे वा नातीं घट करपाचे प्रक्रियेक गती मेळटा आनी मनशाक दिस-रात चिंतेस्त दवरपी एकसूरपण ना जाता. मोगानूच खोशयेंचें वातावरण नंदता आनी खुशालभरीत जीण जागपाक अप्रूप संद प्राप्त जाता. जेन्ना आमी मोगाचे वाटेवेल्यान सरकतात तेन्ना परत केन्ना काय हे वाटेर पावलां पडटलीं हाची आमकां काळजी आसपाक जाय.

सायबा भोगोस

आयज आमचें राष्ट्र उदरगतेच्या तेंगशेर पाविल्ल्याचो आमकां अभिमान दिसता. अनेक वाठारानीं दोळ्यंत भरपा सारखी उदरगत जाल्ली नदरेक येता. आयज आमचे लागीं पर्माणू शक्त आसा आनी विकसीत देशां बरोबर आमचें उठप बसप जाता हाचो आमकां अभिमान दिसता. पूण एका म्हत्वाच्या गजालीचेर आमी विसर घालतात. आमी मतींत दवरचेली गरज आसा कीं देशाचो विकास म्हणजे देशांतल्या दरेक नागरीकाचो सर्वांगीण विकास. प्रत्येक नागरीकाच्या राहणीमानान बऱ्याचो बदल घडून येवपाक जाय.भौच व्हडा प्रमाणान आमचो लोक दुर्बळ उल्यात हाचेर आमचें लक्ष आसपाक जाय. आमच्या देशांत सर्गाक हात तेकोवपी ईमारती आसात तर सगल्याक हात फुडें करून भिक मागपी संवंगां कित्याक? रावपा खातीर इल्लेंशें छप्पर आनी पोट भरपा खातीर नोकरी मेळोवपाचो तांचो संविधानीक हक्क कोणें काडून घेतला? शिक्षण वाडलें जाल्यार शिक्षणाचो दरजो साप सकल कित्याक? हिस्पा भायर म्हारगाय लोकांक कित्याक सतांवक लागल्या? भौतेक दर दिसा दुर्बळांचेर अत्याचार आनी बलातकाराच्यो खबरो आयकपाक मेळटात तें कितें दाखोवन दिता? आमचीं मुळावीं मुल्यां कित्याक घसरपाक लागल्यांत? नावाजते कोंकणी कवी मनोहररायांल्या उत्रांचो उगडास आयल्या बगर रावना.

गिरेस्तालो भुरगो म्हण्टा
भूक लागना वखद दी,
गरिबालो भुरगो म्हण्टा
भूक लागल्या वीख दी!

आमच्या येद्या व्हडल्या देशांत झंय खूब खूब अन्न पिकता थंय जेवपाक दोन गोठे प्राप्त करपाची कुवत ना म्हूण शेतकार आत्म हत्त्या करतात तें

कितें सिद्ध करता? "There is everything to meet everyone's need; But there is nothing to meet everyone's greed" - अशीएक म्हण आसा. आमचे लागीं सगलें आसुनूय आमचेसरीं कांयच ना अशें जालां. कारण कांय मोजके मनीस जे आमकां खेळयतात तांगेल्या हावरेपणाक शीम मेर ना जाल्या. ते लोकाक फसयतात, ते दिशाभूल करतात, ते नाडटात आनी दुर्भाग्यान आमी तांकां नाडपाक दितात.

सायबा भोगोस आमची दिशा चुकल्या. बऱ्या काळजिवंत मनशांक कुशीक दोवरून धर्म आनी जातीच्या नावान फटकिरे मनीस लोकाच्या भावने बरोबर खेळटात. कांयजण पैशे दिवन तांकां विकते घेतात.हाल्लीं लोकप्रतिनिधींक विकते घेवन उद्योगपती आमचेर राज्य चलोवपाक लागल्यात. हे उद्योगपती भायल्या देसांतल्यान आयिल्ले राष्ट्रघातकूय आसूंक शकतात. खंयच्यानूय दुडू मेळले की हे आमी निवडून दिल्ले मनीस आपलें शेपूट घुंवडायतात म्हूण आमच्या सगल्यांच्या नजरेक आयलां. हाका लागून लोकाचो लोकशायेवेलो विश्वास नां सो जावपाक लागला. पूण सर्वसामान्य मनीस करतलो तरी कितें? आदीं आमकां हुकूमशायेन सतयलें. आतां लोकशायेंत खुशालकायेचे गोंट चोखपाक मेळपाक जाय आसले.

आपलो गांव आनी आपल्या देशा प्रती लागण नाशिल्ले उद्योगपती आनी स्वार्थाक बळी पडिल्ले फुडारी आमगेल्या नागरीकांक बादक अशीं कामां करपाक फाटीं राव नात. ते आमची नैसर्गीक संपत्ती विकपाक लागल्यात. ताणीं आमच्या फुडले पिळगेक आकांताची परिस्थिती निर्माण करून दवरल्या. तांगेल्या पाड वृत्ते आड शक्ती निर्माण करचेली चड आनी चड गरज आसा. ना जाल्यार फुडाराक आमकां विकृत मानसिकतेच्या हुकमशायेचे गुलाम जावन रावचे पडटले.

•••

दिसपट्टे जिणेंतले चमत्कार

जेन्ना कसलीय गजाल अपेक्षा करी नासताना घडून येता तेन्ना चमत्कार जाल्ले परीं दिसता. अशें जिवितांत जायते खेपे खूब जणानीं अणभवलां आसतलें. हाका "सिक्स्त सेन्स"-आ चो प्रभाव म्हणया वा आत्म मंथनाची उर्जा वा आनी कसलेंय कारण आसुंये पूण अशें अजाप दिसल्या सारकेल्यो गजाली घडटात. म्हाका २५-३० पिरायेचेर परत परत थंडी जाताली. अनेक दोतोरां कडल्यान तपासून घेतलें, तरे तरेचीं वखदां घेतलीं पूण उपेग जालो ना. मागीर, ना इलाज म्हूण, थंडेचें कारण सोदून काडपाक आनी ताचेर उपाय कितेंकाय आसा तें पळोवपाक हांव हीं तीं पुस्तकां वाचूंक लागलों. हाचेर उपाय सोदपाक होमियोपती, आयुर्वेद, युनानी, सिद्धी उपचार पद्धती आदी पुस्तकां हांव वाचपाक लागलों. त्या वेळार इंटरनेट नाशिल्लो. आनी वास्को वाठारांत लायब्रेरींतूय हीं पुस्तकां उपलब्द नासलीं. म्हण्टकूच तीं विकतींच घेवन वाच्चीं पडटालीं. खरें म्हळ्यार "मातेरिया मेदिका" "रिपरेटरी ऑन मातेरिया मेदिका" असलीं हीं दाट पुस्तकां विकतीं घेवन वाचपाचीं नासतात. "रिफरन्स बूक" म्हूण तीं वाचनालयांतूच उपलब्द आसपाक जाय. बरें, ते विशींचें ज्ञान प्रप्त केलेंच म्हूण जायना. उपचार सुचयिल्लीं वखदां बाजारांत मेळपाक जाय. त्या वेळा, म्हणजे १९७५ च्या सुमाराक गोयां होमियोपथीचीं वखदां मेळच नासलीं. कांय खासगी दोतोर आपलेकडेन आशिल्लीं पिल्लां दिताले इतलेंच.

मदींच म्हाका दिल्ली वचपाची संधी मेळ्ळी. हावें बरें व्हड लिस्ट तयार केलें आनी दिल्ली गेल्ले कडेन कितलींचशी होमियोपथी वखदां विकतीं घेतलीं. हे वैजकी शास्त्राचें सारखें ज्ञान नाशिल्ल्यान वखदांची कितली

"पोटेन्सी" वा कितली मात्रा आसपाक जाय तें खबर नासलें. तरी कशेय भशेन कमीच कमी 'पोटेन्सी' चीं पिल्लां हावें घेतलीं. गोंयां परतल्या उप्रान्त उपचार सुरू केलो पूण फायदो जाता सो दिसलो ना. हावें म्हजो पुस्तकी अभ्यास चालूच दवल्लो. म्हण्टा म्हणसर म्हजे मामाली ९-१० वर्साची चली शाळेच्या सुटयेंत दोन-तीन दिस आमगेर रावपाक आयलें. ताकय थेंडेची पिडा बादिल्ली. तेंय थंडेचेच पिडेक लागून त्रास भोगतालें. खूब तेंप नाकांतल्यान थांब नासताना हळडुळेंशें भेंब्रं देवतालें. आवय-बापूय बेजार जाल्ले. ह्या वखदांक 'सायड इफेक्ट' ना अशें म्हणटाले देखून एका प्रकारचीं पिल्लां हावें ताका दिलीं. अजाप म्हणजे दुसऱ्याच दिसा ताच्या नाकांतल्यान येवपी भेंब्रं थांबलें. नाक स्वच्छ साफ दिसपाक लागलें. दुयेंस ना नपैत जालें. जेन्ना तिसऱ्या दिसा तें आपल्या घरा परत गेलें तेन्ना आवयबापायक चलयेचें नाक साफ पळोवन आश्चर्य जालें. हे गजालीक लागीं-लागीं ४० वर्सां जालीं. अजुनूय केन्ना केन्ना तीं ताची याद काडटात आनी कसलें तें अजापाचें वखद काय म्हूण विचारतात. तांकां तो एक याद उरपा सारखो चमत्कारूच न्हंय?

फुडें म्हजें शोध कार्य चालूच आसलें. कारण म्हजी थंडी जश्याच तशी आसली. मदींच पणजे एका हॉटेला लागसार थंडेचेर उपाय सुचोवपी एक पुस्तक नदरेक आयलें. तेंय हांवे विक्तें घेतलें. लिनस पावलींग नावाच्या एका वैज्ञानीकान तें पुस्तक बरयिल्लें. आपल्या पुस्तकांत ते म्हणटात कीं थंडेचेर एकमेव उपाय म्हणजे विटामीन सी. बाजारांत मेळटात तीं हेर सगळीं वखदां फकत पैशे करपा खातीर आसात अशें तांचें म्हण्णे. हावें पुराय पुस्तक वाचून काडलें.तांचे विचार मनाक पट सारखे आसले. म्हयनो भर दिसाक १०००-१५०० मिलीग्रम विटामिन सी च्यो गुळयो गळया सकल देंवयल्यो. अपेक्षाभंग! थंडी गेलीच ना.

पर्थून एक फावट दिल्ली वचपाचो योग आयलो. संघ लोक सेवा आयोगान

म्हाका "इंटरव्हिव कॉल" धाडिल्लें. रेडियोचेर कार्यक्रम अधिकारीच्या हुद्दयार नियुक्ती करपा खातीर तोंडी परिक्षा घेवपाक आमंत्रीत केल्लें. परिक्षा घेवपाक आयोगाचे अध्यक्ष धरून ५ मानेस्त बशिल्ले आसले. एकेकल्यान प्रस्न विचारपाक सुरू केले. सगले प्रस्न 'जनरल नॉलेजचेर'. तांगेल्या प्रस्नांचो महाविद्यालयांतल्या शिक्षणा कडेन कांयच संबंद नासलो. हांव एम. एस. सी. पास आसलों. म्हणजेच विज्ञान विशयांत "पोस्ट ग्रेज्युयेट". बऱ्याचशा प्रस्नाची उत्तरां समाधानकारक दिल्ल्याचें म्हाका दिस्पाक लागलें. शेवटाक विज्ञान विशयांतल्या म्हालगड्यान म्हाका प्रस्न केलो. "ज्या सायन्टिस्टाक दोन खेपे नोबेल पुरस्कार मेळला ताचें नांव कितें?" सट्ट करून हावें म्हळें "लिनस पावलींग". "वेरी गूड" ताणें म्हळें; आनी हांव सिलेक्ट जालों.

खरें म्हळ्यार हावें जर पणजे हॉटेला कुशीक जमनीर विकपाक दवरिल्लें तें पुस्तक घेवंक नाशिल्लें जाल्यार लिनस पाउलींगाक "केमेस्ट्री" आनी "पीस" (peace) ह्या मळांचेर एकूण दोन खेपे नोबेल प्रायज मेळल्यात हाची म्हाका जाण मेळप कठीण आसलें. त्या पुस्तकाच्या फाटले कव्हर पेजीचेर तांचे विशीची ही माहिती छापिल्ली आसली. थंडी जरी गेली ना तरी गरमा गरम जाप दोवपाचो लाव म्हाका मेळिल्लो. त्या वेळार तें तशें घडून येवप हें अजापूच न्हय?

ह्या वेळार आनीक एक म्हतवाचो प्रस्न म्हाका केल्लो.
"तू कवी, म्हणकच खंयच्याच कवीचो अभ्यास तुवें केला?"
हावें म्हळें "हय. डॉ मनोहरराय सरदेसाय".
"कोकणी सोडून हेर भासांतल्या खंयच्या कवी विशीं अधीक माहिती आसा तें सांग."
हावें सांगलें "उर्दु भाशेंतले कवी डा इक्बाल"
"ताची खंयची कविता तू जाणां?"
हावें म्हळें "सारे जहांसे अच्छा हिन्दुस्थां हमारा"

"ओह! हे सगळेच जाणांत, आनी खंयचीय कविता?"
हावें उगडास केलो आनी म्हळें:
" लब पे आती है दुवा बन के तमन्ना मेरी,
झिंदगी शम्माकी सूरत हो खुदाया मेरी"
मागीर एक बरोच ट्रिक्की प्रस्न म्हजे मुखार दवल्लो
"भारताचे जेन्ना दोन वाटे जाले तेन्ना कवी इक्बाल पाकिस्तानांत गेले काय हिन्दुस्तानांत ."

खरें म्हळ्यार ताका ह्याच प्रस्नाची सारकी जाप जाय आसली. ह्या वेळार म्हाका देव पाविल्लो. हावें अभ्यास म्हूण न्हंय तर ह्या नावाजत्या कवी विशीं थोडी भोव माहिती मेळयिल्ली. तांगेल्या उर्दु काव्यांत फार्सी शब्द चड येतात आनी ते म्हाका कठीण लागतात म्हूण तांच्यो चडश्यो कविता हावें वाचूंक नाशिल्ल्यो. तांगेलें "Reconstruction of Religious thoughts in Islam" हें पुस्तक हावें वाचून काडिल्लें.

एका सेकन्दा भितर हावें म्हाका विचारिल्ल्या प्रस्नाची जाप दिली. चडशा जणांक हें खबर ना. तुमीं जाणांत? भारताक स्वातंत्र्य मेळचे आदींच कवी ईकबाल संवसाराक अंतरिल्ले.

• • •

आमी कित्याक घसरतात

एक बरो अधिकारी जातलो जाल्यार कसल्या गजालींचेर लक्ष दिवपाक जाय? "सिन्सियारिटी" म्हणजे प्रामाणीकपण! सटक करून म्हज्या प्रश्नाक जाप मेळ्ळी. एकाच उत्राचे हे जापेन ताणे म्हज्या मनाचेर आपलो छाप सोडिल्लो. हें उतर खूब वेळ मेरेन म्हज्या ध्यानामनांत घोळत रावलें.

मनीस जरी कितलोय सक्शम आसलो जाल्यर तो आपल्या कामांत कांय प्रमाणांत काम्पीटन्ट जायत पूण बरो असो न्हंय. अधिकारी ह्या नात्यान ताका कांय अधिकार मेळिल्ले आसतात, कांय ठळक अश्यो जवाबदारी आसतात, त्या भायर, आनी अधीक म्हत्वाचें म्हळ्यार समाजाचो एक म्हत्वाचो घटक ह्या नात्यान सामाजीक जवाबदरो आसतात. आपल्या अधिकाराचो दूरूपयोग न करपाक आनी आपल्यो जवाबदारो मनशाचें आनी समाजाचें हीत नदरेंत दोवरून पाळपाक प्रामाणीकपण मनशाक उपाट शक्त उपलब्द करून दिता. आपूण एक प्रामाणीक मनीस म्हूण जो आपल्या प्रतीमेची बांधावळ करता ताका सगले दिकेन आधार मेळटा. आपल्या अंतरमनाच्या बळान तो आपल्यांत दैवीक शक्त रिगयता आनी ताच्या वावराक पावला पावलार लोका कडसून प्रतिसाद मेळटा.

कसल्याय कामांत जैत मेळोवपाक आपल्या कामा प्रती निश्ठा, काम तडीक लावपाची जिद्द, आपल्या विशयांत जाता तितकें चड ज्ञान प्राप्त करप हें सगलें भोव म्हत्वाचें. फकत आपल्या कामाच्या हेतू प्रती प्रामाणीक आशिल्ल्या मनशाक हें सगलें प्राप्त करपाक शक्य जाता. आपले विचार आनी कार्याची सांगड घालताना तो मानवीय कल्याणाची नोंद घेतल्या बगर रावना. "न ही कल्याण कृत्कश्चीत, दूरगती ताथ

गच्छीते" जो हेरांच्या कल्याणाची काळजी करता ताची केन्नाच दूरगती जायना. नकळतां ताची उदरगतूच जांवक लागता. पवीत्र कुरानाचो उल्लेक करून ईमाम इब्ने हज्म म्हण्टात:"Sincerity is the essence of worship" प्रामाणीकपण आनी आचरणाचो संबंद म्हणजे आत्मो आनी कुडीच्या संबंदा भशेन. पूण्य जोडपाचें मूळ साधन म्हळ्यार प्रामाणीकपण.

भौशीक मळार वावुरपी ईमारत वा पूल बांदपी जर प्रामाणीक नासत जाल्यार क्षणभर लोकाक लकलकाट पळोवन आनंद मेळटलो पूण चड वेळ न तिगपी बांदावळ मोडटली आनी लोकाक घातक थारतली. दुयेंत मनशाक वखद दिवपी प्रामाणीक नासत जाल्यार खर परिणामकारक वखदान मनीस रोखडोच बरो जातलो पूण ताच्या दूशपरिणामान आयुश्यभर रडटलो. सामाजीक आनी राजनितीक मळार वावुरपी मनीस प्रामाणीक नासत जाल्यार साबार इन्सटिट्युशनां वा संस्थो पाड जातल्यो आनी सर्वांगीण विकासाचीं साधनां कोसळटलीं.

संवसारांत जर कांयच उपलब्द करपाक जर शक्य ना आनी फकत प्रामाणीकपणाची जोड जोडली जाल्यार तुमी संवसार जिखतले अशें एका विचारवंतान सांगलां तें फट न्हंय. म्हणजेच प्रामाणीक मनशाक लोकाक आपलेसरीं ओडुन घेवपाची शक्ती प्राप्त जाता. आमच्या देशाचे रश्ट्रपिता म्हात्मा गांधी म्हणटात:

"the moment there is suspicion about a person's motives, everything he does get tained."

म्हळ्यार मनशाचो हेतु मात्सोय दुबावी दिसलो जाल्यार ताच्या प्रत्येक कार्याक कलंक लागता. गांधीजींक तांच्या प्रामाणीक गुणांक लागून तांच्या बापायकडसून आशिर्वाद मेळिल्लो. तरूण पिरायेचे आसताना एका इश्टान तांचेकडेन पैशांची मदत मागली. सुरवेक आपल्याकडेन दुडु नात अशें गांधीजीन सांगलें पूण दुसऱ्याच खीणाक ताणीं सांगलें कि

जमता जाल्यार पळयतां. मागीर ताणीं आपल्याच भावाची भांगराची एक वस्त चोरली आनी ती विकली. पूण ही कर्णी ताच्यान सोसूंनजो जाली. हो अहवाल दिवन ताणीं आपल्या बापायक एक नोट बरोवन धाडलो. बापुय दुयेंत आसलो आनी हात्रुणार न्हिदिल्लो. नोट पळयतांच तो उठलो आनी तो वाचलो. गांधीजी भियेले. ताका आपल्याका तापोवणी पडटली अशें दिशिल्लें. पूण बापायचे दोळे भरून आयिल्लें. आपूण आपल्या खासा भावाचें भांगर चोरलां म्हुण बापयक खूब दुख जालां अशें समजून गांधीजीन म्हळे: हांव हाचे फुडें केनाच चोरी करचो ना. ही म्हजी पयली आनी निमाणी चोरी. बापायच्या दोळ्यांतल्यान दुकां गळलीं. ना पूता, ताणीं म्हळें. तुवें चोरी केली म्हूण हांव रडना. पूण तुजे प्रामाणीकपणाक लागून म्हजे दोळे भरून आयले. तू सदांच सत्य उलोवपी. हावें केन्नाच तुज्या असलो प्रामाणीक मनीस पळोंवक ना. म्हाका गर्व जाला. म्हाका तुजो अभिमान दिसता.

उप्रान्त गांधीजीन आपलें प्रामाणीकपण सगल्या जगाक सिद्ध करून दाखयलें. सत्य आनी अहिंसेचीं शांतीप्रदान शस्त्रां घेवन पावला पावलार ताणीं जैत जोडलें. स्वातंत्र्य मोहीमेंत आंखिल्ल्या सत्याग्रहांत भैसाचो तांका हिस्पाभायर तेंको मेळलो. तांच्या एका उल्याक जाप दिवन सबंद भारतभर घरा-घरांत चरखे चलपाक लागले. ताच्या कट्टर विरोध्यांकय तांच्या प्रामाणीकपणाविशीं इल्लोय दुबाव नासलो. ब्रिटीश साम्रज्याची लश्करी शक्त इतली पावरफुल आसली कि ताचेर पारंपरीक शस्त्रानीं जैत जोडप अशक्य आसलें. पूण गांधीजीच्या फुडारपणाखाल सत्य आनी अहिंसेच्या तत्वगिन्यनान संसाराक चमत्कार करून दाखयलो.

कांयजण ल्हानपणापासून सभावानूच प्रामाणीक आसतात. पूण जे नांत ताणीं दुख्खी जावपाची गरज ना. जांकां खऱ्यानींच प्रामाणीक जायन दिसता तांकां ईश्वरीय शक्तेची सदांच मदत मेळटा.

गांधीजीचे अध्यात्मीक मळावेले प्रमुख शिश्य विनोबाभावेन भूदान मोहीमेंत जें जैत जोडलें ताची कल्पना लेगीत करुंनजो. निस्वार्थी आनी निश्पक्षपणांत लोकाच्या सेवेक आपलें योगदान दिवपी ह्या म्हान फुडाऱ्याच्या आंगापांगांत प्रामानणीकपण परजळटालें. देखून लोकाक ते अती आकर्शीत थारले. तांच्या उल्याक भारताच्या कोणशाकोणशांतल्यान जाप मेळ्ळी आनी व्हडा संखेन मुखार येवन जमिन्दारानीं एकडानी आपली जमीन लोकसेवे खातीर दान केली. लेन्ड रिफार्मसच्या मळार विनोबाजीन इतिहासीक म्हत्वाचें अशें उधारण घालून दवल्लें.

•••

बरो मनीस, वायट मनीस

संवसाराच्या सगल्या धर्म ग्रंथानीं आमकां दाखोवन दिलां कीं झंय देव आसता थंय सैतान आसता. आमच्यांतली दैवीक शक्ती आमकां बऱ्या कृतींची ओड लायता आनी सैतान शक्त नीट मार्गार अरिश्ट जावन उप्रासता. सैतान आमकां वायट कृतीं सरीं ओडटा. कशेय भाशेन मनशाचो नाश करप हेंच सैतानचें धेय आसता. मनशाचो नाश म्हणजे समाजाचो सत्यानाश जावप. जाका जाका आपल्या आंगांतल्या सैतान शक्तीचेर जैत जोडपाक शक्य जाता तोच संवसारांत व्हडपण जोडूंक शकता. असलोच मनीस सगल्यांच्या तोखणायेक पात्र थारता आनी असलोच मनीस सगले वटियां आदर-मान जोडटा.

धर्म आमकां आमच्यांतली पशुवृत्ती सांडपाक सांगता आनी मनिसपणाची वाट दाखयता. धर्म आमकां दैवीक उंचाय जोडपाक शिकयता. बरो मनीस जावपाक अमक्याच जाती धर्माच्या कुटूंबांत जल्म घेवपाक जाय अशें ना. वा अमक्याच गावांत ताचें पोशण जावपाक जाय अशें ना. म्हण्टकूच आपल्याच समुदायेचो मनीस बरो आनी हेर वायट अशी कल्पना लेगीत करप चुकीचें. अशें केल्यार फक्त समाजूच न्हंय तर सबंद मनिसजातीचेर अन्याय जाता आनी अत्याचारी कृतींक बळ मेळटा.

एकदां वायट कर्मांक बळी पडले कीं मागीर आयुश्यभर सैतान सतयत रावता. ल्हव ल्हव करून मानसीक संतुलन बिगडपाक लागता आनी चारूय वाटेन मनशाक आपूण तुफानाक सापडिल्ले परीं दिसपाक लागता. अशी परिस्थिती येवपाक दिवंनये. कारण असल्या परिस्थितींतल्यान भायर सरप कठीण. अश्या वेळार पयस खंय तरी

वचून सुसेग घेतलो म्हूण चिंतल्यार लेगीत फायदो जायना. कारण कितल्याय अंतराचेर पावलो म्हूण सैतान थंय हाजीर जाताच.

मुळांत आपल्या आंगांतल्या बऱ्या शक्तीचेर वायट शक्तेक जैत जोडूंक दिवप हेंच चुकिचें. अशें म्हणटात कीं आमच्यांत बऱ्या परस वायट विचारांकडेन ओडपी शक्तींची संख्या चड आसाता. मतींत दवरचेली गरज आसा कीं पांडवांची संख्या जरी उणी आसली तरी पांडवशक्तीक मेळिल्लें जैत आमकां बऱ्या वायटा ची जाणवीक दिता. सत्यमार्गाकूच सदां जैत मेळटा. सत्मार्ग आमकां आमचेर नियंत्रण दवरपाक शिकयता. सत्मार्ग आमकां ईश्वरशक्ती सरीं एकजीव करता. आपल्याक आनी हेरांक बरें जिवीत जगपाक मेळचें देखून आमी सदां बऱ्या वातावरणाच्या सोदांत आसपाक जाय. सगल्याक बरें वातावरण घडोवन हाडपाचे प्रयत्न चालूच दवरपाक जाय. निमाणें फकत घर आनी कुटूंब न्हंय तर सामाजीक वातावरण मनशाक घडयता. वायट वातावरणाक सापडलो कीं मनशाच्या प्रवृत्तीचेर आघात जावपाक लागतात. सबंद राष्ट्राक हालोवन उडोवपी "अभयाची" गजाल अजून आमच्या ध्याना मनांतल्यान वचना. आपल्या रूचींचेर, आपल्या पशुवृत्तींचेर नियंत्रण दवरपाची तांक नाशिल्ल्यान कांय तरनाटे हो अत्याचार करपाक पावले. पूण हाचे वेल्यान जागृत जावन असल्यो गजाली थांबपाक जाय आशिल्ल्यो. तशें जाल्लें नदरेक येयना. भ्रश्ट मानसीकतायेंतल्यान मुक्ती मेळप कठीण जालां. सुर्वे पासून असल्या मानसिकताये पासून पैस रावपाचेर आमचें लक्ष आसपाक जाय. आमी आमकां असल्या वातावरणाचे गुलाम जावपाक दिवंक जायना. आमी आमकां पाड वृत्तीचे शिकार जावपाक दिवंक जायना.

सांस्कृतीक आनी सामाजीक वावर आमकां सकारात्मक कार्यांत मग्न दवरता. ह्यो कार्यावळी जिवीताक अर्थपूर्ण रूप दिवपाक मदत करतात.

आमकां पशुवत्ती पासून पैस दवरतात. पूण हांगाय म्हूण मर्यादा आसताच. सांस्कृतीक मळाचेर पोजडेपण येवचें ना हाची दखल घेवचेली गरज आसा. कारण झंय देव आसा थंय सैतान पावपाचो यत्न करताच. सैतान म्हणजे नकारात्मक वृत्ती, सैतान म्हणजे विकृती. सैतान म्हणजे विश्वास घात. स्वताचो आत्मघात आनी समाजाचो सत्यानाश करपाची पाळी येंवकूच दिवपाक जायना. जिवीताचें व्हडें सकारात्मक दिशेनूच व्हरपाक जाय. कोणें तरी सारकें म्हणलां: "An entire sea of water can't sink a ship unless it gets inside the ship. Similarly negastivity of the world cant put you down unless you allow it to get inside you." अर्थात: सम्दीरांत कितलेंय उदक आसलें म्हूण जो मेरेन तें व्हडयांत भितर सरना तो मेरेन व्हडें बुडूंक शकना. जो मेरेन आमी नकारात्मक विचार आमच्या भितर घुसपाक दिवचे नांत तो मेरेन आमचेर वायट शक्ती हुकूम चलोंवक शकची ना.

गीतेंत सुचयलां कीं जीण संगीतमय करची, जीण गोड आनी मोगाळ करची, जीण सुंदर सोबीत करची. म्हाका सांगपाक अभिमान दिसता कीं जाता ते परीं हावें म्हज्या जिवीतांत बरे गुणधर्म आपणावपाचो यत्न केलो. हाका लागून ल्हानपणांत हावें म्हज्या शिक्षकांचो मोग जोडलो. हांव तांच्या अपुर्बायेक पात्र थारलों. शाळा-कॉलेजींत लागीं-लागीं सगळेच म्हजे शिक्षक हिंदु वा क्रिस्तांव आसले. म्हजे शेजारी-पाजारी आनी इश्ट वांगडीय चड करून हिंदु किंवा क्रिस्चन. पूण धर्माक लागून तांचो मोग जोडपाक केन्नाच आडामेळ आयली ना. पावला पावलार म्हाका फुडें वचपाची प्रेरणा मेळ्ळी. समेस्तांच्या प्रोत्साहनेच्या पालवान हांव चलत रावलों आनी गोंय राज्य सांस्कृतीक पुरस्कार जोडपाची पात्रताय मेळयली.

• • •

भ्रश्टाचार मूक्त समाज, सुसंस्कृत समाज

भ्रश्टाचाराचे किडीन आयज आमच्या मानसिकतायेचेर इतली घट्ट बचक मारल्या कीं तिका मुळांतल्यान हुमटून काडप हें सोपें काम न्हंय आयज मनशाचो मनशाचेर विश्वास ना सो जायत गेला. सगलेच फटींग अशें मानून चलपाची आमचेर पाळी आयल्या. फटींगपण आपणायल्या शिवाय जिवीताचो मार्ग चलप कठीण आनी भ्रश्टाचाराबगर जीणेंत जैत जोडप अशक्य अशें दिसपाक लागलां. आयज भौच व्हडा प्रमाणांत आमी आमची नैतिकताय भ्रश्ट जावपाक दिवपाचें पाप करपाक लागल्यात. भ्रशटाचार म्हण्लार नैतिकतायेचेर काळो धब्बो जाका लागून मनशाच्या मोलाची मात्तुय कदर जायना हें पावला कणकणी दिसून येता.

भ्रश्टाचाराच्यो अनेक व्याख्या आसात. सहसा भ्रश्टाचार म्हणजे स्वताच्या फायद्या खातीर सरकारी अधीकाऱ्यान आपल्या अधीकाराचो दुरुप्योग करप अशें लोक मानतात. सरकारी कचेरींत लांच घेवन कामां तडीक लावप म्हण्लार भ्रश्टाचार आनी हाका लागून लोकाक, चड करुन "आम आदमी" म्हण्टात ताका, कठीण परिस्थितीक तोंड दिवचें पड्टा अशी एक कल्पना आसा. आपल्या कसल्याय फायद्या खातीर आडमार्ग आपणावप म्हणजेच भ्रश्टाचार आनी हाकाच लागून सगल्या समाजाची दुर्दशा जाता हें दरेकल्यान समजून घेवचेली गरज आसा.

न्यायालयांत फटीची साक्षी दिवप म्हणजे भ्रश्टाचार. हो "क्रिमनल जस्टीस सिस्टम"-आक लागु जावपी भ्रश्टाचर म्हणुंयेता. हाका लागून निदोश मनशाक फांसीची शिक्षा जावंयेता. हातूंत सार्वजनीक मळार वावुरपी सरकारी कर्मचारी नासता. एक सर्वसामान्य मनशा कडसून हें पाप घडटा. एखाद राजकीय पक्ष जेन्ना बनावटी मतांचो आधार घेवन सत्तेर

येता ताका आमच्यानी राजनितीक मळावेलो भ्रश्टाचार म्हणुंयेता. खेळा मळार "कोच" जेन्ना खेळगड्यांक बंदी आशिल्ले पदार्थ दिवन तांची कार्यशक्त वाढयता आनी आपूण नांव जोडूंक पळेता तो खेळामळावेलो भ्रश्ट वेव्हार. दोतोरान गरज नासताना "सिजेरीयन" शस्त्रक्रिया करून भुरगयाक जल्माक हाडप हाका भ्रश्ट बुद्धी न्हंय तर आनी कितें म्हणटले? सरकारी वाहानांचो वा खंयच्याय सामाजीक संस्थेच्या गाडयेचो उपेग खाजगी कामा खातीर करप हाका लेगीत भ्रश्टाचार न्हंय तर आनी कितें म्हणटले? ह्या उधारणांनीं लांच घेवपाचो वा दिवपाचो प्रस्न येना तरी समाजाक घातक अशे भ्रश्टाचाराचे हे कांय नमुने जावन आसात. नकली "विडयो सि डी" निर्माण करप, नकली वखदां तयार करप, दुधांत धवो पावडर घालून ताची दाटाय वाढोवप, दाळींत बारीक फातर घालून वजन वाढोवप, त्या भायर फुलां सारकिल्या ल्हानसान भुरग्यांक मात्सीय दया दाखय नासताना "मीड डे मिल" येवजणे खाला भेळशील्ली आरोग्याक बादक अशी भाजी दिवप असले भयंकर प्रक्रण आमच्या सामकार आयल्यात. ह्यो सगल्यो भ्रश्ट वृत्तीच्यो कृती. म्हणटकच भ्रश्टाचार आमकां सगल्यांक समान बादता मूं?

खरें म्हळ्यार भ्रश्टाचारचें मूळ आमच्या हावऱ्या वृत्तींत आसा. "मनशाची गरज भागोंवयेता तशी भरपूर संपत आमचे लागीं आसा पूण मनशाचे हावरेपणाक तोंड दिवपी अशी गिरेस्तकाय कांयच ना" अशें एका तत्वगिन्यानी मनशान म्हणलां तें फट न्हंय. पवीत्र कुराणांत सांठेबाजी करतल्यांक म्हारेकार ख्यास्त फरमायल्या.

सुखदुखाचो अणभव घेवप आनी आपलेकडसुन जें तुस्तभरीत काम जावंयेता ताचें ध्यान करप हाचे परस चड समाधानकारक जीण जावंकुच शकना. भ्रश्टाचारमुक्त मानसीकताय मनशांत जी शक्त रिगून हाडटा ती मनशाक जैताच्या तेंगशेर पावयता म्हणल्यार अतीताय जावची ना. कारण

आपलो पुरूशार्थ ताणे पावणेर काडिल्लो नासता. पावला पावलार तो खोशालकायेच्या वाऱ्यार झेलपाक लागता. कारण ताच्या कुसियेंसांत कसलोच "गिल्ट" नासता. हे रहस्याची जाण सर विश्वेसरय्या हांका आसली. मैसुरांत आशिल्ल्या प्रसिद्ध "ब्रिंदावन गार्डन" आनी "कृशणराज सागर डॅम" चे ते शिल्पकार जावन आसात. दोळ्यांत भरपा सारकेलो वावर तांचे कडल्यान जावंक पावलो कारण निवळ चारित्र्याची दवलत ते जोडूंक पाविल्ले. अशें म्हण्टात कीं आपल्या खाजगी कामा खातीर जेन्ना ते सरकारी पेन वापरताले तेन्ना तातूंत आशिल्लें तींत (ईंक) काडटाले आनी आपल्या खाजगी बाटलेंतली श्याय घालून बरयताले. पुराय रुपान भ्रश्टाचारमुक्त रावन आपल्या वावरांत संपूर्ण जैत मेळोवपाक तांकां आगळी वेगळी शक्त प्राप्त जाताली. ते खुशालभरीत जीण जगले आनी आयज लोक तांचें गूणगान गायतात.

भ्रश्टाचार निर्मुलनाचे अनेक प्रयोग जाले आनी आतांय तशे यत्न जायत आसात. "Common Cause", "Transparency International" ह्यो जागतीक संस्था भ्रश्टाचारा विरुद्ध तळमळीन वावुरतात आनी अनेक उपाय सुचयतात. हे संस्थेंच्यो भारतीय शाखा आसात जाचे कोणुच्यानुय वांगडी जांवयेता. भ्रश्टाचार नदरेक आयल्यार ताचेर ताबडतोप उजवाड घालप हो सगल्यांत चड परिणामकारक उपाय जावन आसा अशें ते सुचयतात. समान विचारसरणीच्या इश्ट मित्रानी "इंटेग्रिटी सर्कल्स" घडोवन हाडप आनी जागृताय निर्माण करप अश्यो कार्यावळी कांय देशानी कार्यरथ आसात. सेवानिवृत्त जल्ल्या मन्शानीं **"Right to Information"** कायद्या खला सरकारी पातळीचेर व्हडा प्रमाणांत जावपी भ्रश्टाचाराक उक्ताळा हाडून सकारात्मक भुमिका निभोवंयेता. सिंगापुर सारकेल्या देशांत भ्रश्टाचारा आड कडक कायदे तयार केल्ले आसात. भारतांत असल्या कायद्यांची गरज आसा अशें कित्येक लोकांचें मत आसा. Kohlberg's theory of moral

development म्हण्टा कीं शेवटाक अंतरमन उलयता तेंच घडटा. भ्रश्टाचारमुक्त समाज घडयतले जाल्यार अंतरमनाची इत्साशक्ती जाय; आनी ताची जतनाय जावंयेता ते दिकेन पावलां उचलपाची गरज आसा.

दुर्भाग्याची गजाल म्हणजे अशें दिसून आयलां की जो भ्रश्टाचारा विरुद्ध उलयता ताका जेन्ना आड मार्गान जोड जोडपाची संध मेळटा तेन्ना तो ती सोडीना. आयज भ्रश्टाचार लागीं लागीं सगल्यच मळांचेर इंटरनेटचे गतीन वाढपाक लागिल्ल्याचें नदरेक येता. आमी अती गतीचे भक्त जाल्यात. मात्सो वेळ लागल्यार जाता म्हूण पद्धतशीर रितीन काम करून घेवपा इतलें पासियेंस आमकां ना. नकळटां आमी समजाक घातक थारतात हें आमच्या मतींत येना. पूण हे वृत्ती पासून जाता तितकें पैस रावप आनी निवळ जीण जगपाचो यत्न करप हातूंतच मनशाक यशस्वी जिवीताचो मार्ग सापडटा आनी एका सुसंस्कृत समाजाचो वांगडी म्हूण जगपाचो अभिमान प्राप्त जाता. जे भ्रश्टाचाराच्या पालवान जोड वा सत्ता जोडटात तांका जाणाजावन अनेक कार्यावळींक मानाचे सोयरे म्हूण आपोवपाचें भयंकर पाप आमी करत आयल्यात. हाचो भुरग्यांच्या मनाचेर वा सर्वसामान्य मनशाच्या मानसिकतायेचेर जो परिणाम जाता ताचेर दुरलक्ष केल्ल्याचे परिणाम आमी आयज भोगतात. हाचेर आमी, चड करुन शिक्षण क्षेत्रांत वावुरपी मानेस्तानीं, गंभीरतायेन लक्ष दिवचेली गरज आसा. मानसिकता घडोवपाच्या वावरांत शिक्षक वर्गाचो सगल्यांत व्हड वांटो आसा हें विसरपाक जायना.

आड मार्गान सर्गा परस उंच पावपाचे भ्रश्टबुद्धेक लागून मनशाचे चरीत्राचेर भ्रश्टबद्द परिणाम जाता. ताच्यांतलीं मनिसपणाचीं मुल्यां कोसळूंक लागतात. तो आपले संस्कार आनी आपली संस्कृताय विसरता. मानवीय पातळेवेल्यान मनशान दैवीक थरार पावपाक जाय. जाल्यारूच ताची खरेली उन्नत्ती जाली म्हणुंयेता आनी एक सुसंस्कृत

जगल्याचें आनी सुसंस्कृत समाज घडोवपाक योगदान केल्ल्याचें श्रेय ताका मेळूंक पावता. कितलीय जोड जोडली म्हणून मानवीय पांवड्या वेल्यान स्वताक जनावरी पातळेचेर देंवयल्यार सबंद समाजाचो सत्यानाश जाता आनी तो समाज मनशानीं रावपाच्या लायकीचो उरना. भ्रश्ट वृत्तेन नैतिकताय व्हागडावन बशिल्ल्या मनशांक खुशालभरीत घराण्याची वा संस्कारसंपन्न समाजाची बांदावळ करपाक शक्य ना. ज्या समाजांत मनीस मनशाची कदर करी ना ताका सुसंस्कृत समाज महणुंयेता व्हय?

•••

मोहर्रमः त्याग, सदभाव आनी समर्पण

मोहर्रम म्हळयार खोश्येची परब वा हर्श-उल्हासान मनोवपाचो उत्सव न्हंय. इसवी सन ६८० सालांत हजरत अलींचे पूत इमाम हुसैन, जे कर्बलाच्या झुजा मळार शहीद जाले, तांका आर्गां ओंपपाच्या दिसाक मोहर्रम म्हूण मानतात. खऱ्या अर्थान मोहर्रम हो "हिजरी" वा इसलामी कॅलेन्डराचो पयलो म्हयनो. हो म्हयनो इतिहासांत दूख प्रगट करपाचो म्हयनो म्हूण नोंद जाला. ह्या म्हयन्याच्या १० व्या दिसाक विशेश म्हत्व आसा कारण ह्याच दिसा इमाम हुसैन शहीद जाल्ले. ह्या दिसाक "अशुरा" वा मोहर्रमचो मुख्य दीस म्हणटात . सुमार १३०० वर्सां सावन मुसलमान समाजांतले लोक ईराकांत आशिल्ल्या कर्बलाच्या रेंवाळ वाठारांत जी घटना घडली ताची याद आपल्या काळजाठांय घट दवरून आसात.

मोहर्रम म्हयन्यांत सेगीत १० वा ताचे परस चड दीस लोक प्रार्थनासभा आनी प्रवचनांच्यो कार्यावळी घडोवन हाडटात आनी इमाम हुसैनच्या त्यागाचेर उजवाड घालतात. हाचो खरो उद्देश म्हळयार त्याग, समर्पण, सत्यमार्गाचें अनुसरण, एकामेकाचेर मोग आनी भावपणाची भावना निर्माण करप जावन आसा.

मनीसजातीच्या सेवे खातीर सत्त्यची राखण करपाक झुजता आसताना आपले प्राण त्याग करचें पडटा. आयज इमाम हुसैन लोकाच्या ध्याना-मनांत गिगून उल्ल्यात हाचें कारण म्हळयार ताणीं सत्य मार्ग आपणायिल्लो. असत्त्या आड ताणीं लडो दिल्लो. ते लोका पासत झुजले आनी लोका पासत ताणीं आपलें प्राण त्यागलें. तांचो लडो त्यावेळचो क्रूर आनी अत्याचारी राजकर्तो यझीद-इबने- मुआविहा हाचे विरद्ध आसलो. लोकाक आपलो राजा नियुक्त करपाच्या प्रक्रिये आड वावरून यझीदान आपलें राज्य स्थापीत केल्लें आनी प्रजेक सतावपाक सुरू केल्लें.

भ्रश्टाचार आनी अन्यायाक लोक विटून गेल्ले. मनीसजातीचेर अत्याचाराच्यो अनेक गजाली इतिहासान नोंद केल्यांत पूण कर्बलाच्या झुजामळार इमाम हुसेन आनी तांच्या कटुंबांतल्या वांगडयांक जें कितें सोसचें पडलें तें आंगार कांटो उबो करपा सारकें आसा. आपखोशयेन इमाम हुसैना बरोबर झुजामळार देंवपी दादले, बायलो आनी भुरग्यांक भूक तान आनी अत्याचाराचो सामनो करपा सारख्या कठीण परिस्थितीक तोंड दिवचें पडलें. बायलांक उपाशी पळोवन वा भुरग्यांबाळांक तान्हेल्लीं पळोवन यझीदाक दया करची दिसली ना. हुसैनान अहिंसेचो मार्ग आपणायिल्लो. तांकां यझीदच्या जुलूमा आड झुजपाक तांच्या पुराय कटुंबान सांगात दिल्लो. इश्टमित्र आनी सामान्य लोकाचोय पुराय तेंको आशिल्लो. पूण मोजक्या अश्या सांगात्यांक घेवन यझीदच्या व्हडा सैन्यावांगडा झूजप सोंपें नाशिल्लें. लोका पासत आपलें प्राण दिवपाचो आपलो निर्धार हुसैनान फाटीं घेतलो ना. ते अंत मेरेन झुजत रावले आनी क्रुरतेक शिकार जावन शहीद जाले. जेन्ना इमाम हुसैन अंतरल्याची खबर पसरली तेना तांच्या सभावाची तूस्त करीत आनी यझीदच्या कर्तुपांची निंदा करीत अब्दुल्ला बिन झुबेर हाणीं म्हळें कीं सोपूत घेवन सांगतां: यझीद आपलो वेळ बायलांक नाचताना पळोवन घालयतालो तर हुसैन प्रार्थना आनी ईश्वर भक्तींत मग्न रावताले, यझीद सोरो पिवन धुमशाण घालतालो तर हुसैन उपोशण पाळून दुवा मागताले, यझीद सकयल्या पातळीचेर वचून वायट कार्य करतालो तर हुसैनांची वृत्ती उच्च विचारांची आसली.

ल्हानसान सैन्याक घेवन यझीदाच्या येद्या मोट्या सैन्यावांगडा झुजपाच्या प्रसंगाचो उगडास काडल्यार महाभारतांतल्या झुजाची याद आयल्या बगर रावना. महाभारतांत चित्रीत जाल्लें झूज म्हणजे बऱ्या शक्तींचें वायट शक्तीं आड मांडिल्लें झूज. पांडव संखेन भौच उणे आसले आनी कौरव असंख्य. पुणून जैत शेवटाक सत्याचीच जाता. इमाक हुसैन मेले पूण

स्मृती दवरून गेले. आयज चुकून लेगीत लोक यझीदाचें नांव घेनांत पुणून आयज संबंद संवसार तांचो उगडास काडून दिमी मोडून तांच्या उगडासाक आर्गां ओंपता. हिंदीचे सुप्रसिद्ध लेखक मुनशी प्रेमचंदजीन आपले बरपावळींत कर्बलाचें झूज आनी महाभरतांतलें झूज हांचे मदले समानतायेचो उल्लेख केला. प्रेमचंदालें "कर्बला" हें नाटक म्हळयार तेन्नाच्या शहीदांक आर्गां म्हणुंयेता. आपल्या ह्या नाटकाद्वारा हिंदु-मुसलीम जमातींतल्या लोकांमदीं सदभावाची भावना रिगोव्पाच्या वावरांत प्रेमचंदान तोखणायेचें योगदान केलां. हेच प्रेरणेन गांधीजीन पयलें मिठ सत्याग्रह चलोवपाक अहिंसेचो मार्ग आपणायलो अशें कांय अभ्यासकानीं मत मांडलां. इमाम हुसैनचो त्याग म्हणजे आत्मीक मुक्ती अशें रविंद्रनाथ टागोरानीं अभिप्राय दिला. मोहर्रम म्हयन्याच्या १०व्या दिसा मुसलमान भक्तांमदीं शिया घटकाचे लोक कर्बलाच्या झुजाचें पुनर्चित्रण करता आसताना भक्तिभावान हड्डीं थापडायतात आनी स्वताच्या आंगार घाय घालून घेतात. इमाम हुसैनान स्वताचेर घाय घेवन ज्या अहिंसक मार्गाच्या संघर्शाचें उधारण घालून दवल्लें तें सर्वकाळ उरचें ही ताच्या फाटली भावना जावन आसा. कांयकडेन "ताझिया" वा चित्ररथाची मिरवणूक काडटात. ऐ हुसेन! ऐ हुसेन म्हणून! म्हूण गाज गाजयतात आनी त्य वेळा तागेल्या स्वरांत दुख्खाचीच भावना आसता. हेच भावनेन कांय सुवातींचेर कर्बलाच्या झुजामळार तान्हेल्ल्यांचो उगडास काडून लोक सरबत वाटतात. शिया मुस्लीम वा सुनी, सगळयाच घटकांतले लोक यझीदच्या कर्तुपांची निंदा करतात आनी इमाम हुसैनाच्या त्यागाची तोखणाय करीत मोहरमा वेळार मौज मजा करपा पासून पैस रावतात. फाकिवंत कवी जोश मलिहाबादी म्हणटा:

इन्सांको बेदार तो हो लेने दो
हर कौम पुकारेगी हुसैन हमारे हैं!

अर्थात-

मनीस जेन्ना जागृत जातले, म्हणूंक लागतले:
हुसैन आमगेलो, हुसैन आमगेलो!

• • •

ईद-ए-मिलादः शांतीदूतालो संदेश

मनशांतली पशुवृत्ती नियंत्रणांत दवरून आनी मानवजातीच्या मुल्यांक वळखून ईश्वरीय शक्ते बरोबर एकजीव जावपा खातीर कशे परीं आमची वागणूक आसपाक जाय, हेरां कडेन पळोवपाची आमची नदर कशी आसपाक जाय, विंगड-विंगड वायटां पासून कशे भशेन वाचपाक जाय, शारिरीक आनी मानसीक नितळसाण कशे भशेन सांबाळूंक जाय, गरीब दुर्बळ आनी पिडेस्तां प्रती आमचे कर्तव्य कितें ---अश्या साबार गजालीं विशीं जागृताय हाडपा खातीर आपली जीण ओंपपी महम्मद पैगंबर म्हळयार एक देवदूत. तांच्या द्वारा मनिसजातीक पवीत्र "कुरआन" हो धर्मग्रंथ प्राप्त जालो. कुरानाच्या पयल्याच अध्यायांत म्हळां कीं सगळी सृश्टी निर्माण करपी अल्लाह वा ईश्वर दयाळ आनी कृपाळ जावन आसा. हाचो उल्लेख करपा फाटलो उद्देश असो कीं मनशान देवगूण आपणांवक जाय. अर्थात आमकां सगळयांप्रती दयेस्त आनी मायेस्त रावपाची गरज आसा. हें सुचयता कीं आमची वागणूक अशी आसची कीं समाजांत शांतीचें वातावरण नंदूक पावतलें आनी समेस्तांची जीण सुखमय जातली. म्हत्वाचें म्हळयार महम्मद पैगंबरान नितळ जीण जगपाची दिशा दाखयली आनी मनशान मनशाक मनीस म्हूण ओळखूंक जाय असो आदेश दिलो. इश्वरीय शक्ती एक आनी आमी सगले एक. हांगा कोण वयलो सकयलो ना. हांगा कोण उच-नीच ना अशे परीं एकतेच्या प्रचार आनी प्रसारान थंयसल्ल्या विंगड विंगड समुदायच्या लोकांक एकठांय हाडून एक अखंड समाज ताणीं निर्माण केलो.

इसवी सन ५७० सालांत जेन्ना अरबस्तानांत महम्मदांचो जल्म जालो तेन्ना त्या वेळा मनिसजातीच्या इतिहासांतलो तो सगल्यांत भ्रश्ट आनी काळोकिट्ट काळ जावन आसलो. तेन्नाच्या त्या समाजाच्या मानसिकतायेर आपल्या विचारांचो छाप घालप हें फकत देवदूताकूच शक्य आसलें.

देवभक्तीच्या मार्गार चलता आसताना मनशाचें जिवीत पर्जळीत करपाच्या वावरांतलें तांचे प्रामाणीकपण लोकांक जाणवलें देखून पावला पावलार तांकां साथ दिवपी मनीस मेळत रावले. समाजांत फाव ते बदल घडोवन हाडपांत ते जैतिवंत थारले. सुसंकृत जिवीत घडोवपा खातीर लोकांक एकठांय हाडपाक तांका यश मेळलें. म्हणूनूच आयज आमी सगले एका व्हडा कटूंबाचे वांगडी ह्या नात्यान तांचो जल्मदिन "ईद-ए-मिलाद" म्हूण मनयतात. ह्या दिसा गावा-गावांत "नारे तकबीर, अल्लाहु अकबर"-च्या नाऱ्यानीं सगळें सैम गाजयत मिरोवणुको काडटात आनी मागीर तांचे गूणगान गावपी कार्यावळी जातात जातूंत तांच्या शिकोवणेचेर उजवाड घालतात. जें ल्हान सान जिवीत आमकां फाव जालां ताका सुंदर सोबीत आनी अर्थपूर्ण करपाक जाय. हे खातीर सगल्यांत चड म्हत्वाचें म्हळयार प्रत्येक गजालींत नियंत्रण पाळपाची गरज आसा अशे आदेश ताणीं आमकां दिले. जेवणखाणाचेर नियंत्रण, मौज मजा करता आसताना नियंत्रण, धन प्राप्त करपाचे प्रक्रियेचेर नियंत्रण अश्या सगल्याच गजालींचेर नियंत्रण पाळल्यारूच जिवीत सुखाचें आनी समाधानाचें थारता हे गजालीचेर ताणीं आमचें लक्ष ओडलें. पवीत्र कुरानान सांगलां त्या प्रमाण साठेबाजी करपाचेर आळाबंदा आसा. साठेबाजी करप म्हणजेच पाप करप हें ताणीं आमच्या लक्षांत हाडून दिलें. साठेबाजी करप म्हणजे गरीब दुर्बळ मनशाचेर अत्याचार केल्ले भशेन जाता आनी हें मनिसजातीच्या मुल्यां विरद्ध आसा. बरें जिवीत जगपाक सगल्यांक सवलत प्राप्त करून दिवपाचे नजरेन आप आपले जोडीचो एक भाग गरीबांक दिवप हे अनिवार्य जावन आसा अशें ताणीं सांगलें. आनी हाची नोंद घेवन दर वर्सा "ईदुल फित्र" मनयता आसताना लोकानीं दान दिवपाची प्रथा चालू दवल्ल्या. जो मेरेन भ्रश्ट मानसिकता, असमानता, अशीलता आनी सामाजीक अन्यथाय ह्या गजालींक उत्तेजन मेळटलें तो मेरेन शांतीभंग जावपाचें थारचें ना हें सगल्यानीं मतींत दवरचेली अत्यंत गरज आसा.

विचार आनी कार्याची सांगड घालपाचे गजालीचेर महम्मद पैगंबरान

विशेश म्हत्व दिलें. सांगप एक आनी करप एक आसल्यार मनीस प्रामाणीक नासता. अशें जाल्यार खंयचेच येवजणेक यश मेळूंक शकना. एक दिस एक बायल तांचेसरीं आयली आनी म्हळें कीं आपलो पूत हिस्पा भायर म्होंव खाता आनी ताका लागून ताचें आरोग्य इबाडटा. हाचेर उपाय सुचोवपाक तिणे विनोवणी केली. पैगंबरान ताबडतोप तिका जाप दिली ना. तिका कांय दिसां उप्रान्त येवन मेळपाक सुचयलें. हाचें कारण म्हणजे स्वता तांका म्होंव खावपाची ओड आसली. देखून आदीं ताणीं आपली स्वताची परिक्षा घेतली. आदीं आपली सवंय मोडपाचो अणभव घेतलो आनी मागीर दुसरे खेपे जेन्ना ती मेळपाक आयली तेन्नाच उपदेश दिलो.

बायलांच्या प्रतिशेटची महम्मदंक विशेश काळजी आसली. आवयच्या पायां पोंदा स्वर्ग आसा म्हूण सांगून बायल मनशांचो सन्मान ताणीं वाडयलो. अल्लाक (सर्वोच्च ईश्वराक) सगल्यांत नापसंतीची गजाल म्हणजे घटोस्पोट (डायवोर्स) हें ताणीं लक्षांत हाडून दिलें.

महम्मद पैगंबरान शांती स्थापीत करपाच्या दिकेन जो वावर केला ताची संवसारान नोंद घेतल्या. देखुनूच बरनार्ड शॉ सारक्या विद्वानान ताची तोखणाय करून सांगलें कीं महम्मदांक सबंद जगाचो डिक्टेटर केल्लो जाल्यार जगभर शांती पसरताली आसली.

इद-ए-मिलादचो संदेश म्हणजेच समाजांत शांती स्थापीत करपाचो संदेश. रागाचेर जैत जोडून मोगाची भावना रिगोवपाचो संदेश. जिणेच्या मुल्यांक उखलून धरपाचो संदेश. जेन्नां नैतीक मुल्यां घसरतात, जेन्ना मनीस मनशाचो दुस्मान जाता, जेन्ना स्वार्थ आनी हिंसेक गती मेळटा तेना शांती दूत महम्मद पैगंबरांच्या शिकोवणेचो पालव घेवचेली गरज आसा हातूंत दुबाव ना.

• • •

अप्रूप गीतकाव्य

(कोंकणी गितांची वळेरी तशी बरीच लांब आसा. म्हजो इश्ट रामानंद रायकारान "गीत मांडवी झुवारीचें" हे संगितीके खातीर वेंचीक अशीं जीं गितां म्हजे समोर दवल्लीं तांचोच विस्तारून उल्लेख ह्या लेखांत केला. त्या भायर कांय नावाजत्या कवींच्या लिखणींतल्यान भायर सरिल्लें गीतकाव्य नदरे मुखार हाडलां.)

गोंयचे पूण्य भूंयेर अर्थपूर्ण जिवीत जगापाची अप्रूप अशी संध आमकां प्राप्त जाल्या. आमी भाग्यवंत. मांडवी झुवारीचो पवीत्र सांगात आमकां फाव जाला. ल्हारांच्या स्वरां सांगाताक आमी आत्मसाथ जाल्यात. हांगसल्ल्या पांचव्याचार सैमाच्या वेंगेंत बसून आमी फुडाराचीं चित्रां चिंताल्ल्यांत. गोयचें सुंदर सोबीत चित्र चलचित्रांच्या पड्डयाचेर पर्जळीत करपी आनी सिनेमाच्या दुनियेंत खाशेली अशी सुवात जोडपी गोंयचे सुपूत्र भोवमानेस्त धर्मानंद वेर्णेकार हांकां ह्यो गोंयच्यो न्हंयो स्फूर्तदिण्यो थारल्यात. हेच न्हयांच्या देगेवेल्यान ताणीं फायचीं सप्नां देखल्यांत. देखुनूच "सपन फायचें आयज तें पळेलां आमी" हें गीतकाव्य तांच्या काळजांतल्यान स्फुरून येता.

भौमानेस्त धर्मानंद वेर्णेकार हांचें काव्य फायचीं सपना साकार करपाची ओड आमकां लायता. आमी पावला पावलार विविध रुपाचीं सपनां पळेतात. कांय फुडाराची चिंता अशील्लीं तर कांय भरगच्च छंदान आनी मोगान भरिल्लीं. कवीमनांतल्यान आपशींच स्फुरून येतात तीं उत्रां अशीं:

झंय आंगणांत
मंद मंद पांयजणांचो आवाज कानार सादता
तें म्हजें गोंय

झंय कोमऱ्यो आकऱ्यो फुटून
पोरसूं चंवरता,
तें म्हजें गोंय

झंय हरयाळेक दोळे फुट्टात,
तें म्हजें गोंय
आनी झंय फुलांचे गळे म्होवान भरतात
तें म्हजें गोंय

गोंय आमचें भौच अपुर्बायेचें. सकाळच्या पारार गोंयां रानांवनां लिकलिकतात आनी गोड गोड गोड गळ्यान सवणीं गायनां करतात. नैसर्गीक सौंदर्याची संपत प्राप्त जाल्लें गोंय पावला पावलार कवींक प्रेरणा दिता. नैसर्गीक वर्णनांनीं जांचें काव्य भरगच्च भल्लां अशे आमगेले जेश्ठ आनी श्रेश्ठ कवी भोवमानेस्त बाकीबाब बोरकार हांकां हांगा सकाळच्या पारार भांगराच्या घुंगराचो आवाज आयकूंक येता.

"निळें निळें सवणें एक सकाळच्या गो पारार" हें तांगेले सैमा वांगडा झेलत झेलत काळजां खेळोवपी हें गीत मनां झेलयता.

गोंच्या सोबीत सुंदर सैमाच्या गोपांत मोगाचें वातावरण नंदलां म्हळ्यार अतिताय जावची ना. हांगा भिण्ण-भीण्ण काळखांत लेगीत काजुल्यांची वाट चलपाक जीव आशेता. हांगा आपशींच आंगार मोगाचो रंग चडटा आनी आपशींच काळीज धडधडटा. म्हज्यो अनेक गीतरचना म्हणजे यूसूफ अ. शेख हांचें काव्य काळजाक ल्हवूच चिमटे काडपी गीत काव्यान भल्लां. "शब्दुलेच्या फुला तुका भंवरो जावन चिंवतलों" ही लोकप्रिय गीतरचना म्हजेच कल्पनेंतल्यान देंवली. श्रोत्यांची काळजां

हालोवपी "भिण्ण भीण्ण काळखांतुल्यान काजुल्यांची वाट चल्लों" ही म्हजी रचना मुंबय आकाशवाणी केन्द्राचेर अजीत कडकडेच्या आवाजांत ध्वनीमुद्रीत जाली आनी लोकाक खूब मानवली.

वैजकी क्षेत्रांत नामना जोडून कवितेच्या मळार गीतकार म्हूण लिकलिकपी कवी भौमानेस्त भिकाजी घाणेकार प्रेयसी विणें जीण कशी उरतली हाची झळक उलोवन दाखयता. गोयां विनोदी कवींच्या पंक्तीत डॉ. भिकाजी घाणेकार हांचो पयलो नंबर लागता म्हळ्यार अतीताय जावची ना. आपली प्रतिभाशक्त आनी विनोद हांची उत्कृश्ठ सांगड घालून भौच प्रभावशाली तरेन ताणी मांड्यां उत्सव रंगयल्यात. डॉ. भिकाजी घाणेकार हांगेली "आयज म्हज्या मनार" ही रचना बरीच लोकप्रिय जावंक पावली.

कवितेच्या माद्यमांतल्यान धोलार बडी मारून गोंयकरांमदी जागरुतेचि ज्योत पेटोवपी कवी म्हणजे डा. मनोहरराय सरदेसाय. कोंकणीं जनांक अर्पीत भौच अर्थपूर्ण कोंकणीं गीतांची निर्मिती मनोहरायांकडसून घडून आयली. सांस्कृतीक मळार स्वतंत्रताय जोडपाची किंट ताणीं रिगयली तें जालेंच पूण त्य सांगाता कोंकणी सरस्पतीच्या आंगणांत जाया-जुयांचो परमळ ताणीं फांकलो. मनां खेळोवपी आनी काळजाक स्पर्श करपी गोड आनी सुवादीक गितांची मेजवानी ताणीं कोंकणीं समाजाक दिली म्हळ्यार जाता.

आकाशवाणीच्या मुंबय केन्द्राचेर संगीतबद्द जाल्लें आनी एका तेंपार बरेंच गाजिल्लें गीत जातूंत चाफ्या कानार मस्त वारो फुतफुतून पळत वेता तो दिश्टी पडटा तें म्हळ्यार "मळबावेल्यान कवड्या भिरें घोटेरांत परतता, तेना तुजी याद येता, याद येता!"

तरणीं कवीतफुलां जेन्ना मधूर गिताचें स्वरूप घेतोत तेन्ना आंगापांगांत चैतन्याचीं ल्हरां व्हांवल्या शिवाय कशें रावत? गोंय मुक्ती उप्रांतल्या

काळांत बाकीबाबाक पयले पिढीचे कवी मानले जाल्यार १९८०-९० काळच्या दर्म्यान तिसरे पिढीच्या कवि-कवियत्रीनीं आपले प्रतीभेचो पर्जळ फांकपाक सुरू केलें. मांडवी झुवारीच्या धुल्पदांक नवो नेट मेळ्ळो. नवी उर्बा जागली आनी गोंयच्या उत्तरेकडल्यान कोंकणी गीताच्या सुरानीं नेट धल्लो. बाय शांती तेंडुलकार हे तिसरे पिढीच्या कोंकणी भक्तांपैकिं एक भौच प्रतिभावंत कवयत्री. गीतकाव्याच्या मळार ताणीं आपली झलक दाखयली आनी त्यो गेल्यो. तरण्या पिरायेचेर त्यो संवसाराक अंतरल्यो. तांच्या उत्रानीं सांगपाचें म्हळ्यार: "परी परीन जीण ही आमचेसरी खेळत गेली आनी मालकंस सोंपलो कळ्ळेंच ना ". बाय शांती तेंडुलकार हांची ही रचना काळजाक स्पर्श केल्या शिवाय रावना.

वास्कोच्या किनारपट्टीर झेलतां झेलतां अचकीत बाब अशोक चोडणकार हाणी कोंकणी कवितफुलांच्यो राशी आमचे समोर वोतल्यो. जीवीत फुलूंदी समेस्तांचें ह्या माथ्याळ्या खाला कवीता संग्रह उजवाडाक हाडून अशोकबाबान केन्ना काय गोयकारांचीं काळजां जिखलीं कळ्ळेच ना. आयज ते कोंकणी पत्रकारीता आनी कोंकणी कवितेच्या मळार नेटान आपली तेज दाखोवपाक लागल्यात. कोंकणी काव्याचो सांगात नासल्यार ते अस्वस्थ जातात. ते आपल्या कवितेच्या माद्यमांतल्यान मोगा रंगांत रंग भरताना दिश्टी पडटात. "मन म्हजें पिसोळें, वैर मळबांत उडूंदी" अशी आस्त बाळगुपी ही तांगेली रचना आयज कानार सादपाक लागल्या. कोंकणी गीतांच्या मळार दिसटी पडपी जोडगीतांचो आभाव बाब अशोक चोडण्कार हाणीं भरुन काडपाचो यत्न केला ही एक खोशयेची गजाल.

दर्या गाजताना आमी पळयला. मागीर ती दर्याची गाज कवीमनाचेर छाप सोडले बगर कशी रावत? ह्या दर्याच्या गाजान कित्येकांच्या काळजानीं मोग रिगयला वा मोगा मनांचेर रंग चढयला म्हळ्यार जाता. सांजेवेळार दर्या ल्हारार मोगान मंद तरणीं मनां कशीं झेलूंक लागतात

हाची जाण कोंकणीतले जेश्ट कवी भौमानेस्त रमेश वेळुसकार हांकां आसा हाची गवाय दिवपी तांच्या गीताचीं उत्रां म्हणजे "रंगलीं कूपां दर्या मुखार वैतानारे सांज, ल्हारा ल्हारार झाझरलीरे पैजाणाची सांज!"

गोंयचे भूंयेर भक्तीभावना आनी प्रार्थनेचें बळगें आसा. हांगा मनशांक मनशांचें मोल कळटा. हांगा देवा धन्याचो आशिर्वाद मेळटा. ह्या देवाच्या आशिर्वादानुच आमी पापमुक्त जातात अशे मोलादीक विचार जेश्ट कवी आनी नांवाजते पत्रकार भौमानेस्त यशवंत केळेकार मांडटात. कोंकणी भाशा मंडळ तशेंच अखील भारतीय़ कोंकणी साहित्य परिशदेचे आदले सचीव, यशवंतबाब पालेकार, हांच्या गीतांक विचारवंताची धार आसा. "भूंयेर येवपी मनशा हातान पाप सदां रे घडटा" ही तांची मोलादीक कोंकणी गीतरचना.

मांडवी झुवारीचो संगम म्हणजे दोन मनांचें खुशालभरीत मिलन काय कितें अशें कविमनाक दिसल्या बगर रावना. ह्यो न्हंयो कल्पनाशक्तेक बळ दीत आयल्यात. केन्द्रीय साहित्य अकादेमीचे ततशेच टी.एम. ए. पै पुरस्काराचे मानकरी भौमानेस्त प्रकाशबाब पाडगांवकार जाणीं आपल्या वास्कोयान ह्या कवितां झेल्यांत वास्को शाराचें सामाजीक चित्र आमचे मुखार दवल्लां तांकांय गोंयच्यो ह्यो दोन न्हंयो प्रेर्णा दिवपी थारल्यात. आपले काव्य रचनेंत ते म्हण्टात:

दोन न्हंयाचो सुप्त एकवोट तुजो म्हजो संगम,
एका प्रवाहा अस्तित्व आमचें आसुनय दोन अुगम!

गोंयकार संवसाराच्या खंयच्या भागांत कितलोय पैस आसूं, सुंदर सोबीत न्हयां सांगाताक माड-माडयानी सजलेलें गोंयचें मनभुलोवणें चित्र ताज्या दोळ्यां मुखारआयल्या बगर रावना.गोंयच्यो गोड यादी ताच्या काळजाक

थंडाय दितात. गोंयच्या सामाजीक आनी सांस्कृतीक मळार खाशेलें स्थान जांका प्राप्त जालां आनी जांचेकडेन आमी सगले आदरमानान पळेतात अशे कोंकणी भाशीक चळवळीचे तेजवंत फुडारी आनी प्रतिभावंत गीतकार, भौमानेस्त उदयबाब भेंब्रे, कंठ फुलोवन गायतात:

"मंद वाऱ्यार दर्या ल्हारार गोंयां तुजी याद येता".

जाका गोंयचेर प्रेम आनी राश्ट्राप्रति भक्तिभावना रिगोपाच्या वावरांत जैत मेळलां तो जबर्दस्त उंचायेचो कवि आसपाक जाय. भौमानेस्त पंढरिनाथ दामोदर लोटलीकर हे कोंकणींतल्यान राश्ट्रभक्तिचेर संगितिका बरोवपी पयले वयले कवी जावन आसात. "तांकां आमचें नमन" हे तांगेल्या संगितिकेचे अनेक कडेन प्रस्तूतीकरण जल्ले आसात. प्रचार माद्यमांत वावुर्ता आसताना जर्मनींत वचून संपर्क क्षेत्रांत प्रशिकशण घेवपी ह्या कवीक आपले विचार प्रभवशाली पद्धतीन लोकांमुखार मांडपाक साद्य जालां. आमच्या गोंयची सासाय व्हड आनी ती तिगोंवक जाय अशें म्हणत पंढरीनाथबाब सांगता "आमची भूंय आमची मांय, राखूंक जाय तिका पावूंक जाय."

त्या भायर कांय गाजिल्लीं कोंकणीं गितां जातुंत अप्रूप काव्य परजळटा तीं म्हणजे पुंडलीक नारायण नायकाली गीतरचना "फुटलीं फुटलीं सावरीचीं बोंडां", चा. फ्रा. द कॉश्ताली "आबोल्या तुजो रंग उजो गो", के अनंत भटाली "दोन दिसांचो खेळ", शंकर रामाणीली "आबोलेच्या वोंठार तुज्या", विजायबाय सरमळकाराली "रानां रानांत वाजता गे शीळ, येता जांवये म्हजो घननीळ, अभजीताली "ते निळनिळशे धूंवरे पेल्यान", गजानन रायकाराली "काल वडा कडेन तुनी वाट पळयली" आनी "गिमशी गाळी पिकली गो", हरदत्त खांडेपारकराली "वऱ्याावरी उडून गेलीं भांगरावरी वरां" प्रकाश थळीली "म्हाका म्हजे भुरगेपण कोणूय परत

दियात रे, खेळटा खेळटां सांडलो बोल कोणूय सोदून दियात रे", शंकर भांडारीली "निरमीतल्या निर्मणेंत तूं", अशोक भोंसल्याली "हळूच मोगा येवचे तुवें, " विठ्ठलदास प्रभूली "आयज चड वर्सानीं", गजानन जोगाली "दर्या वाऱ्या मात्सो बेगीन यो", उल्हास पै रायकाराली "भांगर शिंगर फांफडीत आयलो, यशवंत केळेकाराली "हांडीर आसा चेडो, सोदाता सगलो वाडो" उल्हास बुयांवाली "मंगळूराच्या शारान", रमेश लाडाली "नदर म्हाका लागली तुजी" आदी.

• • •

कोंकणी गीत आनी संगीत-एकामेकाच्या सोदांत

(१२ सेप्टेंबर २००४ दिसा गोवा कोंकणी अकादेमी आनी राजीव गांधी कला मंदिर हांच्या जोड आसऱ्या खाल फोडें, गोंय हांगा आयोजीत परिसंवादांतलें उलोवप)

तरां तरांच्यो जाती काती तरां तरांचो भेस
भारतीय सगले आमी आत्मो आमचो एक.

ही एक म्हजी देशभक्ती रचना. राष्ट्राच्या, म्हणजेच राष्ट्रांत रावपी लोकाच्या विकासा खातीर एकजीव जावन वावर करचो पडटा. आनी ही जागृताय निर्माण करून तशी भावना रिगोवपाचें म्हत्वाचें काम देशभक्ती गीतां वरवीं जाता. खंयचेय रचनेक जो मेरेन संगीताची साथ मेळना तो मेरेन ती रचना गीताचें स्वरूप घेंवक शकना. आनी गीताक जाय तशेंच संगीत मेळूंक पावलें जाल्यार गीत प्रभावशाली आनी लोकप्रीय जांवक पावता. देखुनूच गीतकार, संगीतकार आनी गायक कालाकार हाणीं सधांच एकामेकाच्या सोधांत रावप भोव गरजेचें. दुसऱ्या उत्रानीं सांगपाचें म्हळ्यार गीतकार, संगीतकार आनी गायक कलाकार हांचो जेन्ना आत्मो एक जाता, तेन्ना आपशींच बरें गीत घडुन येता. एक दोन दिसांत वा कांयच क्षणांभितर तांचो आत्मो एक जावप हें शक्य ना. हाका लागून एक माहौल, फाव तें वातावरण जाय पडटा. असल्या माहौलाची बांधणी जावप आनी, म्हत्वाचें म्हणजे, ती तिगून उरप हें भौच गरजेचें. ना जाल्यार एकमेकाचो सांगात तुट्टा आनी तांच्यांतली प्रतीभा शक्त आनी सृजनशीलता उणी जाता आनी शेवटाक पालवता. कोंकणी गीतरचनेच्या मळार अशें खूब व्हडा प्रमाणांत घडलां आनी हाका लागून हाची विशेश दखल घेवचेली गरज आसा. आयज तरूण पिळगेंतले लोक कोंकणी गीतां गावपांत भोव रस घेतात पूण गीतकार आनी गीतांचो आभाव आसा हें नदरेक आयल्या

बगर रावना. धांवत्या उद्का भशेन आपापल्या क्षेत्रांतलो वावर चालुच उल्ल्यार ताका नवी धार येयत रावतली आनी कोंकणी समाजाक नवीं गींता मेळुंक पावतलीं.

धांवते उदक धांवत रावल्यार
इबाड कशेंच जावचें ना रे
चडटे वेलीर उदक पडल्यार
मोगरीं फुलचीं थांबचीं ना रे!

आतां चडटे वेलीक उदक दिवपाचें काम भौच म्हत्वाचें जावन आसा. हो वावर कोण करतलो? गीतकारान गीत रचप, संगीत कारान संगीत दिवप आनी गायक कलाकारानीं गावप. आनी तांकां एकठांय गुथून दवरपा खातीर तसल्या वातावरणाची बांधणी करप, म्हणजेच परत परत सांस्कृतीक कार्यावळी घडोवन हाडप, चर्चासत्र वा परिसंवाद घडोवन हाडप, फाव आशिल्ली सुवात मेळोवन दिवप आनी अशे तरेन गीतांच्या क्षेत्रांत वावुरप्यांक प्रेरणा दीत रावप हें काम सांस्कृतीक आनी सामाजीक संस्थानी हातांत घेवचेली गरज आसा. कोंकणी समाजाची गरज म्हुण हाचेर विशेश लक्ष दिवचेली गरज आसा. गरज पडल्यार सरकार आनी सरकारी संस्थांचोय पालव घेवचेली गरज आसा.

जिवीतांत वेगवेगळ्या गजालींचो अणभव घेतल्या उप्रान्त खंच्यान तरी खंयची तरी शक्ती वावुरता आनी कविता स्फुरता. पूण गीत आपशींच घडुन येना. जो मेरेन संगीताचे सूर कानांत रिगनात आनी ध्यानामनांत घोळत रावना तो मेरेन गीत स्फुरून येना. केन्ना केन्ना अशें जाता कि खंयचो तरी गायक वा गावपी पंगड ध्यानांत उरता आनी गीत स्फुरता. आनी मागीर भौच कश्टान ताची बांधावळ करची पडटा. म्हज्या

अणभवा वेल्यान जेन्ना काळजाक हात घालपी अशे विचार साद्या सुद्या आनी हलक्या फुलक्या उत्रानीं गीत जावन येता तेन्ना तें गीत भोवच लोकप्रिय जांवक पावता. देखीक "सारे जहां से अच्छा, हिन्दुस्थां हमारा. हम बुलबुलें हैं उसकी, वो गुल्स्तां हमारा." हे रचनेची खोलाय आनी सादीं उत्रां हाका लागुन हें गीत राश्ट्रभक्तीगिता च्या रुपान लोकप्रिय जांवक पावलें. कठीण जड वा कळना असलीं उत्रां आसल्यारुय केन्ना केन्ना तें गीत लोकप्रिय़ जाता पुणून हें चड करून घडटा तें फकत संगीत लोकांक मानवता अशें घडल्यार. देखीक "मुत्तकोडी कौव्वाडी हडाक" म्हुण मेहमुदचेर चित्रीकरण केल्लें गीत लोकप्रिय जाल्लें. ह्या उत्रांचो अर्थ कोणाक कळ्ळो ना पूण लोकांक फकत मनोरंजन करपी संगीत आवडलें.

अतां गीत निर्मीतिच्या वावराक नवीं साधनां उपलब्द आसात. एकामेकाक आधार दिवपाक वा एका मेकाचो पालव घेवपाक आपापली रचना इलेक्ट्रोनीक माद्यमा वरवीं रिकॉर्ड करून एकामेका समोर दोवरूं येता. गीतकारान आदीं गीत रचुन तें मागीर संगीत बसोवपाक दिवपाक जायच अशें ना. आकर्शीत अशी संगीत रचना रिकॉर्ड करून गीतकारा लागीं दिल्यार ताचे पासुनुय एक बरें गीत निर्माण जांवक शक्ता. गोंयां वा कोंकणी गीतांच्या मळार अशे चडशे प्रयोग जरी जाले नात, तरी हेर भासानीं आनी विशेश करून फिल्म संगीताच्या मळार अशें घडटा. मतींत धरूंक जाय कि आमचो हेतु म्हळ्यार एका बऱ्या गीताची निर्मिती. ह्या वेळार एक गजाल जि मतींत दवरचेली गरज आसा ती म्हळ्यार दरेक मळार संतुलन सांभाळपाची गरज आसा. सद्याक भौच व्हडा प्रमाणांत सगल्या कडेन बाजारीकरण चल्लां. हाका आमी बळी पडचें न्हयं हाचेर मात लक्ष दिवपाक जाय. पुणून बाजारा पासून सामकेंच पैस रावनुय उपेग ना. म्हणुन म्हण्टां, संतुलन. आमच्या तरूण पिळगेची रूच आनी सुवाद मतींत दोवरून फुडें वसचें पडटलें. ना जाल्यार आमचीं गीतां आमी रचुन आनी संगीताचेर बसोवन मागीर तीं आमीच आयकचीं पडटलीं.

आमकां मदली अशी वाट चलचीच पडटली. आयज कांतारांच्या रूपान येवपी गीतांक बाजारांत बरी खप आसा. हाचो अर्थ कांताराची निर्मिती करपी सगलेच बाजारीकरणाक बादल्यात अशें न्हंय. सर्वसाधारणपणान म्हाका कांतारानीं गीताची खोलाय जाय त्या प्रमाणांत अढळना. गावपी आपली गावपाची तान भागोवपाक स्वता आपुणूच गीत रचता आनी आपुणूच ताका चाल दिता. सगलें काम एकलो एकसुरो करता म्हुण जांवये. पूण सगलींच कांतारां अशीं आसात कि तांतूंत कवितेची खोलाय ना अशें ना. कांय कांतारां खऱ्यानींच तोखणायेक पात्र अशीं आसात. पश्चीमी पद्धतीच्या संगीताचेर बसयिल्ल्या गीतां कडेन पळोवपाची आमची नदर बदलुंक जाय. ध्यानांत दवरपाची गजाल म्हणजे कांतारानीं जी संस्कृती झळकता ती एका विशिश्ट समाजाची. ताका लागून त्या समाजाच्या लोकाक तीं आवडटात. कोंकणी भास जरी एक तरी कोंकणीच्यो अनेक बोली आसात आनी कोंकणी संस्कृतेचीं वेगवेगळीं आंगा आसात हें विसरूंक फावना. तेन्ना ह्या विशयावेल्या परिसंवादानीं अश्या सगल्या बाजुंचेर विचार जांवक जाय.

कोंकणी गीत म्हळें कीं भोव करून आमचे नदरे मुखार येता तें हिन्दुस्थानी संगीताचेर बसयिल्ली रचना. फकत आकाशवाणी मुंबय आनी आकाशवाणी पणजी केन्द्रांच्या पालवान हीं गीतां अस्तित्वांत आयलीं म्हळ्यार अतिताय जावची ना. गीतकार, संगीतकार आनी गायक कलाकारानीं एकठांय येवन अश्या गीतांच्या निर्मितेचें काम भौच उण्या प्रमाणांत केलां. आदीं आकाशवाणी केन्द्रांचेर प्रोड्युसर आनी कम्पोजरांची नेमणूक जाताली म्हुण तें त्या वेळार शक्य जालें. त्या वेळार स्थायीक कलाकारांक उत्तेजन मेळचें आनी ते फुलचे फळचे हें सरकारी प्रसारण माद्यमांचें ध्येय आशिल्लें. आतां हीं माद्यमां बाजारीकरणाक इतलीं बादल्यांत कि स्पोन्सर्ड प्रोग्रम्स मेळ्ळे कि जालें. अश्या वेळार आमची जापसालकी वाढल्या. आमी फुडाकार घेवन नवीं नवीं गीतां निर्माण केलीं

मेळटलीं आनी गीतांच्या रूपान आमच्या मुखार येवपी हीं गीतां नाच जातलीं. हाचेर प्रश्नोतरीच्या रूपान चर्चा जातली आनी गंभीरतायेन आमी विशयाकडेन पळयतले अशी आस्त हांव बाळगीतां. तशेंच कोंकणी गीतकार, संगीतकार, गायक कलाकार आनी गावपी पंगड ह्या सगल्यांच्या जोड पालवान गोयां प्रोडक्शन संस्था निर्माण जाता असो माहौल घडोवन हाडटले अशी इत्सा हांव बाळगीतां.

• • •

गीत कशें घडटा

कोंकणी गितांच्या संदर्बान गोवा कोंकणी अकादमी आनी कलाश्री-गोवा ह्या संस्थेंच्या आसऱ्या खाल घडोवन हाडिल्ले कार्यशाळेंत गीत कशें घडून येता हे विशीं विचार व्यक्त केल्ल्यांतले कांय अंश.

Music is like a second soul of a human being.
संगीत मनशाचें मन प्रसन्न दवरता. संगीत मनशाक हांसयता, धोलयता, नाचयता आनी धादोस्कायेचे सुस्कार घेवपाक संधी उपलब्द करून दिता. जी कविता, जें काव्य संगीत बद्द करपाक मेळटा ताका आमी गीत म्हणटात. गीत काव्य म्हळ्यार एक प्रभावशाली रचना जी मनशाक खुशालकायेच्या झोपाळ्यांत झेलयता आनी ताचें मन प्रफुल्लीत करून खेळयता. गीत दुखेस्त मनाचें वजेंय उणें करता.

गीतोंने हमें जिना सिखाया
गीतोंने महोब्बत सिखायी है,
हर गीत हमारा अपना है,
हर गीत हमारी कहानी है.

कोंकणीं गितां म्हणलें कीं दोन स्वरूपाचीं गितां आमच्या मुखार येतात. एक म्हणजे हिंदुस्थानी संगिताचेर स्वरबद्द जाल्लीं गितां आनी दुसरीं म्हळ्यार साधारण पश्चीमी पद्धतीन आमच्या मुखार येवपी कांतारां. कोंकणी सुगम संगीताक एक लांब इतिहास आसा. आलफ्रेड रोज, रिटा रोज, एम बायर, जासिन्त वाज, विल्फी रेबिम्बस अश्या अनेक कलाकारानीं कांतारां लोकप्रिय करून संवसारभर पावयलीं जाल्यार उल्हास बुयांव, जितेंद्र अभिशेकी, आशालता वाबगांवकार, रजनी ठाकूर, सुधा आमोणकार, उशा आमोणकार, रामदास कामत, गजानन देसाय, सुरेखा धोपेश्वरकार, अजीत कडकडे, एरीक ओझेरिवो इत्यादी

कलाकारानी. हिंदुस्तानी स्टायलींतलीं गितां खूब गाजयलीं. अश्या वेळार मनोहरराय सरदेसाय, बाकिबाब बोरकार, हरदत्त खांडेपारकार, गजानन देसाय, युसूफ शेख, शंकर रामाणी, पंढरिनाथ दामोदर लोटलीकार, भिकाजी घाणेकार, प्रकाश थळी, प्रकाश पाडगांवकार आदी कवींच्या लिखणींतल्यान गितकाव्याचो पावस झडलो. कोंकणी गितां संबंदान उलयताना जाणीं ह्या क्षेत्राक आपली जीण समरपीत केली तांचो उल्लेख जावपाकच जाय. गोंयच्या मुक्ती उपरान्त जे कोंकणी भक्त, वा जे संगीतकार म्हणया, आपले पुराय जीवित कोंकणी गीतां पासत त्याग करपाक फुडें सल्ले ते म्हणजे उल्हास बुयांव आनी रामानंदबाब रायकार. उल्हास बुयांव आयज आमचे मदीं ह्या संवसारांत ना. रामानंद रायकार जाका गोंयच्या सरकारान राज्या पुरस्कार दिवन सन्मानीत केला, ताणें आयज मेरेन हो वावर नेटान चालूच दवल्ला आनी हें कार्य चालूच उरचें म्हूण तांच्याच प्रयत्नांक लागून कोंकणी अकादेमीच्या जोड पालवान आयची ही कार्यशाळा घडून आयल्या. तरनाट्या मदीं जे संगीत प्रेमी आनी कोंकणी मोगी आसात तांकां प्रोत्साहन मेळत रावचें हे पासत ते व्हडा जिद्दीन वावरत आसतात. ताका आमीं आदरमानान दिनवाजूंया.

कवी लयबद्द जावन आपल्या भावनेचें चित्र चितारता आनी तें गीत जावन लोकांच्या वोंठार जिभेर खेळपाक लागता. एकाच वाक्यान सांगपाचें जाल्यार गीत काव्य म्हणजे लयबद्द कविता. जे कवितेक संगीतबद्द करपाक मेळटा ताका आमी गीत काव्य म्हणटात. Lyrical composition is the art of expressing truth or imagination or feelings in melodious words.

मागीर अभिव्यक्तीचो विशय खंयचोय आसूं, गीत रचनेंत "मेलोडी" वा फावो तो "रिधम" आसपाकूच जाय. मुक्तछंदाची कविता गीताचें स्वरूप घेंवक शकना. गीतकाव्य मनाचेर जो प्रभाव घालता तो प्रभाव साधारण गद्य वा गद्यकाव्य घलूंक शकना.

काळाप्रमाण गिताचें स्वरूप बदलत आसता. ताका लागून आतांचीं गितां आनी आदल्या गीतानीं खूब फरक जाणवता. आदल्या काळाचीं गितां म्हळ्यार चड करून भक्ती गीतां. आनी विशेश करून ईस्वर भक्तीक समरपण वक्त करपी गीतां. तुळशिदासालें "रामचरित्र मानस", कबिरचे दोहे वा मिरा तशेंच सुरदासाले भजन हें सगलें एका सामाजीक युगाचे गीत काव्य. आतांचें युग हे चड करून छंदबद्द यूग. ताका लागून आयच्या सामाजीक युगाची गरज भगोवपाचेर लक्ष आसता आनी पायांक मौजेन नाचोवपी अशीं छंदबद्द गितां बऱ्याच व्हडा प्रमाणांत जल्माक आयिल्लीं नजरेक येतात.

गीतकाव्याक तरां तरांनी रसदायक करपाक तातूंत पडिल्ले रस भौच म्हत्वाचें. सृंगार रस, करूणा रस, हास्य रस, भयानक रस, भक्ति रस आदी.

खंयच्याय गिताक आमच्यानीं २ वाट्यानीं वाटूंक येता. पयलो भाग म्हळ्यार जाक हिंदींत मुखडा म्हणटात तो. मुखडो म्हणजे "फेस" चेहरो. आनी दुसरो भाग म्हणजे अंतरो म्हणेजेच गिताचें आंग म्हणुंयेता. हांगा गितांतल्यो भावना वा गिताचो मजकूर देंवता. हो गिताच्या विशयाचो विस्तारून अर्थ सांगपी भाग. अंतऱ्याक खंयच्याय गिताचें काळीजुय म्हणलयार जाता.

हें जालें काव्या विशीं जाका संगितबद्द करून गिताचें स्वरूप दिंवयेता. गिताच्या स्वरूपांत आनीक एक भाग आसता. तो म्हणजे गीत सुरू जावचे पयलीं येता तो संगिताचो भाग, प्रिल्यूड म्युजीक, जें आयकन सुर्वेकच आमका गिताच्या प्रकाराची ओळख जाता. म्हणजे फुडें येवपी गीत खोशी व्यक्त करता काय दुख प्रकट करता वा ताका मौजेन नाचपाचो ठेको आसा तें आमकां कळपाक लागता. प्रत्येक स्टान्झा प्रत्येक कडव्या

antaras. It is like thread that binds the song together.

तें गीताक एकठांय बांदपी सूत म्हणल्यार जाता जे एक "हारमोनियस मोनटाज" तयार करपाक मदत करता.

गीत सादरीकरणांत तालमेळ आनी लय सारखे जुळपाची गरज आसा. खंय विलंबीत म्हळ्यार ल्हव वा स्लो आनी खंय मद्य आनी खंयसर द्रुत म्हळ्यार फास्ट लयाचो मिटर लागतलो हाचेरूय लक्ष दिवचेली गरज आसा. देशभक्ती रचना, स्फूर्तगीत, विरह गीत अश्या विंगड विंगड विशयांचेर गीतरचनेची बांदावळ जाता तेना हे "रिध्मीक प्रिन्सीपल्स" ध्यानांत दवरिल्ले बरे.

उधारण गीत:
म्हाकाय ओडून व्हरात गो!
(गीत रचना)

मिटफोळीचो खेळ खेळपाक
उडक्यो मारीत येयात गो
पावस येता भिजपा खातीर
म्हाकाय ओडून व्हरात गो!

बिरीबिरी भिजलीं शेतां
बिरमुटेचीं वोलीं पाखां
ओंवळीणीचीं झडलीं फुलां
झडलीं आब्या मुळांत घोटां
ओल्या चिप्प सैमा वांगडा
खेळूंक भायर सरात गो

येत आसतना मुठींत धरुन
चिंचारे चार हाडात गो!

मस्काच्या झाडार बाये
वेलीन आंग मोडलां
चिंचे झाड अमुरपिक्या
कोंगलानीं भल्लां
पोरसांत दोगां ओलीं चिप्प
हांवुय मस्त रमलां गो
कोंब्यान शेंक्रो फुलैला
म्हाकाय नादांत भरात गो!

-युसूफ अ. शेख

खंयच्याय गितान मुखडो वा सुरवातिच्यो दोन वळी भौच म्हत्वाच्यो आसतात. सुरवातीचो मुखडो प्रभावशाली आसलो जाल्यार गीत लोकप्रिय जांवक पावता. ह्योच त्यो मुखड्यांतल्यो दोन वळी परत रिपीट जातात. ह्योच त्यो दोन वळी ज्यो आमच्या ध्यानामनांत आयुश्यभर तिगून उरता.

मागीर अंतरो. अंतऱ्यात ४ किंवा ६ किंवा ८ वळी आसत्तात. गीत बऱ्या भशेन संगीताचेर बसयतले जाल्यार अंतऱ्यांतल्या निमाण्या दोन वळींचेर विशेश ध्यान दिवचें पडटा. ह्या वळींतलीं निमाणीं उत्रां ज्युस्तूच मुखडयाक जुळटा अशीं आसपाक जाय.

एक बरें गीत घडुन येतलें जाल्यार गितकार, सांगितकार आनी गावपी

कलाकारान सांगातान वावुरपाची तळमळ दाखोवचेली गरज आसा. कार्यशाळा आयोजीत करून विचारांचें देवण घेवण जायत रावल्यार ह्या कार्याक नेट मेकपाक शकता. एकान्तान काव्य रचुंयेता पूण काव्याक गीताचें स्वरूप दोवपाक कित्येकानीं एकजीव जावचेली गरज आसा. ज्या तरनाट्यांक आपली प्रतिभाशक्त फुलताशी दिसपाचो अणभव मेळूंक लागला तांकां सांगपाचें म्हळ्यार त्या थाराचें लिखाण आपल्याकडेन घडचें ना म्हुण फाटीं रावूं नाकात. जिणेंतलो एकेक खीण स्फूर्त दिवपी आसता. प्रत्येक गजालीचेर बारीक लक्ष दवरपाक जाय. नवीं उत्रां पुंजायत रावपाक जाय. कांय वेळ लहरी वातावरणांत स्वताक शेणोवन घेयात आनी बरोवपाक सुरू करात. लिखणींक आपशीच झेत माळपाक लागतलो. बरयात आनी बरयत रावात म्हणजे जैत तुमच्या पायांसरीं येतलें आनी एक दिस सगलो संवसार तुमकां तोखेतलो.

• • •

गोंयां उर्दु भाशेचेर कोंकणीचो प्रभाव

गोंयां चडान चड मुसलमान लोक घरांत जी भास उलयतात ती उर्दुची एक बोली म्हूण मानतात. खऱ्या अर्थांत ती 'दखणी' जावन आसा जाचो वापर विशेश करून दक्षीण भारतांत म्हळ्यार हैद्राबाद, मैसूर, हुबली-धारवाड आदी सुवातीनीं जाता. 'दखणी'क उर्दुची बोली म्हणप सारखें न्हंय. खऱ्या अर्थान उर्दु भास ही दखणीची पोटभास जावन आसा अशें म्हणुंयेता. उर्दु जी पर्सो-अरबी लिपींत बरयतात आनी हिंदी जी देवनागरींत बरयतात, ह्यो दोनुय भासो 'खडी' बोलीचे विंगड विंगड नमुने जावन आसात. खडी बोली उत्तर भारतांत दिल्ली, मिरठ आनी हेर कडेन उलयताले आनी ल्हव ल्हव करून ती दक्षीणेंत पावली आनी प्रजा आनी राजकर्तल्यानींय ती आपणांयली. जेन्ना पर्सो-अरबी उलोवपी राजकर्त्यांची भारतांत राजवट स्थापीत केली तेन्ना भैतेक उत्तर भरतीय भासांचेर फारसी आनी अरबी भासांचो प्रभाव पडपाक लागलो. जेन्ना पर्सो -अरबी भासांचो प्रभाव बरोच वाडलो तेन्ना खडी बोलीक उर्दुचें स्वरूप प्राप्त जालें.

दखणी जी खडी बोली पासून उतरली तातूंत २० ते ३० टक्के प्रादेशीक भासांतले शब्द जुळल्यात. म्हण्टकच आंध्रांत तेलगु शब्द, कर्नाटकांत कन्नड, महाराष्ट्रांत मराठी आनी गोयांत कोंकणी. मुसलमान लोक आपली आवयभास म्हूण हे भाशे कडेन आत्मसाथ जाल्यात.

अशे मानतात कीं दखणी हो शब्द 'देक्कानी' म्हणजेच दक्षीण भारतांत रावपी लोकाक संबंदीत आसा. गुजरातचो वाठार त्या वेळार दक्षीण भारताचो भाग जावन आसलो आनी थंय सुमार ४०० वर्सां (१३५०-१८५०) दखणी एक गिरेस्त सांसकृतीक भास जावन आसली.

उप्रान्त १६८७-आंत जेन्ना गोलकंड मोगल बादशांच्या शेका तळा आयलें तेना दखणी भाशेचें म्हत्व ल्हव ल्हव करुन उणे जालें आनी शेवटाक तिचो उर्दुची पोटभास म्हूण उल्लेख जावपाक लागलो. २०व्या शेकड्यांतले केरळचे हिंदीचे गिन्यानी डॉ. महम्मद कुंज मेत्तर हांच्या मता प्रमाण अधुनीक हिंदी भासुय दखणीची पोटभास जावन आसा. डॉ सुनितीकमार चट्टोपाद्यायांच्या मता प्रमाण दक्षीणेच्या प्रभावान उत्तर भारतांत ब्रज भाशेची सुवात खडी बोलींन घेतिल्ली. बारीक पळयल्यार हिंदी हें नांव लेगीत दक्षीण भारतांतल्यान अस्तित्वांत आयलें. तमीळचे जाणकार काझी महम्मद बहारी हाणीं आपले 'मन लगन' हे सुफी काव्य रचनेंत दखणी भाशेक हिंदी म्हणपाक सुरू केलें.

१३४७-आंत हसन बहामनी गुलबर्गचे राजकर्ते जाले आनी बेगिनूच बहामनी राजवट (१३५०-१५२५) भौच शक्तिवंत जावंक पावली. त्या वेळार हे राजवटीची राजकारभाराची भास दखणी जावन आसली. १४७०-आंत गोंयां, बहामनी राजवटी वेळार, सगले कडेन बऱ्याच व्हडा प्रमाणांत दखणी भाशेचो प्रसार जालो.

गोयंत उर्दु भाशेचेर कोंकणीचो प्रभाव बारिकसाणेन पळोवचे आदीं एक उधारण म्हूण आमी राष्ट्रभाशेचेर धांवती नदर घुंवडावया. जसो जसो काळ बदलता तसो तसो एका भाशेचो दुसऱ्या भाशेचेर प्रभाव कसो पडटा तो राष्ट्रभाशा हिंदीच्या बदलत्या स्वरूपा वेल्यान दिसून येता. हिंदीच्या जाळवंदारानीं नोंद करून दवल्लां ते प्रमाण जेन्ना भारतांत मोगल राजांचें शासन स्थापीत जालें तेन्ना १५००-१८०० च्या सुमाराक तांगेल्या भाशेचो प्रभाव साबार भारतीय भासांचेर पडपाक लागलो. विशेश रूपान हिंदींत फारसीचे सुमार ३५०० शब्द, अरबीचे सुमार २५०० सब्द, पश्तू भाशेंतले लागी-लागीं ५० शब्द , तुरकी चे १२५ शब्द हिंदीच्या शब्दावळींत सामील जाले. जेन्ना युरोपी राष्ट्रांकडेन वेपार वाडपाक लागलो तेन्ना स्पेनीश, पुर्तुगेज, फ्रेंच, इंगलीश आदी भासांचो हिन्दीचेर

प्रभाव पडपाक लागलो आनी जेन्ना भारतांत इंग्लेज राजवट आयली तेन्ना सान इंग्लीश भाशेंतलीं उत्रां भरगच्च भल्लीं. आयज हिंदी उलयता आसताना लोक "हवाई अड्डा" म्हणचे बदला "मैं एअर पोर्ट पर जाता हूँ" म्हणपाक चड पसंत करतात. "आय लव्ह यू" हें वाकप्रचार देशांतल्या गांवगिरी वाठारांत लेगीत लोकाच्या जिभेर खेळटा. तेच भशेन टेलेफोन, रेल्वे स्टेशन अशे अनेक शब्द व्हडा प्रमाणांत आचरणांत आयल्यात. मंगळुरांत कोंकणी भाशेंत लेगीत "म्हाका आवडटा" म्हणचे बदला "म्हाका लायक जाता" म्हण्टात तें लक्षांत आयल्या बगर राव ना.

भारतांत भक्ती आंदोलना वेळार खूब परिवर्तन घडून आयले आनी कित्येक संत साहित्यांत जें लेखी भाशेंत नांत तीं लोकांच्या बोलींतलीं उत्रां साहित्य निर्मीतींत आयिल्लीं सापडटलीं. ह्याच वेळार ब्रज भाशेंत काव्य रचना जांवक लागल्यो जाका आयच्या काळाच्या साहित्यची मुख्यधारा म्हूण लेखता. ह्याच काळांत दखणीचें रूप फुडें आयलें. ह्याच वेळार महाक्वी तुलसीदास, संत सुरदास, संत मिराबाय, मलीक महम्मद जायसी आदींचें साहित्य भोवच लोकप्रिय जालें. ह्याच वेळार रामचरीत्मानस सारखेलो ग्रंथ जगभर पर्जळीत जालो. म्हणजे दखणी जिका आयज गोंयां आमी उर्दुची बोली म्हूण वळखतात तातूंत जागांतल्या अनेक भासांतलीं उत्रां सापडटलीं; प्रामुख्यांत कोंकणी आनी पुर्तुगेज उत्रां जीं कोंकणींत देविल्लीं आसात. गोंयां दखणीक उर्दुची बोली म्हूण मानतात. गोंया उर्दुची ही बोली जी आचरणांत आसा तातूंत कोंकणी उत्रांचो परमळ जाणवता. वाक्याचे बांदावळींत वा उलोवपाचे पद्धतींत कोंकणी भाशेचो प्रभाव दिसून येता. देखीक गोंयच्या कांयकडेन मुसलमान भाव-भैणां उलयतात ताचें उधारण म्हूण एक वाक्या घेंवया. "व्हां देखो भिंतीमीं बुराक हांय नांजी, उस मीं चुव्वा घुसनारा." शुद्ध उर्दुंत हें वाक्य जातलें तें अशें: "उधर देखिए, दिवाल मे सुराख है ना, उस में चुहा घुसेगा." दिवाल च्या बदलाक गोंयच्या उर्दुंत "भिंती" हो वणत वा वण्टी वेल्यान आयिल्ल्या शब्दाचो वापार

जाला. तेच भशेन सुराखच्या बदलाक बुराक हो शब्द वापरला. नोंद घेयात कीं "है ना"च्या बदलाक "हांय नांजी" हीं नांकी उत्रां आयल्यांत. हो कोंकणी भाशेच्या नाकी सभावाचोच प्रभाव जावन आसा.आतां गोंयचे उर्दु बोलींत रचलेली म्हजी एक मौजेची काव्य रचना पळोवया:

बडे बापका बेटा बल्तैं
तल्ले जातैं उप्पर आतैं
आगे आतैं पिच्छे जातैं
तू क्या करनीकु ढुंडतैं?

हांगा लक्ष दिवन पळेयात. हें सगळेंच काव्य नाकी जावन आसा. निमाळ्या वळींचेर लक्ष दिल्यार दिसून येतलें कीं "तू कितें करपाक सोदता" अश्या कोंकणी वाक्याच्या प्रभावान " तुम क्या करना चाहते हो"च्या बदलाक "तुम क्या करनेको ढुंडते हो?" अशे परीं वाक्यान मोड घेतल्या. म्हणजेच कोंकणीच्या प्रभावाक लागून "चाहना" च्या बदलाक "ढुंडना" ह्या क्रियापदाचो वापर जाला आनी वाक्य " तू क्या करनीकु ढुंडतैं?" अशें जालां.

तू तांबडी इन्गलीश मारतैं
तू आदी कालसांव डालको फिरतैं
तू कोदिगांके बातां करतैं
तू क्या करनीकु ढुंडतैं?

उर्दु पेन्टीक कालसांव म्हणनात वा "कोदिगां" म्हूण उतर नाच. पुर्तुगेज भाशेंतलीं कांय उत्रां जी कोंकणींत देवल्यांत तांचो जश्याच तसो वापर गोंयां उर्दु भाशेंत जाता.

हांवें पळयलां की कर्नाटकांत, विशेश करून मंगळुरांत क्रिस्तांव लोक "तू येताय गी?" वा "तो गेलो गी?" अशे तरेन प्रस्न विचारताना "गी" ह्या

शब्दाचो वापर करतात. आनी उर्दु बोलींत हुबळी-धारवाड वाठारांत आतैंगी वा जातैंगी अशे तरेन प्रस्न विचारतात. खरें म्हळयार उर्दुंत "आते हो क्या" वा "जाते हो क्या" अशें जावपाक जाय आसलें. पूण गोंया "गी"य ना आनी "क्या"य ना. कोंकणीच्या प्रभावाक लागून प्रस्न विचारताना शब्द वोडून उलयतात.

देखीक:

"तू मेरे संगत मडगांवकु आतैंऽऽऽ...?" वा तेरा बेटा दुबैकु जातैंऽऽऽ..?" अशे परीं.

शाळेंतली चली रागान सांगता: "मैं नैं आती वच!" म्हणजेच "हांव येना वस्स" हे भशेन वच वा वस शब्दाचो वापर करून कोंकणीच्या मोडींत उर्दु उलयतात. कोकणीत आचरणांत आशिल्ले शब्द देखीक "मिस्कूट", "कदेल", "जनेल", "कांदा" वा कांदो" अशे अनेक शब्द गोंयच्या उर्दु बोलींत भल्ल्यात. गोंयां कोंकणी भाशेच्यो विंगड-विंगड मोडी उर्दुंत आपशींच देंवल्यात.

तोंडाक रूच हाडपी पदार्थ म्हणजे "सुंगटांचें किस्मूर", "बांगड्यांचें आंबटतीख" वा "खळांतलीं तोरां" हांचो गोंयच्या मुसलमान समाजाच्या जेवणखाणांत आसपाव जाता. "जेवलो? आयज तोंडाक कितें आसले रे?" अशे कांय प्रस्न सभावीक पान कोंकणी समाजांत घोळटात. तेच परी उर्दु उलोवपी समाजांत कोणूय मेळ्ल्यार "खाना हुवा, आज मूं कू लगानी क्या हाता रे?" काय म्हूण सहज विचारतात. हेर कडेन उर्दु उलोवपांत "मूं कू लगानीं" म्हणजेच "तोंडाक लावपाक" ही उत्रावळ केन्नाच सापडपाक ना. कोंकणी शब्द, कोंकणी उलोवपाच्यो अनेक मोडी, कोंकणींची विशिश्ट अशी नाकी उत्रावळ अश्या समस्त कोंकणीं वातावरणाच्या

प्रभावान गोंयची उर्दु सोबल्या.

अशे परीं घडून आयिल्ली भास गोंयच्या मुसालमान समाजाक मानवता. उर्दुची हीच बोली जी कोंकणीमय जाल्ली आसा ती लोकाक गोड लागता. ती तांकां आपले मजगतीं खाशेलपण उपलब्द करून दिता. ती तांकां कोंकण किनारपट्टीवेल्या कोंकणी वातावरणाकडेन जोडटा. देखून सर्वकाळ मेरेन ती अशीच सोबून उरतली हातूं दुबाव ना. अशें म्हण्टा आसताना मनोहररायांल्या कवितेंतल्या उत्रांचो उगडास आयल्या बगर राव ना.

"कितलीं कितलीं मोडां आयलीं,
खोंप म्हजी हल्ली पुणून हुबली ना!"

•••

हावें अणभविल्ले

गोंयचे बदलते जिवीत शैलीचेर धांवती नदर

गोंयचे जिवीत शैलीचें खाशेलेपण म्हणजे शेंकडयानीं वर्सांच्या सभ्यतेचें चित्र तातूंत झळकता. गोंयकारांच्या वावराक लागपाची वा गोंयकारांच्या हालचालीची गती जरी धिमी आसली तरी वेगवेगळया क्षेत्रंनी उत्कृश्टताय जोडपाच्या वावरांत गोंयचे मनीस फाटीं उरूंक नांत. राश्ट्रीक आनी अंतरराश्ट्रीक मळांचेर गोंयकारांचें अस्तित्व जाणवता. पुर्तुगेज राजवटीक लागून लागी-लागीं साडेचारशें वर्सां गोंय भारताच्या हेर भागां पासून अलिप्त उल्लें आनी आगळ्या वेगळ्या सभ्यतेच्या प्रभावान ह्या काळांत हांगचें सांस्कृतीक जिवीत इल्लें वेगळ्या रंगान रंगलें. अभिमान दिसपा सारकी गजाल म्हणजे हांगचे पुण्य धतरिर मोगाळ आनी म्होंवाळ सभावाचें जतन जालां.

गोंयचे लोक गिरेस्त नैसर्गीक संपत्तीचे आनी आनी तितलेच गिरेस्त संस्कार आनी संस्कृतीचे धनी जावन आसात. देखुनूच सबंद संवसाराक आमचे सर्रीं आकर्शीत करपाक आमकां साद्य जालां. गोंय हें विंगड-विंगड समुदायेच्या लोकांचें जिवीत जगपाचें ठिकाण. धर्मीक समुदाय पळेले जालयार विशेश करून हिंदु, क्रिस्तांव आनी मुसलमान समाजांतल्या लोकांचें चित्र आमच्या मुखार येता. हांगासर हेर धर्मांच्या भावार्त्यांचो आंकडो साप उणो. गोंयची जिवीत शैली म्हणजे ह्याच मुखेल समुदायेंतल्या संस्कृतीक जिवीताचें समूह रूप जावन आसा.

जसो जसो काळ बदलत गेलो तशें तशें जिवनाच्या शैलींत कांय बदल

येयत रावले. हें सभावीक. पोन्नी पारंपरीक न्हेसणां गेलीं आनी नवीं अधुनीक प्रकारचीं न्हेसणां आयलीं. ल्हान सान घरांच्या सुवातींचेर व्हड ईमारती आयल्यो आनी लोक फ्लेटानीं रावपाक वचूंक लागले. त्या भायर सदांची पेज वा शित-कडीच्या बदलाक "फास्ट फूड"-आचो वापर करपांत लोक रूची दाखोंवक लागले. नवीं अधुनीक खेळां मैदान आयले आनी फुटबाल वा हेर लोकप्रिय खेळ उणे जायत गेले. तेच परीं लोक आदीं ताबलानीं खेळटाले, तरनाटे गड्डुयानीं वा कोंयडे-बालानीं खेळटाले. हे खेळ ना नपैत जाले. क्रिकेट, हाकी, बेडमिन्टन आदी खेळ लोकप्रिय जावपाक लागले. प्रवासाचीं साधनां जाल्यार साप बदल्लीं. बैलगाडे वा कामियांव नाच जाले. सायकलींची सुवात चड करून स्कूटर वा मोटार सायकलींनीं घेरिल्ली नदरेक येता.

गोंयचें साठेक वर्सां आदींचें चित्र पळयल्यार गोंयच्या शारानी दादल्यां मदीं कोण हिंदु आनी कोण क्रिस्तांव आनी कोण मुसलमान हें वळखूंक कठीण आसलें. कारण सगळयांचे न्हेसप एकाच प्रकारचें आसलें. म्हणजे खोमीस आनी काल्सांव; म्हणेजेच पेन्ट आनी शर्ट. शेजारच्या प्रानतानीं, विशेश करून बेळगांव वा धारवाडा भशेन पुडवीं न्हेसपी दादले साप उणे. वेळेर खारवीभाव कश्टी न्हेसून रापोण ओडटाना दिस्टी पडटाले आनी थंयसर बायलो कास मारिल्ले व्हडल्या तांबड्या घागऱ्यानी दोळ्यां मुखार येताल्यो. असलें तेन्नाचें तें चित्र आतां दिसना. गावडी वा कुणबी लोक आपल्या पारंपरीक न्हेसणानी जळीं मळीं दिसताले तेय आतां त्या वस्त्रानीं दिसनात.

एक म्हत्वाची गजाल म्हणजे त्या वेळार सगल्याक मायेमोगाचें वातावरण नंदिल्लें आसलें. कोणाय एकल्याचें नळ्यांचें घर शिंवपाचें आसल्यार सोपेपणान मानाय मेळटाले इतलेंच न्हंय तर शेजारी-पाजारी

हातभार लावपाक फुडें येताले. एखाद खंयचेय चलियेचें लग्न आसल्यार सगलो गांवचो लोक आपल्याच घरांत आपलेच भयणीचें लग्न आसा अशें समजून माटोव उभारपाच्या कामाक लागताले.

एक मतींत दवरचेली गजाल म्हणजे गोयां लागींलागीं सगळ्यांची भास जरी एक आसली तरी संस्कृताय एक न्हंय. वेगवेगळ्या रितीरिवाजांच्या समूह रूपकाराची गोंयची संस्कताय. लग्नां, काजारां आनी मुसलमान जमातींतल्या समाजांतलीं शाद्यां एक न्हंय. लग्न पद्धती वेगवेगळ्यो जावन आसात. हाल्लींच कोंकणीचे नामनेचे बरोवपी बोन्वेतोर द पियेत्रोबाबान "सांकोळ" ह्या माथाड्या खाल काजारांचेर एक भेस बरें वर्णनात्मक पुस्तक उजवाडाक हाडलां. आतां जेन्ना "फास्ट फूडाक" प्रोत्साहन मेळटा ते भशेन आताचीं काजारांय "फास्ट". व्हंकलेक वा न्हवऱ्याक सजोवप, एकठांय बसून गितां गावप आनी रोस लावप अशें हें रात भर चलतालें. हे उत्सव म्हणया, फकत माटवांत घडोवन हाडटाले. अश्या वेळार आपुलकेची भावना व्यक्त जाताली. आतां भशेन घराक भेट दीनासताना फक्त हॉलांत वचून आयले म्हणटकच जालें काजार अशें न्हंय. तेन्नाच्या गोंयच्या जिवन शैलींत पदेर आनी रेंदेर दिश्टी पडटाले. माडाची सूर काडपाक दामणें घेवन माडार चडटा आसताना रेंद्राच्या वोंठार जीं कातारां घोळटालीं तीं सगल्यांक आयकूंक मेळटालीं. तेन्नचे पदेर आतां भशेन डबे घेवन सयकलीचेर येनासले. तेनाचो पदेर माथ्यार पाटें घेवन आनी हातांत खिळखीळे आशिल्लो दांडो घेवन येतालो.

म्हज्या भुरगेपणांत सगळीं दुकानां रातच्या आठां पयलीं बंद जातालीं. चडशा घरानीं बिजली नासली. म्हणटकूच न्हिदपूय बेगीं जाताले. फकत तियात्र, नाटक जात्रा वा उरूश आसल्यार लोक रातभर जागताले. त्या वेळार मनोरंजनाचीं साधनां भोव उणीं आनी प्रवासाची साधनांय आतां भशेन नासली. ५० वर्सां आदीं स्कुटर उपल्बद करून घेवपा खातीर ३-४

वर्सां रावचे पडटालें. कम्पल्सरी हेल्मेट चो प्रश्नूच नासलो पूण सायकलीक कापीण आनी रातच्या वेळार फुडलो दिवो सक्तिचो आसलो. टी.व्ही. तर नासलीच, रेडियोय साप उण्यां लोकां लागीं आसले. पश्चिमी संगीत लोकप्रिय जाल्लेंच. मात्सो पस्चिमी संगीताचे स्वर आशिल्ल्यान तरनाट्यांक तीं खूब मानवतालीं. आल्फ्रेड रोजाक त्या वेळार कांतारांचो राजा म्हूण मानताले. त्या भयर रिटा रोज, जासिन्त वाझ, एम. बॉयर, आलेन कॉश्ता, जॉनी सिल्वेस्टर, थोमाझीन कार्दोझ आदी कांतोरिस्त भौच लोकप्रीय़ जाल्ले. मागीर लोर्ना नांवरूपाक आयलें. हिंदु जमातींतल्या घरानीं भोवकरून नाट्य संगीत लोकप्रिय आसलें. खूबशा घरानीं पेटी आनी तबलें आसतालें. मागीर ल्हव ल्हव करून हिंदुस्थानी संगीताचेर बसयिल्लीं कोंकणी गितां आयकूंक मेळपाक लागलीं. उल्हास बुयांवान "ओपिनियन पोला" वेळार ह्या गितांक लोकप्रियतेच्या तेंगशेर व्हेलीं म्हळ्यार अतिताय जावची ना. गीत रचना करपाक मनोहररायांच्या लिखणीक धार आयिल्ली. ह्या मळाक विजयाबाय सरमळकार, युसूफ अ. शेख, प्रकाश थळी, गजानन रायकार, भिकाजी घाणेकार आनी बाकीबाब बोरकार हांचें खूब योगदान लाबलें. मुसलमान भाव भयणी कव्वालींत रस घेताले. मुंबय आनी उत्तरप्रदेशांतल्यान कव्वालांक (कव्वाली गावप्यांक) आपोवन कव्वालीच्यो कर्यावळी घडोवन हाडटाले. मजारींच्या वाटारांत वार्शीक उरूसा वेळार ह्यो कार्यावळी बऱ्योच रंगताल्यो. मुसलमान जमातितल्या लोकां बरोबर हेर जाती धर्माच्या लोकांकय त्यो मानवताल्यो. कव्वालीच्यो कार्यावळी अजून कांयकडेन घडोवन हाडटात पूण भोव उण्या प्रमाणांत. गावां गावांत जागोर आनी लोक कलेच्यो कार्यावळी तशेंच कवी सम्मेलनाचे कार्यक्रम खूब जाताले. त्या वेळार इंत्रूझचे खेळ खूब रंगले. आतां मात "कार्नावाला"च्या नावान ताचें बाजारीकरण जालां. रवीन्द्रबाब केळेकारांक आपल्या पुस्तकाक "वेळेवेल्यो घुलो" हें नांव सुचलें. हाचें कारण म्हणजे तेन्नाच्यो स्वच्छ साफ वेळो म्हणूंयेता. त्या वेळार मांडे देखण्यो आनी घुमटांचे आवाज

गाजताले. मागीर १९७० च्या सुमाराक गोंयां "हिप्पी कल्चर" चें आक्रमण जालें आनी वेळो बुरश्यो श्यो जाल्यो. आतां सगल्याक गावांचीं शारां जाल्ली दिश्टी पडटात. शहरीकरण आनी व्हडा प्रमाणांत प्रयटणाक लागून आमचें गोंय गोंय उल्लेंना. शारानीं सोपेपणीं कोंकणी उत्रांय आयकूपाक मेळनात. ल्हव ल्हव करून हिप्पी संस्कृती गेली म्हूण जे खोशयेचे सुस्कार घेताले तांकां "केझिनो" च्या आगमनान रडूंक येवपाक लागलां. जे जे हे वायटां विरूद्ध आवाज चडोवन उलयतात ते सत्तेर आयल्या उपरान्त आपल्या तत्वांची बाजू बदलतात हें दुर्भाग्य न्हंय तर आनी किते?

आल्फोन्सो आल्बुकेर्कान जेन्नां गोय़ जिखलें तेन्नाचो काळ सोडलो जाल्यार त्य उप्रान्त फाटलीं शंबर वर्सां तरी धर्मीक कट्टरपंत गोंयच्या जिवीत शैलीचो भाग जांवक शकलो ना. आतां कांय प्रमाणांत हे मानसिकतायेन बदल घडटासो दिसपाक लागता. हें बऱ्याचें लक्षण न्हंय. जगांत कांयच कायमचें नासता. जसो वेळ वतलो तशी ही नव्या प्रभावाक बळी पडिल्ली पाडवृत्ती बदलतली अशी अपेक्षा करूं येता.

एक दोळ्यांत भरपा सारखो बदल जो म्हाका जाणवलो तो शिक्षणीक मळा वेलो विकास. पुर्तुगेज सत्तेवेळार फकत लायसियमचें शिक्षण घेवन दोतोर जावचे बदला संस्कृतचें शिक्षण घेवपा खातीर स्वातंत्र्य सैनीक पुरुषोत्तम काकोडकार गोंयां भायर गेल्ले. सांगपाचें म्हळ्यार गोंयच्या मुक्ती आदीं हांगा उच्च शिक्षणाची सोय नासलीं. मेट्रीक मेरेन शिकयताले पूण मेट्रीकची (म्हळ्यार आतांच्या एस. एस. सी. ची) परिक्षा दिवपाक गोंयां भायर वसचें पडटालें. मागीर, म्हळ्यार गोंय स्वतंत्र जाल्या उपरान्त, पुणे एस.एस.सी. बोर्डा खाला परिक्षा जावपाक लागल्यो. एकूय कॉलेज नाशिल्लें. आतां विंगड विंगड क्षेत्रांत उच्च शिक्षण उपलब्द करून दिवपाची सोय जाल्या. मडगांवां घोगळांत आशिल्लें श्रीमति

पार्वतीबाय चोगुले कॉलेज, म्हापशेंचें सेन्ट झेवियर कॉलेज, पणजेचें धेंपे कॉलेज आफ आर्ट्स एन्ड सायन्स आनी नुवेंचें कार्मेल कॉलेज ह्योच त्यो सुर्वेच्यो कॉलेजी. त्या सांगाताक गोवा मेडिकल कॉलेज आनी गोवा इंजिनियरीग कॉलेज आनी गोवा पोलिटेक्नीक ह्यो शिक्षणीक संस्था सुरू जाल्यो. गोयांतल्यो ह्यो सगल्यो कॉलेजी मुक्ती उपरांतच्यो. ह्यो सगल्यो कॉलेजी मुंबय युनिवरसिटी खाला चलताल्यो. कांय तेंपा उपरान्त पणजे कोमर्स कॉलेज स्थापीत जालें. त्या भायर एम. ए. वा एम. एस. सी. मेरेनचें शिक्षण दिवपा खातीर पणजे "पोस्ट ग्रेज्युयेट सेन्टर" सुरू केल्लो. कायद्याचें शिक्षण भोवच उसरां म्हणजे १९७२च्या सुमाराक सुरू जालें ताका लागून गोंय मुक्ती उपरान्तुय कायद्याचें शिक्षण घेवपाक विद्यार्थी मुंबय किंवा धारवाड वताले. गोंय मुक्ती उपरान्त ओपिनियल पोल जावन लेगीत महाराष्ट्रवादी गोमंतक पक्षाचें सरकार खूब तेंप चल्लें. कोंकणीक ह्या सरकाराचो विरोध आसलो. तरी कोंकणी भक्तांच्या यतनांक आनी हट्टाक लागून शाळानीं कोंकणी विशय सुरू करपाक पर्वानगी मेळ्ळी आनी मागीर कोंकणी माद्यमुय सुरू जालें.आयज गोंया स्वताची युनिवर्सिटी आसा. आयज कोंकणी विशयांत एम. ए. मेरेनची पद्वी घेंवयेता. कोंकणींतल्यान डॉकट्रेटूय करपाक मेळटा. शिक्षणाच्या प्रसाराक लागून गोंयच्या जिवीत शैलींत बदल आयला हातूंत दुबाव ना. पूण अजून गोंयांक बादक थारपी कांय मुळाव्या प्रस्नांचेर विचार करचेली गरज आसा.

आदीं गोंय पांचवेंचार आशिल्लें. अजुनूय आसा. खूब कडेन झाडां पेडांचेर कुराड पडून लेगीत अजून गोंयचें सैम भोंवडेकारांक आकर्शीत करता. कांय दीस आदीं मोझांबीकांत नामना जोडिल्ले आनी थंयसल्ले स्वातंत्र्य चळवळींत भाग घेवन थंय मंत्री म्हूण वावरिल्ले गोंयचे सुपूत्र डॉ. ऑश्कर मोन्तेरो गोंयाक भेट दिवन गेले. ताणीं म्हळें: गोंयचें पांचवें सैम पळोवन मन प्रसन्न जाता.

. "People appear living in harmony with nature, this should not be changed. It is not proper to have skyscrapers everywhere,"

अशे तरेन डॉ. मोन्तेरोन आपलें काळीज उक्तें केलें. ताणीं व्यक्त केल्ले भावनेची नोंद गोंयकार घेतले म्हूण आस्त बाळगूंया. गोंयकारानीं राखून दवरिल्लें निसर्गीक सैंदर्य पळोवन जितली तांकां खोशी जाल्ली तितलीच खंत भोवमजली ईमारती पळोवन ताणीं उक्तायिल्ली. ताणींच न्हंय तर हे आदींय कितलेच शा जाळवंदारानीं हे विशीं चिन्ता उक्तायल्या. गोयांक "कॉंकरिट चें जंगल" करपाक दिल्यार गोंयचें खाशेलेपण वतलें आनी अभिमान बाळगुपी आमी मागीर आमी उरपाक नांत. हे विशींच्यो शिटकावणी आमकां मेळत आसात. विकासाच्या नावान कोणांकूय कितेंय करपाक सूट दिल्यार आमगेल्या जिवीत शैलीचेर घातक परिणाम जावचे नांत मूं हाची दखल आमकां घेवचीच पडटली.

• • •

अभिप्राय

(१) उदेन्ती किर्णां लिकलिकूंक लागल्यांत

झंय सगलो संवसार सैमीक सौंदर्या मुखार नतमस्तक जाता, मान बागयता, आदरमानान दिमी मोड्टा, तें आमचें गोंय. गोंयचे भूंयेर जे तरेन सौंदर्य देंवलां तेच परीं हे पुण्य भुंयेर आंगापांगांत प्रतिभेचीं किर्णां घेवन कांय मनशानीं जल्म घेतला. अश्या मनशांच्या वळेरींत कोंकणी भक्त पंढरिनाथ दामोदर लोटलीकार हाचें नांव सहज येता.

फकत गोंयचें वर्णन गावन हे म्हालगडे वगे रावले नात. हाडामासान जे भूंयचे आमी धनी जावन आसात थंय परकी सत्तेन आपली हुकमशाय चलोवप हे खंयच्याच स्वाभीमानी मनशाक मानवचें ना. पूण आपले प्रतिभाशक्तीच्या पालवान व्हडा धाडसान हाचे आड आवाज उठोवप आनी लोकां मदीं जागृताय निर्माण करप, आपलो पुरुशार्थ सदांकाळ राखून दवरपाक प्रेरीत करप, स्वातंत्र्य लढ्याचो इतिहास लोकामुखार दवरून तांच्यांत देशप्रेम आनी स्वाभिमानाची भावना निर्माण करप अशें भोव थोड्यांक शक्य जाता. गोंच्या मुक्ती उप्रान्त कोंकणी काव्याक झरोसो फुटलो म्हणल्यार अतिताय जावची ना. हांव हे प्रक्रियेक गवाय आसा. तरण्या पिरायेचेर तरनाटपणाक लागु अश्या विशयांचेर कविता स्फुरून येतात. पूण पंढरिनाथ दामोदर लोटलीकार हाची प्रतिभाशक्त फुलून आयली ती राशट्रभक्तीच्या पान. आपल्याक जें काव्य स्फूरता तें जो मेरेन प्रभावशाली रुपान लोका मेरेन पावना तो मेरेन लोकजागृती निर्माण करपाचो ववर अर्दकटो हें मतींत दोवरुन "तांकां आमचें नमन" ही संगीतीका बरोवन ताणें आपूण जावन फुडाकार घेवन लोका मुखार दवल्ली. पयलो प्रयोग व्हडा दबाज्यान मडगावां जालो आनी मागीर एका

फाटीं एक अशे कार्यक्रम जायत रावले. कोंकणी भाशेच्या मळार राश्ट्रभक्तीचेर आधारीत हें पयलें वयलें संगीत रूपक.कोंकणी साहित्याक हें पंढरीनाथबाबालें अप्रूप अशें योगदान. पुरायपणान ही संगीतिका देशप्रेमाचेर आधारीत आसून स्वातंत्र्य चळवळीचो तशेंच गोंयच्या मुक्तीसंघर्शाचो इतिहास तातूंत चिंतारिल्लो आसा देखून हें कार्य अधीक म्हत्वपूर्ण थारता.

कोंकणी भाशेच्या चळवळींत सक्रीय पंढरीनाथबाबान विवीध विशयांचेर बरप केलां आनी तांचें लिखाण अनेक रोमी आनी देवनागरी लिपींतल्यान प्रसिद्ध जावपी नेमाळ्यानीं उजवाडाक आयलां, येत आसा. १९६६-६७ सालांत गोंयचें वेगळें अस्तित्व साबाळून दवरप आनी कोंकणी भाशेक मानाची सुवात मेळोवन दिवप हे दिकेन "ओपिनियन पोल"-आ वेळार मडगांवां विरोधकांचे आघात पंढरबाबान सोसल्यात हाचो उल्लेख केल्या बगर रावंनजो. आयज जेन्ना कोंकणी चें स्थान उंचल्या थरार पावलां तेन्ना हे गजालीची नोंद घेवपी कोण ना सो जाला. पंढरबाब आपले एके कवितें असो शेरो मारता:

उडत्या पाख्यांचीं कसां मेजपी तूं!
पाळां, मुळां, कारणां, उपाय तूंच बरें जाणां
पुण सत केन्ना जाणलेंचना!

फकत यादींत शेणत रावप आनी कोणाक शिणनासताना मोन्यानींच वावराची ज्योत प्रज्वलीत दोवरप हें धोरण आपणायिल्ल्यान आयज मेरेन पंढरबाब व्हडा निश्ठेन कोंकणी सरस्पतीची सेवा करपाक पावलो. शिक्षण आनी हेर विश्यांचेर हिस्पाभायर ताणी आकाशवाणीवेल्यान कार्यावळी सादर केल्यात. आकाशवाणी, दूरदर्शन आनी गोंयां तशेंच गोंयाभायर अनेक कवी-संम्मेलनानीं ताणीं वांटो घेतला. इतलेंच न्हंय तर भारता भायर जर्मनी सारख्या देशांत लेगीत ताणीं आपल्या कोंकणी कवितेंचो गाज गाजयला.

दूरदर्शन प्रसारणमाध्यमांत केन्द्रसंचालक म्हूण वावर करून सेवानिवृत्त जावपी पंढरीनाथबाबा लागीं विद्वत्तेचें बळ आसा. तें तांच्या काव्यांत झळकता. सृजनशीलता, कल्पनाशक्त आनी बुद्वत्ता हांच्या पालवान तांचे काव्य गिरेस्त जावपाक पावलां हातूंत दुबाव ना. अधीक म्हत्वाचें म्हणजे तांचे लागीं जो कोंकणी शब्दभांडार आसा ताका लागून तांगेल्यो कवीता कांयकडेन भैच म्होंवाळ तर कांयकडेन वजनदार दिसतात आनी मनाचेर परीणाम करून सोडटात. पंढरीनाथबाबान आपल्या काव्याच्या साधनेन लोकांचीं मनां खेळयल्यांत. ते शब्दकोशांतली उत्रां वापरच्या बदलाक गावां गावांत तिट्यार उलोवपी लोकांची, माडांचेर गीतां झेलोवपी रेंद्रांचीं, शेतांतल्या चिखलांत कण्णो घालून नडणी करप्यांचीं आनी वेळेर कानार साधपी खारवी भावांचीं उत्रां वापरून भौसाच्या काळजांक स्पर्श करतात.

पंढरीनाथबाबाच्या काव्यांत विविधता आसा. अनेक विशय कवितेच्या सूत्रांत भेस बरे तरेन बसोवपाक तांकां साधलां. पंढरीनाथबाबान जिवितांत मोगाच्या मधूर खीणांचो रोस चोखिल्ल्याचें नदरेक येता. ते आपल्या तरण्या पिरायेच्या यादीं सांगाताक आपा-लिपा खेळटना सापडटात.

माणकुलें तें तरने हांशें, तेन्नां तशें आतां अशें,
तेन्ना फकत खेळा पिशें, आतां मात तुजेंच पिशें!

पंढरीनाथबाबाल्या काव्यांत आशावादाचीं किर्णां परजळटात. जागृतायेची ज्योत परजळीत दोवरपाचो वावर निश्फळ जावचो ना अशी आस्त ते बाळगून आसात. जिणेची वाट सारकी चलपाक उजवाडाची वाट दाखय म्हूण नम्रतायेन ते देवा लागीं मागतात.

हांव तुका शरण, धरतां तुजे चरण,
हांव पीसो अडाणी, तूं सर्वगिन्यान,
चुकतां तेन्नां सुदारूंक जाय म्हाका साथ!

पंढरीनाथ दामोदर लोटलीकार कितलींशींच वर्सां कोंकणी साहित्याच्या मळार वावरत आसात. लोकाक समजना असली कठीण वाक्यबांदावळी पसून सदांच ते अलिप्त रविल्लयाचे दिसून येता. सर्वसामान्य मनशांलागीं संपर्क साधपाक शक्य जालेंना जाल्यार सगलें अर्थहीन अशें मानपी ह्या कवीन "उजवाडाच्या किर्णां"ची भेट कोंकणी समाजाक भेटयल्या. पुस्तकां उजवाडाक हाडपाक आतां ज्यो सुविधा आसात त्यो आदीं उपलब्द नासल्यो देखून ज्या प्रमाणांत तांचें बरप पुस्तक पांत प्रसिद्ध जावपाक जाय अशिल्लें तें जावपाक पावलें ना. आकाशवाणीचेर तांच्या सहवासांत येवपी नांवाजते कवी शंकरबाब भांडारींच्या बाबतींतुय अशेंच घडलें. तांचो एक लेगीत कविता संग्रह उजवाडाक आयलो ना पूण ते लोकांच्या काळजानीं अमर जावन उल्ल्यात. सुप्रसिद्ध कवी वामनबाब सरदेसाय हांचेय बाबतींत तेंच घडलें. कविता संग्रह उजवाडाक येंवक पावलो ना पूण तांच्या काव्याच्या मोलाची नोंद घेवन भारत सरकारान तांकां पद्मश्री प्रदान कन गौरव केलो. मागीर ते स्वर्गवासी जाल्या उप्रान्तुच तांच्या साहित्याच्या योगदानाची जाण आयली आनी कवितां झेलो उजवाडाक हाडलो. पंढरीनाथबाबालीं "उजवाडाचीं कीर्णां" अशा अनेक गजालींचेर लक्ष ओडटात. तांच्या कविता संग्रहद्वारा नकळटां गोंयच्या सामान्य मनशाचें आनी गोंयच्या अखंड समाजाचें चित्र प्रदर्शीत जाता. तांगेल्या उत्रांचो तालमेळ आनी लय काळजाक स्पर्श करपासारखो आसा. अन तोंडार घोळपा सारख्या उत्रां सांगाताक तांचें काव्य संगीतमय दिसता.

२ खंतीचीं कवितफुलां परजळीत फुल्ल्यांत

आन्द्रेबाबाल्या कविता झेल्यांत प्रामुख्यान मोग आनी संघर्शाचें चित्रीकरण जल्लें नदरेक येता. त्या भायर ताच्यांतलो क्रांतीकार सामाजीक प्रस्न हाताळल्या शिवाय रावना. गोंयकार आनी गोंयच्या भूंयेचेर अनेक रूपान जो आघात जाला ताचे विशीं जागृताय निर्माण केल्या शिवाय ताज्यान रावूंनजो.

कितें तरी अपरिचीत घडटा. एक संवेदनशील कवी भितल्ले भितर उलयत आसता. उलयता-उलयतां कवी आंद्रे फर्नांडीस आपल्या काळजाच्या पोरसांत काळें फूल फुलयता.

दुख्खाच्या त्या सागरांत
काळीज जालें गुल्ल
बणखणींतूय रोयलो रोंपो
त्या रोंप्याक फुल्लें काळें फूल

पवीत्र मोगान बुडिल्ल्या कवीक अपेक्षाभंगाक तोंड दिवचें पडलें. हें काळ्या रंगाचें फूल म्हळयार मोगभंगाच्या उगडासाचें प्रतीक. आनी "काळें फूल" हो कविता संग्रह कवीन आपूण केल्ल्या पवीत्र मोगाचो उगडास कसो म्हूण रसीकां मुखार दवल्ला.

आन्द्रेबाब खंयूय आनी आनी कसलेय परिस्थितींत आसूं, तो सतत स्वतालागीं उलयत आसता आनी मागीर आपले लिखणीद्वारा आपले हे चर्चेचो मजकूर तो लोकामेरेन पावयल्याबगर रावना. कांय वर्सां आदीं राग ताचेर हुकम चलयतालो. आतां तो ते हुकमशायेंतल्यान मुक्त जाला. दुसर्‍या उत्रानीं सांगपाचें म्हाळयार ताणें रागाचेर जैत जोडला. रागाच्या खर वतान मनशाच्या मनार दाटिल्ली धुल्ल मोगाचो पावस पुसून काडटा. आन्द्रेबाबाल्या व्यक्तिमत्वांत मोगाचीच भास झळकता. हें तागेल्या काव्य रचनेंतल्यान व्यक्त जाता. आपल्या मनांतले विचार प्रगट करता आसताना "तिचो संवसार फुलों फळों" अशी इत्सा तो व्यक्त करता. ताची एक-एक कविता भिण्ण-भिण्ण नातीं आनी विंगड-विंगड हावभावांचेर खोलायेन उजवाड घलता. तो म्हण्टा:

हातांत धरून हात
काळीज म्हजें पेटय
तुज्या प्रेमळ काळजाची
वळख म्हाका दाखय

आंद्रेबाब सत्यवादी. सत्य आनी प्रामाणीकपणान जीण जगपाची ताका ओड लागल्या. आपल्या प्रामाणीकपणाचो ताका अभिमान दिसता. कसल्याय कार्णाक लागून कितल्याय अंतराचेर आसुंदी, प्रेयसीच्या मनाकाळजांत रिगयिल्लो मोग सदांकाळ तिगून उरता हे गजालीचेर ताका पुराय विश्वास आसा.

तुका दिश्टी पडटलो हांव
सारकें बारिकसाणेन पळयत राव
हावें थंय बरयलां म्हजें नांव!"

आन्द्रेबाबाली कवितेकडेन अशिल्ली लागण पळयल्यार अफगानिस्थानांतल्या एका नामनेच्या कवीची प्रतिमा म्हज्या दोळयां मुखार उबी रावता. थंयसर कवि अब्दुल रहीम मुस्लीम दोस्त हाणे बणखणीत दीस सारतां सार्ता २५,००० कविता रचल्यो. बणखणींत ख्यास्त भोगता आसताना ताका थंय पेन आनी पेपर लेगीत उपलब्द नाशिल्ले तरीय नोंद घेवपा सारखी गजाल म्हणजे ताणे आपल्या नाखटानीं कागदी कपांचेर कविता बरोवन दवल्ल्यो. आंद्रेबाब तेच वृतीचो कवी. ताका काव्य म्हणजें संपर्क साधपाचें साधन. काव्य म्हणजें आंद्रेबाबालें प्राण म्हणल्यार अतिताय जावची ना.

संवसारांत कांय गजाली घडपाच्यो त्यो घडटाच. तें आमच्या हातांत नासता. ताकाच आमी नशीब म्हणटात. जिवीतांत कोणाक शिणपाचें नासता हाचेरूय तो आमचें लक्ष वोडटा. तो म्हणटा:

"तो मोग जावचोच आसलो
विश्वासघातुय जावचोच आसलो
तें घडचेंच आसलें
आनी हांव हे बणखणींत पावपाचोच आसलों!"

आद्रेबाबाक काव्य शास्त्र बरे भशेन साधलां. आद्रेबाबाल्यो कांय किविता सहजपणान राग, रंग, दुख्ख, छंद आनी मोग प्रगटायतात जाल्यार कांय कविता भोवच गांभिर्यान सामाजीक वायटां विरूद्ध आवाज उठयतात. ताच्यो कांय कविता मुक्तछंदाचेर आधारीत आसात तर कांय गावपा सारख्यो लयबद्द आसात. भ्रश्टाचाराक बादून भ्रश्ट जाल्लें वातावरण ताका सतयता. तो सगल्यांक आपआपलें अंतरमन सास्पून पळोवपाक सुचयता समेस्त समाजाक उद्देशून् तो तिडकीन म्हणटा:

हो भ्रश्ट तो भ्रश्ट
आनी
तू कितें
तुवें एक्कुय रुपया
हडपलो ना?

भवतिकताय न्हंय तर विद्वत्तेकडेन आद्रेबाबाली जी ओड आसा ती ताच्या काव्यांतल्यान आपशींच जाणवता. जिवीताच्या रहस्याची आद्रेबाबाक भेस बरी जाण आसा.

"मनीस एक ना एक दिस मरतलो
बरो आसूं वायट आसूं
ह्या संवसारांत कायमचो खंय उरतलो?"

त्या देखून ह्या संवसारांत मोगाच्यो वाती पेटोवन सगल्यांच्याच घरानी उजवाडाचीं किर्णां शिरंक दिवपाक जाय अशें तो मानता. तो समाजा मुखार असोच एक प्रस्न मांडता

"रात जाली रात जाली
मळबांत पेटल्यो वाती
तो उजवाड कोणा खातीर?"

आंद्रेबाब देवभक्ती आनी प्रार्थनेंत विश्वास दवरता. देवा धन्याचेर भावार्थ आंद्रेबाबाक धैर्य आनी शक्तीबळ दिता. तो आमच्या लक्षांत हाडून दिता कीं आमी गुन्यांव करतात आनी देवचाराक बोट दाखयतात. हे वृत्ती पासून पैस रावपाक तो सुचयता कीं नरकांत वचपाची पाळी येंवनये देखून:

"अन्याय करी नाका
प्रभू येशून शिकयिल्लें प्रार्थन करीत राव
खऱ्या देवाक जाण."

जिवीतांतल्या अणभवां सांगाता आंद्रेलागीं सजनशीलता आनी कोंकणी उत्रांचें भांडवल आसा. कल्पनाशक्तेचीय उर्जा ताका लाबल्या. तागेल्या लिखणींत वाचकांचीं मनां ओडून धरपाची तांक आसा. आपल्या कविता झेल्यांतल्या प्रत्येक कवितेंत तो कसली तरी काळजाक स्पर्श करपी गजाल सांगपाक सोदता अशें दिसपाक लागता. काळया फुलाचें दर्शन घडोवपी ह्या सुपुल्ल्या पुस्तकांत आंद्रेबाबालीं कवित फुलां बरीं परजळीत फुल्लयांत. ह्या प्रत्भिावंत कवीची कोंकणी सरस्पतीची सेवा करपाची तळमळ आनी जिद्द पळयल्यार फुडाराक नक्कीच तो देशांतलो एक भौच नावाजतो कवी म्गूण नामना जोडपाक पावतलो आनी गोंयच्या धर्तरेक अभिमान जोडटलो.

३ काळजाचो आवाज आयकुपी कवीची प्रतिभाशक्त परजळटा

मिनीन अल्मेदाल्यो कवीता म्हणजे कविच्या आत्ममंथनांतल्यान भायर सरून लिकलिकपी किर्णां. हीं किर्णां कविचें व्यक्तिमत्व, ताचो सभाव आनी ताचो गूणधर्म दोळ्यां मुखार हाडटात आनी सुंदर सोबीत जिवीत घडोवपाक प्रेरणा दीत वाचप्यांच्या आंगांत शिरपाक लागतात. तागेल्या कवितेंतलो "हांव" हांवपणाचो मुज्ग वाजयना तर लोका खातीर

विवुरपाचो हावेस जोडपाचो यत्न करता. कवी लागीं अनुभवाची जोड आसा, विचार करपाची तांक आसा अनी कोंकणी उत्रांचें भांडवल आसा. तो आपले विचार मांडपाक संघर्श करता अशें दिसना. विचारां बरोबर आपशींच ताका उत्रां सुचतात. कवीन अनेक विशय खोलायेन हाताळल्यात आनी समाजांतल्या सगल्या घटकांक मानवतल्यो असल्यो कवीता प्रस्तूत केल्यात.

मिनीनबाबान आपले जिणेंत धर्मीक ग्रंथांतल्या संदेशाची लागण लावन घेतल्या हें तागेल्या कवितांचो आढावो घेता आसतना दिसून येता. धर्मीक शिकवोण आनी साबार धर्मीक परबो मिनीनबाबाल्या कवितांनीं सुवात मेळयतात. हे उदेशीं लोकाक उज्वाडाची वाट दाखोवपाचो तो यत्न करता. तो एक खडेगांठ देवभक्त. तो देवा लागीं जें कितें मागता ताजेवेल्यान ताका कवीचें काळीज प्राप्त जालां हें आपशींच दिसून येता.

देवा म्हज्या देवा
आयक म्हजो उलो
तुजोच भक्त हांव
दी म्हाका मोगा पेलो!

केद्याय व्हड संपत्ते परस मोग अधीक मोलादीक जावन आसा. मोगा परस व्हड दुसरी वस्त ना हें दाखयता आसतना मिनीनबाब एका म्हत्वाच्या गजालीचेर उजवाड घालता. आमकां अत्मीक बळ मेळटा तें आमच्या अंतस्करणांतल्यान. दरेकाच्या अंतस्करणांत ईश्वर शक्ती आसता हें तो दाखयल्या बगर राव ना.

देवान म्हणलें:
हांव तुज्याच काळजांत आदीं आसलों
पूण तुवेंच म्हाका काडून
दवल्ला खंय खंय
तूंच म्हाका सोदूंक भोवता!

म्हूण तो शिणटा आनी "मुखावेल्या काळख्या रुपाक" उजवाडाचो धोग येंव म्हूण मागता. माथ्यार बसलेल्या नरकासुराचो संव्हार जावचो आनी जिवीतांत परजळ येवचो अशी इत्सा तो बाळगिता. दुसऱ्या उत्रानीं सांगपाचें म्हळ्यार आमी आमच्यांत हावेस रिगोवपांत फाटीं उल्ल्यात देखून उजवाडाचे दिवे पेटनात हाची जाण तो जागयता आनी समेस्तांची जीण हावेसांच्या किर्णानीं भरूं अशें देवा धन्या लागीं मागपाक लागता:

ये, ये जेझू भितर म्हजे
फायची फान्तोड पेटोंवक दिंवक

ताका आपूण आपल्या शक्तीच्या क्षेत्रा भायर पावन पेटचो अशें दिसता. स्टीफन स्पेन्डर सांगता: “Great poetry is always written by somebody straining to go beyond what he can do”. आपल्या आंगणांतल्यो लोकसेवेच्यो किंटी इंगळो जावन पेटच्यो आनी आपल्याक समाजीक वावरा खातीर उपाट शक्त प्राप्त जावची म्हूण तो आशेता:

नव्या हेतान नव्या नेटान
म्हाका पेटून उठूंक जाय
जिणेचो दरेक दीस

नितीचें जिवीत जगपाक उलो दिवपी हो कवी म्हणटा कीं मनशाक बऱ्या वायटाची वळख आसप अत्यंत गरजेचें. स्वताच्या नादार संवसार जोडपाक जे धांव् धांव धांवतात ते दिशा चुकल्यात म्हूण तो खंत व्यक्त करता. आमी दुसऱ्यांचेर् वायट वा अनैतीक उत्रां शेवटून मारूंक जायना. ह्या संवसारांत आमकां एका-मेकाची गरज लागताच लागता हाचें भ्यान आमकां आसपाक जाय. अश्या म्हतवाच्या गजालीचेर लक्ष ओडीत कवी म्हणटा.

तुमी तुमकांच वळखूंक जाय
धांवपांत तुमच्या अर्थ ना
वायट बरें मोलांवक जाय!

जिवीताचें व्हडें तांडूंक
गरज आमकां दर एकाची

जसो देवभक्त तसो एक राश्ट्रभक्त म्हूण मिनीनबाबाची प्रतिमा आमच्या दोळयां मुखार येता. "भारत माते तू आवय आमची महान आमकां स्वतंत्रयेन जियेंवदी" अशें सांगत जो भ्रश्टाचार आनी धर्मवाद आमकां बादपाक लागला तोचेर तो काळजी व्यक्त करता.

आमी सगल्यानीं एकजुटेन ह्या आपत्तीजनक गजाल्यां विरुद्ध झुजपाक जाय आनी आमची स्वतंत्रताय राखपाक जाय अशें तो सुचयता:

एकजुटीन ताट मान आसा आमची उबी
अयच्या दिसा माते तुका आमचो सलाम
देशा पासत झुजतले, वायट मोडून काडटलेआमकां
उरचे नाका आनीक आतां गुलाम!

स्वातंत्र्याचो लाव घेवचे खातीर शांतीचें वातावरण नंदोवपाचे गरजेचेरय

मिनीनबाब उजवाड घालता. आमकां सत, शांती आनी अहिंसेचें म्हत्व पटोवन दिवपी युगपुरूश महातमा गांधीच्या उगडासाक तो आरगां ओंपता. तो गांधीजीक "शांतीचें वस्त्र" म्हूण लेखता. राशट्राक गुलामिंतल्यान भायर काडपाक ब्रिटीशां आड हेर कसलेच शस्त्र घेवन झुजप म्हळयार अशक्य आसलें. गांधीजीन अहिंसेच्या शस्त्रान चमत्कार करन दाखयलो हे विशीं मिनीनबाब आमकां जाणविकाय दिता.

सत्य आनी अहिंसा तत्वां घेवन जियेलो
सत्याचो मार्ग चलोंवक ताणे आमकां दाखयलो!

बाब मिनीन आलमैदा परत परत आपल्या बरोबर समाजाक आत्मसाथ करून घेता. "म्हाकाच सोदतां" हे कवितेन तो "हांव काळीज सोदूंक भोंतां" म्हूण सांगता. म्हार्गाय आनी भ्रश्टाचारान पादिसेर जाल्ल्या आयच्या समाजाचें भेस बरें चित्र ताणे चितारलां. समाजाचो हितचिंतक असो हो कवी विचार आनी कर्याची सांगड घालपाची जिद्द आपल्या काव्यांतल्यान व्यक्त करता. एका फाटल्यान एक विशय घेवन साहित्य निर्मीतींत तो तोलामोलाचें योगदान दित आसा. तो थकना, तो थकचोय ना. मिनीनबाबाल्या वैचारीक संघर्शांतल्यान भायर सरिल्ले अनेक गजालींचो नियाळ केल्यार ताच्यो कवीता म्हत्वाच्यो थारतात. आपली बुदवंतकाय आनी आपल्या काळजाच्या आवाजाक सांगाता घेवन फुडें वचपी ह्या प्रतिभावंत कवीक म्हज्यो शुभेच्छा!

४ निर्जीव लोकवस्तींत प्राण भरपी लेखक जागृतेची मशाल घेवन धांवता

कोंकणी साहित्यांत भर घालपाच्या वावरांत मिलिंदबाब काकोडकाराचें योगदान दोळ्यांत भरपा सारखें. मिलिंदबाबाच्या लिखणींत गोंयच्या

सैमा सांगाताक लिकलिकपी नेखत्रांची रसणाय देंवल्या. . देखूनुच आयज ताची प्रतिमा साहित्याच्या मळार न थांबतां परजळपाक लागल्या. एक उत्कृश्ट पत्रकार, एक प्रतिभावंत कवी, एक तेजवंत नाटककार अशा अनेक रूपानीं मिलिंदाचें चित्र दोळ्यां मुखार येता आनी कित्येक खेपे संगीतबद्द जाल्ल्या तांच्या गीतांचे साद मनाक झेलोंवक लागतात. एका बरोबर साहित्याचे अनेक आकार हाताळपाक सगल्यांक साद्य जायना. मिलींदबाबाक तें भेस बरें सादलां. आनी म्हत्वाचें म्हळ्यार साहित्याचे बाबतींत निर्जीव जावन आशिल्ल्या लोकवस्तींत, म्हणजे वास्को शारांत रावन थैंसल्ल्या जिणेच्या जिवंतपणाचीं लक्षणां ताणे दोळ्यांमुखार हाडल्यांत. ताची बरपावळ ताच्या ह्या अणभवाची गवाय दिता. आयज तो हांगा सांस्कृतीक आनी साहित्यीक मळार तळमळून वावुरता. हांगा लोकांची जीण अर्थपूर्ण करपाच्या ताच्या वावरान नेट धल्ला. आयज मिलिंदबाबाच्या पान हे लोकवस्थींत प्राण भरपी लेखक परजळपाक लागला म्हळ्यार अतिताय जावची ना.

"संगत" ह्या दोन अंकी नाटकांत मिलिंदबाबाली समाजांत जागृताय निर्माण करपाची जिद्द उक्ती जाता. ह्या नाटकांत गोंयच्या सामाजीक मळावेल्यो घडामोडी प्रदर्शीत जातात. अनेक संपर्कमाध्यमांतल्यान उगत्यो जावपी गजालींचेर बारीक नदर दोवरुन लेखकान हें नाटक बरोवपाचो यत्न केला. नाटक म्हळ्यार निखटो समाजाचो हारसो न्हंय. नाटक म्हणजे समाजाचें एक सृजनशील चित्र. तें चित्र मागीर आपल्यासरीं आशिल्ल्या शब्दभांडार आनी वाक्प्रचारांच्या पालवान रंगोवचें पडटा. लोकांच्या मानसीकतायेर परिणाम जातलो अशे प्रसंग निर्माण करुन सजोवचें पडटा. मिलिंदबाबाक हे भेस बरें सादलां देखून ताचें कार्य तोखणायेक पात्र थारता. कोंकणीं भाशेंत आचरणांत आशिल्ल्यो अनेक म्हणी देखीक "पयलीं तण घालप, मागीर गोमटी कापप", "चिकन खायात पूण हाडां गळ्यांत बांदून घेंवनाकात " अशीं अनेक वाक्यां बरपावळींत सापडटात. देखून प्रत्येक प्रवेशांत पात्रां नाटकी

भास न्हंय तर खऱ्यानींच सूटसूटीत लोकांची भास उलयतात कशीं दिसतात.
हें नाटक मुख्य रुपान अमर, अकबर, अन्थनी ह्या तिन इश्टां भोंवतणीं घुंवता. घुंवळी वखदांचे ते गूलाम. ते तिगुय सोरो आनी ड्रग्स म्हणजे मादक पदार्थांक सामके बादिल्ले आसतात. मागीर ते आपल्या पंगडांत भारताक जोडुन घेतात. हो वैजकी शिक्षण घेवपी विद्यार्थी सुर्वेक तांचो सांगाती जावपाक तयार नासता. पूण ते तिगुय नावाडगी कशे तरेन ताका आपलेसरीं ओडून घेतात आनी ल्हव ल्हव करुन भारताची कितें दूर्दशा जाता हें नाटक पळयल्यार लक्षांत येतलें. जशें जशें नाटक फुडें वता तशीं-तशीं अनेक पात्रां कथनाक जुळटात. साद्या भेसांत दामू, प्रितेच्या मोगान पिसो जल्लो पिसांट, मार्गाविल्यान वचपी सुश्मीता, काजल, रिना, दुर्गा, इन्सपेक्टराच्या भेसांत श्रीपाद, हवालदार विठोबा, ड्रग्स विकपी ढोलाकिया, मंत्रीच्या रुपान खाऊ, आवयच्या भेसांत जया, ॲडवोकेट कामत आनी त्या भायर पत्रकार अशीं अनेक पात्रां जुळटात. ह्या सगल्यांक समावेश करुन अखरेक लेखक सांगपाक सोदता कीं आमी आमच्या जापसालकीचेर दुर्लक्ष करपाक जायना. तरनाट्यांक वायट मार्गार व्हरपी अनेक नावाडगे लोक वा अनेक समाजघातक संस्था आसात. नकळटां तरनाटे आत्मघातक आनी विकृत वृतींक बळी पडटात आनी समाजाक हाचें भयानक परिणाम भोगचे पडटात. आमकां पावला पावलार सादुर रावचेली गरज आसा.

आपल्या बरपावळीच्या पालवान जागृतेची मशाल पेटोवन मिलिंदबाबान समाजाक आपलें मोलादीक योगदान दिवपाचो यत्न केला. ताका आमचो सगल्यांचो तेंको मेळपाक जाय. लिखाण उत्कृश्ठ आसा. माचयेवेले प्रयोग बरेच परिणामकारक थारतले हातूंत दुबाव ना. जिवितांत कोणाक कोणाचो सांगात मेळत हें सांगप कठीण. पूण मात्से जागृत रावल्यार आनी सरभोंवतणीं जें कितें बरें वायट घडलां आनी घडटा हाची जाण आसल्यार घातक शक्तींपासून अलिप्त रावंयेता.

• • •

९ लिकलिकपी मोतियांचो धनी अनिल कामत शंखवाळकर

म्हजो इश्ट, म्हजो जिवलग मित्र, अनिल कामत शंखवाळकराचेर बरोवपाचो सांवार आयला म्हळयार अतिताय जावप्ची ना. कोंकणी आनी इंगलीशींतल्यान एका फाटल्यान एक ताची पुस्कां उजवाडाक येयत आसात. मराठी भाशेंतल्यानूय ताणीं उत्कृश्ट लिखाण केलां आनी तांच्या कविता संग्रहाक भौ. सोमनाथ कोमरपंताची प्रस्तावना लाबल्या. जरी अनेक भाशांचेर तांचें प्रभुत्व आसलें तरी काळजा मनांत थावन कोंकणी भास आनी गोंयचो मोग तांगेल्या लिखणांतल्यान उक्तो जाल्या बगर राव ना. समाजांत ज्यो हालचाली घडून येतात ताचेर अनिलबाबाची बारीक नदर आसता. तांगेली संवेदनशिलता लोका मदीं जागृताय निर्माण करपा खातीर आपले लिखणीचो वापर करपाक तांकां प्रेरीत करीत आसता. हें अशें फाटलीं सुमार ५ दसकां सावन घडत आयलां. पुस्तक पान साहित्य उजवाडा हाडपाचें काम जरी उसरां जालें तरी ताणीं साबार विशयांचेर बरयिल्ले लेख उणे नात आनी आपल्या शालेय जिवीता सावन आयज मेरेन ते सहित्य निर्मितीच्या वावरांत व्हडा निश्टेन सक्रीय आसात.१९६७ सालांत मडगांवां कॉलेजींत आसताना साहित्य मंडळाचे सरचिटणीस म्हूण ते वावुल्ल्यात.

दोळ्यांत भरपा सारकी गजाल म्हणजे देवनागरी बरोबर तेच उत्कृश्टपणान ते रोमी लिपींत बरोवन समेस्त कोंकणी वाचक वर्गाक आपल्या साहित्यकृतिची मेजवानी दितात. हल्लीचं "मोतियां" हो तांगेलो कवितां झेलो लिकलीकपाक लागला. . एकूण् ७९काव्य रचनानीं भरगच्च भरिल्लया ह्या संग्रहांत अन्याया आड आवाज उखलपाची तांगेली चीढनदरेक येता आनी त्याच बरोबर सैदर्याचें वर्णन काळजाक कातकुल्यो करपाक लागतात उलयत्ता-उलयतां ते मोव उत्रानीं

नाज़ूक थोमणे मारताना सापडटात
तुज्या सोबीत रपाचें पडबींब

मोतीबिंदू जावन
म्हज्य दोळ्यांत रिगलें
दश्टीक म्हजे लागली तुजी नदर आनी
दोळ्यांची रसणायूच करपून गेली

अनिलबाब आपले बरपावळीद्वारा समेजसेवा करता. समाज भानाचें लिखाण तांच्या लिखणींत परज्ळटा. कोंकणी आनी इंग्लिशींतल्यान अनेक नेमाळ्यांनीं तांचें बरोवप उजवाडाक आयलां. फाटलीं कितलींशींच वर्सां पत्रकार म्हुण ते वावुरतात. आकाशवाणी आनी दूरदर्शन केन्द्रावेल्यान ताणीं काव्य वाचन आनी हेर अनेक कार्यावळी सादर केल्यात आनी करत आसात. पणजी आकाशवाणी केन्द्राचे सल्लागार समितीचे वांगडीय म्हूण ते वावुल्ल्यात.

ह्या आदीं कोंकणींतल्यान तांचीं "मोरपिसां", 'पासय', "ल्हारां" "आयकलां?" हीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. त्या भायर इंगलिशींतल्यान "IMPRESSIONS" हें पुस्तक प्रसिद्ध जालां.
कोंकणी साहित्यमळाचेर तांच्यो कवीता तोखणायेक पात्र थाल्ल्यात.
डॉ तानाजी हळर्णकर म्हणटातः

अनिल कामत शंखवाळकराची कविता एका अस्वस्थ मनशाच्या समाज– भानाची. एका नितळ , निरागस वातावरणांत घर बांदपाचो हावेस धरून राविल्ल्या कवीक जेन्ना अन्याय, अत्याचार आनी अधर्म दिसता तेन्ना तो निन्हळटा. स्वताचेर उबगता. संवसारेचेर तिडकता.पूण कांय खिणच.

जा तूं बळिश्ट
नतमस्तक जांवक जाय तुजेमुखार
खंयचेय अरिश्ट

म्हणून सांवरता.

उमाशेच्या किण्ण काळखांत
मळबांत उदेंतली नखेत्रांची शिकां

हो आशावाद बाळगिता.

कविता तशो मुक्त –छंदी.
तराच्यो जोडयो लावपाचो सोस उणो

केल्लो तर ही लयकारी आनीकय बरी जमपाची. सदच्या संवकळीच्या आशयांचेर उब्यो जाल्ल्यो ह्यो कविता सामान्य मनशाचे भावतरंग समर्थपणान उक्तायतात.देखून तांकाएक मास अपीलींग टच (mass appealing to uch) आयला. हो टच ह्या कवितांचें बलस्थान जालां.

सहित्य अकदेमी पुरस्कार विजेते श्री तुकराम रामा शेट तांगेल्या "पासय" ह्या कविता झेल्याचेर आभिप्रय दिता असतना म्हण्टातः कवी अनिल कामत शंखवाळकराचें बहुयामी व्यक्तिमत्व तांच्या कवितानीय दिसता. ते एक संवेदनशील कवी, जागरूक नागरीक, अन्याय, अत्याचाराचेर लिखणी उबारपी पत्रकार, गोंयच्या प्रस्नाविशी जाण आशिल्ले नीज गोंयकार, पर्यावरणाचेर मोग करपी आनी गरीब दुबळ्यांची करूणा आशिल्ले आनी ते खातीर मनशाच्या व्यथांचेर कविता बरोवपी मनीसपणाचे कवी.

ते आपले जिणेत मनशांच्यो वेगवेगळ्यो व्यथा पळयत आसात. त्यो पळोवन ते खंती जातात, फास्तीयार जातात आनी तांका रावूं नजो जावन रातचे निदील्लेकडेन लेगीत उठून ते कविता बरयतात. तांचो हो घुस्मटमार खंयच्याय वखतार कवितेंतल्या प्रगट जाता. अशे तरेन कविता तांच्या जिवेताचो प्राण जाला. मनशाक लागपी सगल्या विशयांक तांचे मत स्पर्श करता. ते व्यथांक, कथांक आनी तरेतरेच्या जाणिवांक आपल्या मनांत केळयता आनी मागीर तांच्यो कविता भावना, विचारांसयत जल्म घेवन येतात.बाँबस्फोटांत एका खिणांत जाल्लीं मर्डी आनी शवघरांत आपल्या आपल्या आवयचो सोद घेवपी माणकुलीं भुरगीं, वेंचणुकेंतलो भ्रश्टाचार, जिणेंतले सूखदूख आनी यश अपयश, दलीत मागासवर्गीय मनशाची जीण संवसारातलें आनी मनशाच्या जिणेतले कठीणपण अशां व्यथांचेर तांच्यो कविता फुलतात.

व्यथा, समस्या ,हांचेभायर मनशाची जीण समृध्द करपी मोग आनी धीर हांवेसाविशीय ताणी कविता रचल्या.मुंबय शारांतल्या लोकांचो एकवट आनी न थांबपी थंयच्या जिणेच्या रपताराविशी, स्वासांत प्राण

आसामेरेन आयुश्याचो निमणो डाव खेळपाविशी, ध्येयाबगर वाट चलपी मनशांविशी, जिवीतांत आयिल्या अपमानाविशी ताणी बरयलां.

तांचे कवितेंत मौन धारण करून रातीक शरण वचपी दीस, सृश्टीचो अविश्कार आसपी आवय ,आपल्या गंधीत स्पर्शान मताचो मद जिरोवपी शिरवाण, ना कळपी कलेंतलो प्रलय आनी अशे तरेन येवपी विशयांतले नवेपण कांयकडेन भेटता.

केन्ना केन्ना तांचे जिणेतली जाण कवितेंची स्वरूप घेवन येता.

म्हज्या स्वासांत
तुजो मोग घेला परमळून

उदकाचे स्त्रोत गायतना ते मंत्रावरी म्हणतात-

उदका तुजी कितली रूपां
अस्तित्व तुजें धांय दिकां
झरींत तूं व्हाळांत तूं
बांयत लिपून बसलां तूं
जंय थंय वता थंय तूंच तूं

झांडापेडांचो स्वास तूं
प्राणिमात्रांचा प्राण तूं
धर्तरिचो आत्मो तूं
जंय थंय वता थंय तूंच तूं

आपल्या नव्या काळांत जिणे पध्दत कशी बदलल्या ते खंतीन सांगतात-

आतां
फांतोड केन्ना जाता कळचना

कारण साद घालपाक कोंबेच ना
पदेर गेले उंडेय गेले
आतां भुरगी फॅक्ट्रीतले ब्रेड खावन
डेयरीचें दूद पिवन वता शाळेंत
मणभर पुस्तकाचें वझें
माणकुल्या फाटीर मारून
बर्शींतल्या......

अनिलबाब आपल्या कविता तांचे तरेन घेवन येतात.तांच्या कवितांनी विशयाची विविधता कपयाळावरी दिसता ,भावनांची खरसाण भोगता.तशेंच कवीक कवितेविशी बरी जाण आसा हेंय कळता.

जा तूं बळीशट

तुफानावरी जा तूं
इतलो बळीशट
नतमस्तक जांवक जाय
तुजेमुखार खंयचेय अरिश्ट

मार मर्दा मार भरारी
उच मळबांत सवण्यावरी
प्रयत्न करीत रांव सदांच
मेळोवंक यशाची तिजोरी

व्हडयाक नासता चिंता
उरल्यार तें आलतडी
मनशाक ध्येय गांठूक
वचजेंच पडटा पलतडी

धांय दिकां परमळ शिंपडाय
सोबीत पारजतावरी
म्हान तूचें कतृत्व पळोवन
काळचाक फुटूंक जाय खोसयेझरी

अनिलबाब जागृतेची मशाल पेटयता आस्ताना एकचाराचे' गीत गायता आनी त्या वेळार आमगेल्या एकवोटाची वणत कोसळटाशी दिसता तें पळोवन कशे परीं संवेदना व्यक्त करता तें पळोवयाः

आयज चल्लां कितें घडटा कितें
पुण्यवंत भारत भुंयेर
एकचाराचीं जावन बोंद्रां
लोंबकळटात राज्यां शिमेर

भाव म्हण्टा भावाक दुसमान
घेवन हातांत धर्मा चुडी
रगता व्हाळांत उफेतात
देवळा लागीं मर्दींच मर्डी

अनिलबाबाक मनशांक भोवच लागींच्यान पळोवपाची संवय. एकवोटचो दोरो तुटिल्ले वरीं दिसताना जशें ताचें काळीज दुखपाक लागता तेच परीं स्वातंत्र्य काळांत मनशांची दशा पळोवन ताचें मन रडटा. जिवीताच्या मार्गार जें कितें पळयलां आनी अणभवलां ताच्यो यादी ताच्या ध्याना मनांत शिरल्यात आनी मदीं-मदीं तांचे बरोबर तो एकजीव जाता.ताच्या कवीमनाक सवस्तकायेचे सुस्कार घेवप कठीण जाता. कितलेच खेपे कवी अस्वस्थ जाल्लो नदरेक येता.

ताच्या "यादी" हे कवितेंत आमोरेच्या वेळार अचकीत यादी जित्यो जिवंत जावन जिबेर येंवक लागतात आनी सोपून न सोपपी अश्यो जिवीताच्यो काणयो सांगपाक लागतात. ह्यो काणयो आयकता आसताना ताच्या अंतरमनाक केन्ना काय सकाळ जाली तें कळना:

फांतोडेर थंडगार वाऱ्या स्पर्शान
अंर्तमनातल्या सुप्त यादींक
आपसूक आयली जाग नकळत
यादीनी कूस परतीत
मोखली नदर जने
माणकुल्या पावलांनी
उर्बा दिताली
निद्रेस्त जाल्ल्या जीवांक

यादींच्यो पाकळ्यो
उगड्यो जाल्यो अलगद
एकाफाटल्यान एक असंख्य
मनांनल्यो सुप्त भावना
फळफळुन वयर सरल्यो
रांदनीर तोपांत सळसळपी
उदकांतल्या बोंबड्यावरी
नियाळुंक काळजां कुडीत
गुप्त जाल्ल्या अप्रुप यादींक

(यादी)

मन्शा-मन्शा मदीं संवाद सादपाक शब्द माद्यम हें भोवच म्हत्वाचें माद्यम हाची अनिलाबाबाक भेस बरी जाण आसा. देखून तांच्या उत्रानीं आत्मभानाची भर जाणवता. सर्वसामान्या मनशांचे अनेक प्रस्नांचेर नदर घुंवडायताना तांच्यातली संवेदनशिलता परत परत तांकां अस्वस्थ दवरता आनी तांका भितल्ल्यान हालयत आसता. सामाजीक वायटां आड ते पर्थून पर्थून आडुतात आनी हेरांक हे विशीं गंभिरतायेन चिंतपाक लायतात. भौन भौन तांच्या भायर भितर तुफानी ल्हारां गाजपाक लागतात आनी आपल्या शब्दशक्तीच्या पालवान ते उपदेश दीत आसतात. अनिलबाबाल्या कवितां झेल्यांत प्रेमविशयकूय अनेक कविता आसपावल्यात. गांभिर्या बरोबर तांच्यातले नम्रविनोदी वृत्तीचेंय दर्शन तांगेल्या कविता झेल्यांल्यान घडटा.

अनिलबाबा लागीं कोंकणी उत्रांचें बळगें आसा. ताच्या पालवान भावना जागृत करपाक ताका साद्य जालां. राग, मोग, उमेद, हावेस, दुख, खोशी, भय ह्यो सगल्यो भावना कविता झेल्यांत देंवल्यांत आनी ताका लागून ताचें काव्य वाचकांच्या काळजाक स्पर्श करून वतात. हे सगले हावभाव मांडपाक उतरांचें जें बळ जाय तें कवी लागीं आसा हें कविता वाचल्या उप्रान्त दिसून येता. अनिल शंखवाळकराल्या काव्य शैलींत काव्य अलंकार घडोवपाचें जबरदस्त कसब आसा अशें कवी पंढरिनाथ दामोदर लोटलीकार हाणीं आपले प्रस्तावनेंत म्हळां. ते म्हण्टात: हें कसब सगल्याच कवींक जमताच अशें ना. खंयचोय कवी जेन्ना कळत नाकळत आपल्या लिखाणांत काव्य अलंकार हाडटा तेन्ना त्या काव्याची मजा, ओलसाण आनी गोडसान वेगळीच. आंगार भांगर घातिल्ले परीं सुंदर वोसऱ्यांतले अस्तुरे भशेन ती कविता दिसूंक लागता. कवी अनिलबाबाल्या ह्या खाशेलपणाक लागून तांच्या कवितेची रूच वाडल्या. तिणसांजचें दृश्य साकार करतान अंतीं वाचप्यांच्या काळजाक पिळ घालपी "आयली रात" ही कविता शब्दां अलंकारान कशी नटल्या तें दाखोवपी ह्यो वळी पळयात:

उजवाडाचो पनेळ व्हलयत
सुर्या गेला दर्या पार....

ईगजी देवळां घांटी सूर
दितात रातीक येवकार.... वाह

"शेंकरें फुलोवन फांत्या पारार
कोंब्यान जेन्ना घालो साद
राती कुशीक न्हिदिल्ले धर्तरीक
आपशींच आयली जाग"

हे सारकिल्यो काव्य पंक्ती स्वरभास आनी यमक अश्या दोट्टी अलंकारानीं काव्याची सोबाय अधीकुच वाडयता. तांचे कवितेंत मैन धारण करून रातीक शरण वचपी दीस, सृश्टीचो अविश्कार आसपी आवय, नकळपी कलेंतलो प्रलय आनी अशे तरेन येवपी विशयांतलें नवेंपण कित्येक कडेन भेटता. केन्ना केन्ना तांचे जिणेंतली जाण कवितेचें स्वरूप घेवन येता

म्हज्या स्वासां
तुजो मोग गेला पर्मळून

उदकाचे स्त्रोत गायताना ते मंत्रावरीं म्हण्टात:

उदका तुजीं कितलीं रूपां
अस्तित्व तुजें धाय दिको
झरींत तू, व्हाळांत् तूं
बांयत लिपून बसला तूं

"मोतियां" धरुन अनिलबाबाले चार कवितां झेले उजवाडाक आयल्यात. कोंकणी साहित्यात ते मोलादीक भर घालीत आसात. गोंय सरकारान कला गौरव पुरस्कार दिवन तांकां सन्मानीत केलां. हो सन्मान फाव जाल्या उपरान्त कोंकणींतल्यान साहित्य निर्माण करून उजवाडाक हाडपाची तांची उमेद आनी जिद्द वाडल्या. "मोतियां" सांगाता तांची साहित्यीक जीण लिकलिकत रावची आनी राश्ट्रीक पातळेवेल्या सनमानाक तांची नोंद जावची हीच इत्सा.

•••

म्हका भेटिल्ले पुरुषोत्तमबाब काकोडकार

सांस्कृतीक, सामाजीक आनी साहित्यीक मळार सक्रीय राविल्ल्यान जिवीताचे वाटेर खूबशा नामनीय मनशां कडेन म्हजो लागचो संबंध येवंक पावलो. स्वातंत्र्य झुजारी पुरूषोत्तमबाब काकोडकरा लागीं हावें केन्नाच चिंतूंक ना ते पद्धतीन नातें जुळूंक पावलें. १९८० सालांत संघ लोकसेवा आयोगाची परिक्षा पास जाल्या उप्रान्त आकाशवाणी केन्द्राचेर कार्यक्रम अधकारी म्हूण म्हजी नेमणूक जाल्ली आनी प्रशिक्षणा खातीर हांव दिल्ली गेल्लों. थंय गोवा सदनांत देड म्हयनो तांच्या सांगाता तांच्याच रूमांत रावपाची संध म्हाका मेळ्ळी. तेन्ना भाऊक हावे सामके लागच्यान पळेलें. ते गोंयच्या राजकीय प्रश्नासंबंदान आनी कोंकणी भाशेच्या विकासा बाबतीन म्हजे लागीं खूब खूब उलोवन गेले. तेन्नाचे एके गजालीचो म्हाका परत परत उगडास येता. कांय वर्सां आदीं जेन्ना हांव दिल्ली गेल्लों तेन्ना हावें थंय फुटपाथाचेर विकपाक आशिल्लेकडेन स्वामी विवेकानंदांचें "प्रक्टिकल वेदान्ता" म्हूण एक ३०-४० पानाचें ल्हानशें पुस्तक विक्तें घेतिल्लें. हावें तें खूब खेपे वाचून काडिल्लें आनी ताका लागून विवेकानंदाले विचार सदांच म्हज्या ध्याना मनांत उरताले. अजापाची गजाल म्हणजे नक्की त्याच पुस्तकाची प्रत भाऊ आपल्या उश्या पोंदा दवरताले आनी सदांच सकाळी उठल्या बरोबर वाचताले.

स्वामी विवेकानंदालीं उत्रां भाऊंत काम करपाची जिद्द आनी फुडें वचपाची धाडस रिगयतालीं हाचो तर्क हावें लायिल्लो.



१९८४ सालांत स्वातंत्र्य सैनीक पुररूषोत्तम काकोडकार, लेखक युसूफ अ. शेख आनी ज्ञानपीठ पुरस्कार मानकरी रवीन्द्र केळेकार

जिद्द आनी धाड्साचें प्रतीक

एक व्हड राष्ट्रभक्त आनी गोंयच्या मुक्तिसंग्रमातलो नावांजतो फुडारी म्हूण पुरूषोत्तमबाब काकोडकार हांची प्रतिमा आमच्या दोळ्यांकमुखार येता. सदांकाळ धव्या रंगाच्या साद्या खादी पोशाखांत दिसपी पुरूषोत्तमबाब निजाचे गांधीवादी जावन आसले आनी गांधीजींच्या तत्वांचेर आधारीत आपल्या सिद्धांतांक घट चिटकून रावपी पुरूषोत्तमबाब सामाजीक आनी सांस्कृतीक मुल्यांक भौच म्हत्व दिताले. ते कोंकणी भाशेचे व्हड पुरस्कर्ते जावन आसले.

गोंयचो मोग आनी देशभक्ती पुरूषोत्तमबाब आंगांपांगांत भरिल्ली. गोंयच्या मुक्तिमोहीमेंतलें तांचें योगदान विसरू नजो. आपल्या तरूण पिरायेंत स्वातंत्र्य चळवळीत वावुरता आसताना तांकां बणखणीची

ख्यास्त भोगची पडली. पुरूषोत्तमबाबाक तांचे इश्ट वांगडी आनी स्वातंत्र्य चळवळींत वावुरपी तांचे सांगाती "भाऊ" म्हणटाले.

भाऊचो जल्म एका मद्यम वर्गांत जाल्लो. त्य वेळार हो भुरगो हेरांभशेन लायसियमान शिकून दोतोर जांवक दुसरी खंयचीय व्हडली पद्वी घेवंक शक्तालो. पूण तशें करचें सांडून भाऊ अकस्मात घर सोडून बनारस युनिवर्सिटींत संसकृत शिकपाक गेलो आनी मागीर कांय दिसा उपरान्त घरच्यांक हे विशीं कळयलें. थंय ताणे शास्त्रीची पद्वी मेळयली. पूण ह्या शिक्षणाचो उपेग नोकरी मेळोवपा खातीर करपाचो ताचो हेतू नाशिल्लो.

उपरांत भाऊ महात्मा गांधीच्या आश्रमांत रावपाक गेले आनी थंय १८ म्हयने रावन "आल इंडिया खादी बोर्डांत" वावुरपाक गेले. १९४२ सालांत भारत छोडो मोहिमेंत ताणीं वाटो घेतलो. त्या वेळार तांकां बणखणीची शिक्षा जाल्ली. कांय वेळ ताणी हिंडालगा जेलींत सारिल्लो. ह्या वेळार गांधीजींच्या आशिर्वादान सेगांव आश्रमांत तांचें लग्न जाल्लें. १९४६ साला आदीं सावन पुरूषोत्तमबाब गोंयच्या सुटके विशीं गोंयकारांमदी जागृताय हाडपाच्या वावराक लागिल्ले. भारतीय राष्ट्रीक काँग्रेसच्या कार्यावळीचो गोंया प्रसार करप आनी गोंयच्या मुक्तीचळवळीक तयार करप हे हेतून डॉ. विनायक मयेंकार, निलकंठ कारापुरकार, प्रमिलाबाय जांबावलीकार आनी आपल्या हेर साथीदारां सागाता मडगावां ताणीं "गोवा सेवा संघा"ची स्थापना केली. तांगेल्या फुडारपणा खाला ह्या सुवातीर प्रार्थना सभा आनी, जश्यो गांधी आश्रमांत घडून येताल्यो तसल्यो, कार्यावळी जाताल्यो. १९४६ सालांत अनेक सत्याग्रही भावभयणांच्या पालवान भाऊन कांय पुर्तुगेज कायद्यां आड चळवळ करपाचें थारायलें. हे कायदे गोंयकारांक भौच त्रासदायक जावन आशिल्ले. हे चळवळीक मडगांवां सुरू करून मागीर पणजे, म्हापश्यां,वास्को आनी हेर कडेन व्हरपाचें थारलें. ते मजगतीं राम मनोहर लोहिया गोंयां आयले. १८ जून१९४६ दिसा पुर्तुगेज हुकूमशायेन

उलोवपाचेर जी बंदी घातिल्ली ताचे आड आवाज उठोवपाचें थारायलें. भाऊन आपल्या गोवा सेवा संघाच्या वांगड्यां बरोबर पुराय तरेन ह्या संघर्शांत वाटो घेवपाचें थारायलें. लोहियांक अटक करून जेन्ना आगवादच्या जेलींत व्हेलें तेन्ना लोकाक उत्तेजीत दोवरपाची जापसालकी भाऊन आपल्याचेर घेतली. १० आगश्ट १९४६ दिसा भाऊक अटक केले. त्या दिसानीं एक दिस लेगीत विसोव घेनासताना भाऊ संघर्शवाटेर वावुल्ले. २७ सेप्टेंबर १९४६ वर्सा पुर्तुगेज सरकारान भाऊक ९ वर्सांची बणखणीची ख्यास्त फरमायली आनी १४ डिसेम्बर १९४६ दिसा तांका पुर्तुगालाक व्हेलो.

१९५२ सालांत जानेवारी म्हयन्यांत पेनिचे फोर्ट जेलींतल्यान भाऊची सुटका जाली. पूण तांकां पुर्तुगाल सोडून येवपाक पर्वानगी मेळ्ळी ना.मागीर मे १९५६ मुबयंत रावन भाऊन आपलो संघर्श चालूच दवल्लो. १२-०८-१९५७ दिसा भाऊन कर्नाटका लागसार माजाळे एक केन्द्र सुर केलो. कितलेच खेपे तांका धरून पणजे हाडटाले. म्हयनोभर बणखणीत दवरताले आनी सोडटाले. आपल्या कुटूंबा परस चड राष्ट्र सेवेक प्राधान्य दिवप ह्या गांधीजींच्या तत्वांक ते म्हत्व दिताले. ह्या तत्वांच्या बळार ताणीं आपलें तन मन धन मुक्तिसंघर्शांत घालयलें.

गोंयच्या सुटके उप्रान्त "गोय दमण दीव प्रदेश कॉंग्रेस कमिटी"चे अध्यक्ष म्हूण ते वावुल्ले. १५ वर्सां परस चड तेंप ते पक्षाचे मुखेली जावन आसले. १९७१सालांत ते पणजी मतदार संघाचे प्रतिनिधी म्हूण वेंचून आयले आनी १९७१ ते १९७७ मेरेन गोंयचे खासदार म्हूण वावुल्ले. १९८५ ते १९९१ मेरेन ते राज्यसभेचे वांगडी जावन आसले. लोकसभा आनी राज्यसभेचे वांगडी आसताना अनेक म्हत्वाच्या कमिटींचेर तांची नेमणूक जाल्ली.

कोंकणी भाशेच्या विकासांत भाऊलें तोला मोलाचें योगदान आसा.

तांच्याच यत्नांक लागून "गोवा कोंकणी अकादेमी"ची स्थापना जाली. १९८४-१९९६ मेरेन ते अकादमीचे अध्यक्ष म्हूण ताणीं जापसालकी सांबाळ्ळी.

ह्या म्हान मानेस्ताच्या वावराची आनी गोंयच्या स्वातंत्र्य चळवळीक अप्रूप योगदानाची नोंद घेवन श्री एदुवार्द फालैरो हांच्या मार्गदर्शनान गोंयच्या कला आनी संस्कृतीक संचालनालय आनी कोंकणी अकादमीच्या जोड पालवान "पुरूषोत्तम काकोडकार व्याख्यान माला" सुरू केली जातूंत पयलें वयलें उलोवप केन्द्रीय मंत्री श्री कपील सि=बल हाणीं केलें.

• • •

माशाल्लाह हावें तुजो मोग जोडलो

युसूफ अ. शेख M.Sc., I.B.(P)S. Retd

गोवा राज्य सांस्कृतीक पुरस्काराचे मानकरी
गोवा कला अकादमी साहित्य पुरस्काराचे मानकरी
फा. आन्तोन पेरैरा साहित्य पुरस्काराचे मानकरी
माथायस कुटूंब पोएट्री एवार्डचे मानकरी
आकाशवाणी एनुअल एवार्डचे मानकरी

आकाशवाणीच्या आसऱ्या खाल जावपी
अखिल भारतीय सर्वभाशा कवी सम्मेलनान
भाग घेवपाचो मान फाव जाला.

ह्या आदीं उजवाडाक आयिल्लीं पुस्तकां:
गांठी (कवितां झेलो)
रंगघाय (कवितां झेलो)
ओड (कवितां झेलो)
दिव्य कुरआन (पवीत्र कुराणाच्या ३०व्या
अध्याचो कोंकणी अणकार)